Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

DG985

कोंकणी सरस्पतिचो अितिहास

अेक सुपुल्लो नियाळ

प्रोफेसर (डॉ.) ओलिव्हींन्य गोमिश्

Professor (Dr.) Olivinho Gomes

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

गुरुकुल काँगड़ी विश्वविद्यालय
कृपया पुस्तक के ऊपर कोई निशान आदि
न लगायें।

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri.

पुस्तकालय

गुरुकुल कांगड़ी विश्वविद्यालय, हरिद्वार

वर्ग संख्या.........

आगत संख्या................

पुस्तक—वितरण की तिथि नीचे अंकित है । इस तिथि सहित २० वें दिन तक यह पुस्तक पुस्तकालय में वापिस आ जानी चाहिए । अन्यथा १० पैसे के हिसाब से विलम्ब-दण्ड लगेगा ।

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कोंकणी सरस्पतिचो अितिहास

DONATION
6985
Forwarded free of cost and with the compliments of the Deptt. of Education, Govt. of India, New Delhi.

अेक सुपुल्लो नियाळ

पुस्तकालय

प्रोफेसर (डॉ.) ओलिव्हीन्य गोमिश्
Professor (Dr.) Olivinho Gomes

कोंकणी सरस्पत प्रकाशन, चांदर-गोंय

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

C सौ. येज्लिन्दा गोमिश, १९८९

पयलें उजवाडावप :

स जानेर, १९८९
कोंकणी साहित्य परिशद, मणिपाल-च्या निमित्तान

उजवाडावपी :

श्री. आवेलीन कुतीन्यु,
कवडी, चांदर-गोंय-४०३७१४

छापपी :

श्री. रो. शां. बांदेकार,
बांदेकार प्रिन्टर्स,
कुडचडें-सांवर्डे, गोंय.

मोल : ५० रुपया

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कोंकणी सरस्पतिचो अितिहास

मांडावळ

माथाळो		पान आंक
१	कोंकणी भाशेची घडण	१
२	पयलें वयलें बरोवप	२
३	कोंकणींतलो पयलो साहित्यीक वावर	५
४	तेराव्या-चौदाव्या शेंकडयांतली कोंकणी	७
५	भायल्या पाद्रींचें सुरवातेचें काम	९
६	मिशनरींची साहित्यीक मोहीम	११
७	कोंकणीची देंवती वाट	२१
८	सारस्टी मोडीचेर नियाळ	२५
९	कोडयाळी वा कारवारी मोड वा शैली	३५
१०	केरळी कोंकणी शैली	४१
११	कोंकणीची मंगळूरी मोड	४५
१२	कोंकणीची बारदेशी मोड	५५
१३	अंत्रुजी मोड	६९
१४	कोंकणी - मराठी वाद	७९
१५	पुनरूस्थानाचो काळ	९७
१६	कोंकणी भाशा मंडळ आनी हेर संस्था	१०४
१७	आयची कोंकणी चळवळ आनी वावर	१०६
१८	केरळांतली कोंकणी चळवळ	११०
१९	आयची कोंकणी कथा	११२
२०	आयची कोंकणी नवल - काणी	११४
२१	आयचे कोंकणी नाटक	११६
२२	आयचें कोंकणी कवीत	११९
२३	विनोदी बरोवप	१२५
२४	धर्मिक स्वरुपाचे बरोवप	१२६
२५	अणकार आनी रुपांतरां	१२८
२६	भुरग्यां साहित्य	१३१
२७	साहित्य समीक्षण आनी हेर बरप	१३४
२८	निमाणिशीं उतरां	१३६
—	आदारावळ (bibliography)	१४०

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१ कोंकणी भाशेची घडण

भारताचे दक्षिणे-अस्तम्ते दर्याधडेर शेकानशेक पातळिल्लो आनी सह्याद्री पर्वता वा अस्तम्ते- घांटा आडोसाक नंदतलो वेगळो असो जनपद भुमीभाग म्हळ्यार कोंकण. ताचेवेल्यान आयिल्ले कोंकणी भाशेचीं पाळां-मुळां पोन्ने-पुरातन मुंडारी भाशेकडेन पावल्यांत जांवये म्हणपाचें अनुमान हालींच्या काळार जाल्ल्या सोदा वेल्यान दिसूंक लागलां. मुंडारी भास 'शबर' म्हळ्यार प्रोटो-औस्ट्रलोयड आदिवासी लोकांची जावन आसा. तांचे पुर्वज, कोंक जमात, खंय आदल्या काळार ह्या भागांत जियेताले. तांचे- वेल्यानूच कोंकवन वा कोंकण, हें नांव हे भूंयेक पडलें म्हणपा सारकी सुचो-वणी आदल्या संस्कृत आनी तामिळ साहित्यांत मेळटा, अशें जाणकार सांगतात.

हे जमातींतले लोक आयज गोंयांत रूपांतरायल्ल्या आंगान गावडी, कुणबी, वेळीप आदी नांवांनी वळखतात. तांतले कांय जाण 'कुंकुणा,' ह्या नांवा खाल महाराष्ट्रांतल्या खान्देश भागा-च्या जळगांव आनी धुळे, ह्या जिल्ल्यांनी पळेंवक मेळटात. आयज मुंडारी उलोवपी चडशे लोक बिहार राज्यांतल्या छोटा-नागपूर भागांत वस्ती करून आसात. मुंडारी भाशेंत रेवरेंड जे. हॉफ-मन-हाणी S अक्षरा मेरेन अेक विश्वकोश तयार करून उजवा-डायलो. तांतल्या कांय उतरावळीचो आनी अेका मुंडारी-अिंग्लिश शब्दकोशाचो बारकायेन अभ्यास केल्यार, कोंकणीचें आनी मुंडारीचें कितलें लागशिलें नातें आसा म्हणपाचें घसघशीत लक्षांत आयले बगर रावना.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुण, ह्या मूळ म्हालवजार, शेजारच्या बळीश्ट द्राविडी वा 'कूश' संस्कृतायेचो भोव तोलादीक असर पडलो, चड करून चालूक्य सम्राटांच्या राज्या काळार. ते आदीं आनी उपरांत, भोव करून ख्रिस्ती युगाच्या पयल्या - वयल्या शेंकडयांनी, उत्तर भारतांतल्यान, उदेंत पंजाब, उपरांत बंगाल आनी राजास्थानांतल्यान आर्य लोक. सारस्वत आनी चाड्डी (ब्राह्मण आनी क्षत्रीय), कांय वैश्य-वाणी आनी तांचे वावराडी सुदीर, कोंकणांत पावले आनी येतना वाटेक मेळिल्ली उत्तर देखनांत उलयल्ली प्राकृत, जिका भारताची पदां-संगीताची काव्यमय भास म्हणटाले, ताणी आपणायली आनी ती कोंक जमातीचे भाशेंत भरशिली. मौर्यांच्या काळार माघदी आनी शौरसेनी प्राकृतांचो आनी खासा बौध काळार पाली भाशेचो कोंकणीचेर भोव खोलायेन प्रभाव पडलो. मागीर प्राकृतांतल्यान जेन्ना स्थानीक अपभ्रंश निर्माण जाले तेन्ना कोंकणींत तांचो जीव भल्लो. ह्या मेळगरांतल्यान कोंकणी भाशेक, आपल्या हेर भयण-भासां वांगडा जांवये, णवव्या ते धाव्या शेंकडयाच्या सुमाराक थीर - पुराय अशें रुप आयलें. तेन्ना ही भास संस्कृताचे व्याकरणीक बांदावळीचेर आदारुन आनी तिचे उतरावळीचो हक्काचो पालव घेवन आर्य कुटुंबांत बसली. मागीरच्या काळार तिचेर आपल्या भयण-भासांचो आनी पुर्तुगेजीचो आनीं तसोच अिंग्लेजिचो थोडो-भोव प्रभाव पडलो. पुण तिचे ते कायमचे घटमूठ मुळावे बांदावळीन ते सगळे प्रभाव फाव ते भशेन आपल्या सभावा अनुसार रूपांतर करुन बेस बरे रितीन पचयल्यात.

२. पयलें-वयलें बरोवप

बरोवपा खातीर कोंकणी भास केन्नाच्यान उपकारायली, हे विशीं आमच्यांनी निश्चितपणी सांगूंक जायना. तरीय, कोंकणी बरोवपाची सगळयांत पयली आयज मेरेन नोंद मेळ्ळया ती म्हळचार अकराव्या शेंकडयांतल्या कर्नाटकांतल्या श्रवणबेळ-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

गोळाच्या गोमटेश्वराल्या (बहुबली) पाशाण्या मुर्तिच्या पांयां खाला. शिला-लेखाच्या रूपान कोत्रायल्लें तें वाक्य अशें आसा :

" श्री चावुण्डराजें करवियलें." (१११६-१७)

हें अस्सल कोंकणी वाक्य आसा म्हणपाचो दुबाव कोणाकूच आसचो न्हय. हे तरेचें प्रयोजक वाक्य आयज लेगित कोंकणी लोक त्या भागांत तरी उपकारायतात. अशींच साबार शिला-लेखाचीं कोत्रावपां कोंकणांतल्या कांय भागांनी हांगा-थंय कोंकणी उतरांनी बरयल्लीं दिश्टी पडटात, देखीक : मुंबयंत (११८७), फोंडच्यां (१२२१), वेऱ्यां (१३४८), ह्या जाग्यांचेर.

पुण, कोंकणी ही कोंकणांतली भास म्हणपाची पयली-वयली आनी स्पश्ट रीतीन उल्लेख करपासारकी रुजवात मेळ्ळ्या ती संत नामदेवांच्या उतरांनी. संत नामदेव (१२७०-१३५०) म्हणटात :

गोवळणी ठकविल्या । एक एक संगतीने
मराठी कानडिया । एक मुसलमानी
कोंकणी गुजराती ।
अशा पाच जणी गौळणी ठकविल्या ।

फुडें वचून नामदेव कोंकणी गौवळणीच्या तोंडांतल्यान त्या काळा-वेल्या कोंकणी भाशेचो नमुनो आमकां दितात तो असो :

' पाव गा दातारा । पाव गा दातारा ।
तूं नंदाल्लो झिलो । माका फडको दीं ।
मिं हिंवान मेलो । घे माझो कोयतो ।
देवा पायां पडलो । '

हांतले उत्तर कोंकणीचे (पेडणेचे ?) खाशेले शब्दप्रकार वाचत-ल्याच्या दोळ्यांत भरतात ते अशे : नंदाचो, माका, फडको, मेलो,

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

माझो, कोयतो. तशेंच त्या काळावेल्या मराठी ग्रंथांनी कोंकणी वाक्यप्रचार हांगा-थंय उठून दिसतात म्हणपाचे पुरावे श्री. चक्रधर स्वामींच्या लीळा-चरित्रांत आनी संत ज्ञानेश्वाराचे 'ज्ञानेश्वरीं'त नदरेक पडटात.

अशें म्हणटात कि पुर्तुगेज गोंयांत पावचे आदीं गोंयांत कोंकणींतल्यान साहित्यीक वावर जाल्लो. तांतलीं हातांन-बरय-ल्लीं पुस्तकां पुर्तुगेज धर्मकोल्लाच्या उज्यान हुलपायलीं, अशें व्हड पुर्तुगेज जाणकार डॉ. कून्य रिवारा सांगतात. हें कितलें-शें खरें आसत तें सारकें सांगू नजो. पुण तसलें साहित्य आशिल्लें म्हणपाची लिखीत सुचोवणी मेळटा. जोन लीडन (१७७५-१८११) ह्या जाणकारांनी नोंद केलां त्या प्रमाणें, तांकां खंय केरळांतल्या कोंकणी लोकां मदीं कोंकणी भाशेंत बरयल्लीं भागवत आनी लिंग पुराणां दिसल्यांत; तशींच रामायण, महाभारत आदी भाशांतर केल्ले ग्रंथ आनी मूळ कोंकणींत बरयल्लीं वीरभद्र चरित्र, पर्सराम चरित्र, बक्र मलिवाणी, अंग्रिया बक्र, आनी देवळांतलीं स्थळ पुराणां पळेंवक मेळ्ळयांत. हांचे अवशेश अजून केरळांत उल्लयात जाल्यार सोदून काडचे पडटले.

हे विशीं, डॉ. ग्रियर्सन, आपल्या 'Linguistic Survey of India' ह्या ग्रंथांत, विधान करतात कि पुर्तुगेजांनी गोंयांत आक्रमण करचे आदीं थंय कोंकणी भाशेंत बरेंच-शें साअित्य घडोवन आयिल्लें म्हणटात. त्या बरपांत मुर्ति पुजनाचो धर्म भल्ला म्हणपाचें येवजून ताणी तें लासून उडयलें. जेन्ना पाद्रींनी देवळां मोडून घेतलीं तेन्ना ताणी थंयचीं पोन्नीं पुस्तकां वा ग्रंथ ना-नपश्यात केले. देखून आयज तांची नांव - निशाण चड-शी दिसना.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

३. कोंकणींतलो पयलो साहित्यीक वावर

तरीय, हालिंच्या काळार हाताक सांपडल्या ती कोंकणींतली त्या काळा-वेली पयली-वयली व्हड साहित्य-कृती जावन आसा. ती म्हळचार पुर्तुगालच्या ब्रागा शारांत होलमल्लीं कोंकणी गद्याचीं हात-बरपां. चड करून, त्या काळावेल्या गोंयांत चलतले 'कानदेवी' लिपयेंत बरयल्ल्या ग्रंथांतल्यान गोंयकार पंडितांनी वाचिल्ल्यो वा सांगिल्ल्यो मुलकी रामायण आनी महाभारतांतल्यो सगळ्यो काणयो पाद्रींनी रोमी लिपयेंत बरोवन काडून घेतिल्ल्यो, तांचीं हीं हात--बरपां. आनीक दुसरें कितें‌य मेळसर, तेंच पयलें-वयलें विकसीत भाशेंतलें कोंकणी गद्य जावन आसा म्हणपाचें मानचें पडटलें. तांचो मूळ बरोवपी वा घडोवपी वा रचनाकार कोण आसलो जायत, हे गजालीचेर हालीं केल्ल्या सोदा-वेल्यान कांय दुबाव उप्रासूंक लागल्यात. कित्याक तांतूंत बरोवप्याच्या नात्यान साबार जाणांचीं नांवां दिसतात, कृष्णदास शामच न्हय पुण तांचे सांगाती बरोवपी जांवये जे पाद्रींक त्यो काणयो सांगताले. तांचीं नांवां अशीं दिसतात : विष्णुदास नामा, शीवदास, ज्ञानदेव आदी.

तांतल्या महाभारतांतल्या '*आदी पर्व*' तिलो अेक उतारो देखीक पळेंवन घेंवया :

"भीस्मु मंत्र्यां - प्रधाना लागीं उलयलो : 'आमच्या बापाक अस्त्र्ये-वीण जीवाक सुख ना, म्हा - चिंताक्रांतु : तरी आतां तंव 'येकि कन्या तूर्ताची जोडीन' म्हणोनु आपुल्या राज्यांतलो घोडे-हस्ति-रथ-पायदळ चतुरंग सहिन्या सहित भायर पडलो. इतुक्या मार्गावरी वेतां, येका समुद्राचे तीरीं सुगंध परिमळ येंव लागलो. त्या परिमळाच्या लब्दानु राव व समेस्त सहिनें वेदलें.

तंव रायान प्रधाना पासीं विचारिलें : 'कस्तुरीचंदना सारिखो परि-मळू जो येता तो खैंचो ?' तें उतर आयकून प्रधानान आपुल्या शेवकांक निरोप दिलो : कोणी कडे कोण देवस्थान आसा, खंय बरव सुगंध पुस्पांचो

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

ठाव आसा ? तरी तुमी ठांय घालूनु वेगीं या.' तें उतर आयकुनु शेवक धांवत गेले ते समुद्रा तीरीं सोदूं लागले. सोदितां सोदितां त्या समुद्राच्या तीरावरीं येकू नव्वाड् म्हणचे तीरी तारी उतरतालो – ताची ती कन्या महा सरूपी, सुंदरी, त्या शेवकांनी देखिली. तिचे आंगीचो सुगंध परिमळ, त्या परिमळाच्या लब्दाक भोंवरांचें रण जुणुंकारु अंत्रोख्यो जाता. तावळी तें शेवकांनी देखुनु तिचे लागीं विचारिलें : 'तूं कोणाची कन्या ? हें सर्व वर्तमान आमकां सांग.' तावळी ती तांचे लागीं उलोंव लागली, 'मजो बापू खारवो, हांव तांची कन्या. पयलें मजें नांव मछगंधा : येकु गांवभरी मजे आंगिची पोरटणी - जैसी मासळयेक हिंवसाणीं येता - तैसी येताली. तावळी ह्या मार्गानि येकु रूशी परस्परू म्हळेलो तारी उतरनु वचूंक आयललो. तावळी मजो बापू खारवो अरण्यांतु गेललो. हांव येकलीची ते तारी लागीं बैसलोलीं. माका देखुनु तो रूशेस्पोरू वेगीं पलतडी उतरी म्हणू म्होणोंव लागलो. तावळी हांवें म्हळें : 'मजो बापू येवनु उतारीत. हांव कन्या, कैसें होडें उतारूं ?'

तावळी अेकांत वासु देखुनु, तो रूशी आपण्याक भोगु मागुं लागलो; तावळी हांव भयभीत हौनु लाजिलीं. तावळी तो रूशी बोलूं लागलो : वेगीं तूं माका भोगू दिशी तरी बरें, नां तरी तुका स्त्रापुनु भस्म करीन. तें उतर आयकुनु हांवें ताचे लागीं बोलिलें : हांव कन्या, भोगु दिवंक नेणो; तावळी ताणें म्हळें : तुका बरवीं पंदरा हौ सोळां वरूसांची सवाशीणी करीन; तावळी तिणें म्हळें : दिसाचो भोगू दिवूं तरी नये, समेस्त देव चंद्र, सुर्यो, समुद्र, रूख्यो वावतर देखताती, हांव तुका कैसो भोगू दिवूं ? तावळी ताणें म्हळें : तूं भियेंव नाका, त्या समेस्तांची दृश्टी आमीं भोगू करतना पडना - शी हांव करीन, म्हणोवनु आठांय दिशांक कमंडळीचें उदक काडुनु उडयलें; त्या उदकानु हिंवर जावनु अंदकारू पडलो, मनुश्याक मनूश्य देखं नये जालें.

फुडां ते मछकन्येन त्या रूशीक भोगू दिलो. फुडां तिगेरी व्यासु पुत्रु जालो, आनी तिका नांव सुगंधा म्हणोवनु ठेयलें; ते सुगंधेची आंगीची वासना जैशी कुकुम कस्तुरीं अगर चन्दन भौन चन्दन परमळटा तैशी वासना परिमळू येवूं लागलो मग तो रूशी जे तप केलले अितुकेंय वचूंक नागौलो; अैशें हें मागिलें वर्तमान त्या प्रधानांच्यां शेवकां लागीं सुगंधेन सांगिलें, तें आयकुनु ते आपुल्या स्वाम्या लागीं येवनु सांगिलें. तें सर्व वर्तमान आयकुनु राय प्रधान मंत्री घेवनु ते सुगंधे लागीं येवनु समुद्राचे तीरीं बैसलो; तिच्या बापा

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

खारव्याक आपोवंक धाडिलो. तो रायाचो निरोपु आयकुनु धांवत धांवत येवन पांयां पडलो : स्वामया तुवें कित्या माका आपोवंक धाडिलेलो तें माका सांग. तंव रायान म्हळें : तुजीं ही कन्या सुगंधा आमच्या बापा संतानु चक्रवर्तीक दी, दिल्यावरीं तुका हांव देस दुर्गां वळीत, द्रव्य, रथ, हस्ती, घोडे, सहिन्य, पायदळ तुका हांव दिवुनु राय करीन; जें कांय हांव म्हणटां तें तूं करी. तावळी ताणे म्हळें : स्वामया, हांव तुजो शेवकु, जें कांय ती कन्या म्हणटा तें करूंचें."

ह्याच प्रकाराचें कोंकणी गद्य रामायणांतल्या कथांनी पळेंवक मेळटा. तांचोय मूळ मुळकी लीपयेंत बरोवपी वा सांगपी कोण आसत म्हणपाचें निश्चित जायना. ह्या दोनूय म्हाकाव्यांतल्यो कोंकणी गद्यांत आशिल्ल्यो काणयो ब्रागा शारांतल्या ग्रंथालयांत हात-बरोवपा आंक ७७१ आनी ७७२ हांतूंत सांबाळ्ळयांत. तांतूंत ८३९ आनी ५४३ पानां आसात. तांचें संपादन करपाचें काम प्रो. लुरदीन रूद्रिगिश-ह्याणीं हातांत घेतलां आनी ताणी महाभारतांतल्या 'आदी पर्वा'तल्यो अठरा कथा आतां मेरेन उजवाडायल्यात.

४. तेराव्या-चौदाव्या शेंकडयांतली कोंकणी

कोंकणी भाशेचो त्या आदलो आविश्कार वयर सांगिल्ल्या 'लीळाचरित्रां'त पळेंवक मेळटा. तेराव्या शेंकडयांत यादव सम्राटांच्या काळार महानुभावी चळवळींतल्या महंतांनी श्री चक्रधर स्वामींचें 'लीळाचरित्र,' ह्या मराठी ग्रंथाचीं खंडां बरयलीं, जेन्ना मुसलमानांचे धाडीक लागून, ते कोंकणांत पावले. देखून तांच्या बरोवपांत कोंकणी उतरां आनी वाक्यप्रयोग रीगले जांवये. तांतलो श्री. दा. पु. शिरोडकारांनी संपादिल्लो अेक उतारो पळेंवन घेंवया. तो पणजेच्यान उजवाडाक येतल्या 'गोमन्तक,' ह्या मराठी दिसाळयाच्या १०-१-१९८४ तारखेचे पुरवणेंतल्या तांच्या लेखांतलो तांचे भोव उपकार मानून काडला :

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

"ते दिस हांव दादोन आफइला म्हूण नईचे तडी-तडीन सकाळीच घरा गेलों. वाटेर हंवे हतयांचे किंकाट रानांतल्यान येतात ते आइकिले, आनि तेवटेन माझी दिष्ट गेली. तर हंवे एक तरणी-धाकटी बाइल केस उगइत आसता देखली. फुडां तीइ माझ्या सांगाती येउं लागली. फुडां एक जोइसी देखला. वाटे कोणाची अेक खोप देखली. थंय अेक बोडकी आंबील रांधी. इतक्यांत पानां-फोफळां घेऊन एक आंडोर थंय पावला आसतांना बोडकेन तेच्या हातीर उनउनीत आंबील ओतली. तेणे बोब मारली. पाठल्यान अेक आंडोरी देखिली. तिचे हात भांगरान भरलेले देखिले. ती रडली आनी म्हणू लागली: 'आरे पापया, आतां तूं हातीर उदक घाल, त्या तांबयांत थंड उदक आहा' फुडां तिने म्हातारेकडे मुख करून म्हणितलें, आगे, आदीं पयलीं तुवें तुझ्या वरैता ना केला. आतां ह्या आंडोरा खाउं सोदिताए. मागां तिने आंडोरा पसाऱ्या वचून सुण्या मायेन उंडयाची पोटुली घेऊं सांगिली. फुडां तिएची आवै पावली. मायेधुआं भेटी जाली. धुअेन गंगाळां उदक भरिलें. आवैन ते सारिलें. वस्त्रां धुलीं-ओळणी घातली.

दुसरे दिसा धुए एकवत म्हणौन झुंजुरकें जालें तेदना ती उठिली, हाली-धुली. इतक्यांत तिएच्या वरैता एक दायज येईल म्हणौन ते दसा शीत आनि वर्नइ केलें. सांजवळे दायजान सांते वचौन गाडुयांत दूध घेतिलें आनि भाऊजैंए स्वाधीन केलें. तिने दुधांत फुलसोजी साकर घालून रांधिली आनि दाएजा वाढिली.

चणेयांत तिखी आनी मिरयांची पुडी घातली. तेदना हींव वाजूं लागलें. जेवणा बरी साकवतीं केली. धाकुटलीं केळीं दायजा दवरलीं. फण्यातुलीं दोन केळीं तेणे खालीं ..."

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

५. भायल्या पाद्रींचें सुरवातेचें काम

जेन्ना पुर्तूगेजांनी १५१० वर्सा गोंय जिखलें तेन्ना ताणीं देशी धर्मीक सरूपाचें साअित्य चडशें ना-नपश्यात करपाचो येत्न केलो म्हणपाचो ह्या आदीं उल्लेख आयला. पुण उपरांत तांच्या पाद्रींक कोंकणी भास शिकोंवचे खातीर तांच्या जाळवणदारांनी गोंया (१५६५च्या सुमाराक), रायतुरा (१५७६च्या अदमासाक), चोडणां (१५६५ च्या भोवतणी), म्हापश्यां साळो उगडल्यों आनी बरो तेंप चलयल्यो. मागीर ते कोंकणी भाशेंत प्रवीण जावन तांतूंत ते काव्य आनी गद्य बरोवपाक लागले. १५५६-आंत गोंयांत भारतांतलो पयलो छापखानो बसयलो आनी तांतल्यान छापिल्लीं पयलीं-वयलीं पुस्तकां कोंकणींतल्यान जालीं.

१५६३ वरस उदेता म्हणसर गोंयात चलतल्या जेझुयीत धर्मसंघाच्या सांव पावल, हे कोलेजींतल्या पाद्री शिकपी तरनाटचान कोंकणी व्याकरणाचो पयलो बरयल्लो मसुदो तयार केलो. त्या गोंयकार तरनाटचाचें नांव आंद्रे वाझ आशिल्लें. तो गांवान करंबळेचो, गोंय शाराच्या शेजारच्या गांवचो, जो उपरांत पयलो गोंयकार पाद्री जांवक पावलो. आपणेंच तयार केल्ल्या व्याकरणाच्या आदारान तो खंय विदेशी पाद्रींक कोंकणी शिकयतालो. त्या मसुध्याचेर आदारून अिंग्लेज जेझुयीत पाद्री थोमस स्टीफन्स (१५४९-१६१७) हाणी कोंकणीचें सविस्तर व्याकरण १५६८ आनी १६१७ ह्या काळा मदीं बरोवन काडलें, जें ते भायर पडल्या उपरांत, १६४०-आंत छापून उजवाडाक आयलें.

त्या व्याकरणीक वावरांत हेंरीक हेंरीक्शि (१५२०-१६००) जुआंव द सां मातीयश (१५९५ आनी १६४७- ह्या काळा भितर जीवे आसात), गोंयकार सिमांव आल्वारिश (१६९५ आनी १७४४ ह्या काळा मदीं जिवे आसात), कारेल प्रिक्रिल (१७१८-१७८५)

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
ह्याणीं भर घाली. गोंयांत जल्मल्ले फिरंगी फ्रांसीस्कान फ्रेय गाश्पार द सां मिगेल (१५९५-१६४७- ह्या काळांत जीवे आसात), हाणी ह्या वावरांत संपुर्णाय हाडली आपणाल्या 'आर्त द लींगुआ कानारीं' ह्या १६३५- आंत तयार जाल्ल्या ग्रंथांत आनीं उपरांतच्या तांच्याच " Sintaxis Copiosissima ... " ह्या वावरांत.

थोमस स्टीफन्सचो व्याकरणाचो ग्रंथ रोखडो छापून काडिल्ल्यान, सगळचा भारतीय भासांमदीं, कोंकणीक पयलें छापिल्लें व्याकरण आनी तशींच पयलीं-वयलीं छापिल्लीं पुस्तकां फावो जालीं. कित्याक, वयर सांगलां तशें, भारतीय उप-खंडांतलो पयलो छापखानो १५५६-आंत गोंयांत बसयल्लो. पुण रोमी लिपयेचे ठशे आपणायल्ल्यान आनी देवनागरीची आनी संस्कृत आवयभाशेची तांची वळख ना-नपश्यात जायत गेल्ल्यान, गोंयकार लोकाक तें खूब मारक पडलें, कित्याक तांकां मुळाक सावन आपलेच खाशेले भुंयेंतले उमटून काडिल्ले भशेन जालें.

तरीय आसतना, आशिल्ल्या साहित्याचेर आदारून आनी लोकां मदीं उलयल्ले भाशेचो अभ्यास करून, भायल्या पाद्रींनी आधुनीक भारतीय भासांतले पयले-वयले शब्द-कोश वा उतरावळी कोंकणींत तयार केल्यो. तांतली सगळचांत पयली म्हळचार १५७० वर्सां आदली. ती पुर्तुगेज-कोंकणी आनी कोंकणी-पुर्तुगेज आसली. ह्याच प्रकाराचे साबार शब्दकोश तांतलो उतरांचो सांटो वाडोवन तयार जावन आयले. तांतले म्हत्वाचे म्हळचार प्राद्री दियोग रिबेयरांचो १५,५०० उतरांच्या नोंदींचो जाल्यार फ्रांसीस्कान पाद्रींचो १७,५०० उतरांच्या नोंदींचो असो जाला. त्या भायर मराठी आनी कोंकणी, ह्या दोनूय भासांच्या व्याकरणांचो तुलनात्मक अभ्यास करून, 'जानुआ औीदिंका ...' नांवाचो ग्रंथ पाद्री अिनाजियु आर्कामोनी (१६१५-१६८३) हाणी बरोवन उजवाडायलो. त्या भायर हेरां भासांकडेन कोंकणीची सर करून साबार ग्रंथ

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
बरोवन जाले. त्यो भासो संस्कृत, अिटालियन, ग्रीक आनी लॅटीन अश्यो आसल्यो. ह्या वावरांत हेरांय जेझुयीत पाद्रींनी आपलें योगदान दिलें. ते म्हळचार आंतोन्यु द सालदांञा आनी मिगेल द आलमेयदा-फ्रांसीसकान पाद्रीं मदीं मुखेल अशे बरोवपी जाणीं कोंकणी भास, साअित्य आनी व्याकरण, ह्या विशयांनी आपली मोलादीक भर घाली म्हणटात ते गाश्पार द सां मिगेल, क्रिस्तोव्हां द जेझूस आनी मानुयेल बाञा आशिल्ले. दियोग द आमाराल, (१६९९-१७६२ -उपरांत) हाणी 'Prosodia della Lingua Canariua', ह्या माथाळच्या खाल प्रमाण कोंकणीचो निमाणो असो शब्दकोश बरयलो.

६. मिशनरींची साहित्यीक मोहीम

मिशनरी पाद्रींनी बरोवपाक घेतिल्लें नव्या क्रिस्तो धर्मीक स्वरूपाचें कोंकणी गद्य सगळचांत पयलें क्रिस्ती शिकोवणेचीं मूळतत्वां सांगतल्या पुस्तकांनी घडयलें. जाणकारांनी सोद केला त्या प्रमाणें, असलें क्रिस्ती शिकोवणेचें मुळावें पुस्तक कोंकणींत पयलें घडये १५५९ वर्सा गोंयां शारांत छापून उजवाडायलें. नाल्यार तें घडये १५५६ वर्साच, जेन्ना गोंयांत पयलो छापखानो बसोवन जाल्लो, हेर पुर्तुगेज धर्मीक शिकोवणेच्या पुस्तकां वांगडा उजवाडाक आयलें जांवयें, अशें जाणकार म्हणटात. अशें आसून, तें म्हळचार कोंकणींतलें सगळचांत पयलें छापिल्लें पुस्तक आसूंक जाय आनी क्रिस्ती शिकोवणेचे यादींत आशिल्लें सगळचांत पयलें पुस्तक म्हणूंक जाय. ह्या पुस्तकाचो बरोवपी कोण तरी गोंयकार क्रिस्तांव (घडये, आंद्रे वाझ) जांवक जाय, असो विद्वानांचो अदमास आसा. दुर्दैवान ह्या पुस्तकाची अेकूय प्रत अजून हाताक सांपडली ना. जें धर्म-शिकोवणेचें पुस्तक हालीं सोदून मेळळां तें जाल्यार खूब उपरांतचें, थोमस स्टीफन्सांनीं तयार केल्लें आनी रायतुरच्या छापखान्यांत १६२२ वर्सा छापिल्लें 'दौत्रीना क्रिस्तां' वा क्रिस्ती शिकोवणेचीं धर्म-तत्वां.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हें डॉ. मारियान सालदान्यांनी पुर्तुगालच्यान सोदून हाडून तें संपादीत करून सामक्या मर्यादीत आवृत्तीन उजवाडायलां.

त्या काळावेलीं प्रसिद्ध धर्मीक पुस्तकां आनी अेवरोपांत तेन्ना भोव गाजिल्ले तोला-मोलाचे ग्रंथ मिशनरींनी कोंकणींत हाडपाचो व्हडा म्हत्वाचो वावर केलो. तसल्या ग्रंथांचेर आदारुन केन्नाय मुळ कोंकणींत तेध्या पांवडयाचें बरोवप करपाचे ताणीं प्रयत्न केले. ह्या मळार चडशे जेझुयीत आनी फ्रांसीस्कान धर्म-संघाचे पाद्री आनी मठवाशी वावुरताले. तांतले तांतूंत उल्लेख करपा सारके म्हळयार १६०७ वर्सा उजवाडाक आयिल्लो रिबादेनेयरांचो व्हड ग्रंथ 'फ्लोस सांक्तोरुम' म्हळयार संतांच्यो जीणो, हाचें कोंकणी रूपांतर. हें कोंकणी भाशेंत आनी कानदेवी लीपयेंत फ्रांसीस्कान मठवाशी फ्रेय आमादोर द सांताना, हाणीं बरयल्लें. हाची अेकूच प्रत, हातान बरयल्ली, अेक हजार पानांची, पारिस शाराच्या राष्ट्रीक ग्रंथालयांत आसा. फ्रांसीस्कानां लागीं छापखानो नाशिल्ल्यान, तांचीं बरोवपां चड-शीं छापी नासतना उरलीं, हें ध्यानांत धरचें.

जेझुयीत पाद्री जुयांव द पेद्रोजा (१६१५-१६७२) हाणी 'देवाचीं अेकांग्र बोळणीं' हो ग्रंथ बरोवन १६६० छापून उजवाडायलो. ताणी बेर्नार्दीन द विल्येगश-हांच्यां 'सोलिलोक्युस दिवीनुस' ह्या व्हड ग्रंथाचें कोंकणींत तें रुपांतर केल्लें. अिनाजियु आर्कामोनींनी आपणाले 'सगळया वरुसाचे वांजेल' (१६६७), वर्सूय-भर उपकारावपाचें अशें शुभ-वर्तमान कोंकणींत बायबलांतल्या नव्या कराराचेर आदारुन बरोवन उजवाडायलें. बायबलांतल्या खंयच्याय अेका भागाचें भारतीय भासांतलें हें पयलें भाशांतर.

ह्या गद्याचे विशय म्हळयार चड करून संतांचीं जीवितां, क्रिस्ताची यातना आनी कश्ट-दगदग, मनन करपाचीं बरोवपां आनी धर्म-तत्वां कळोवपाची शिकोवण. तांतले तांतूंत कांय अशे तरेचीं

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुस्तकां आसलीं जांतूत तेन्ना चुकिचीं समजल्लीं क्रिस्तां-न्हय तांचीं धर्म-तत्वां विरूद्ध मुद्दे मांडिल्ले. हीं कांय मुदलाचीं कोंकणी भाशेंत बरयल्लीं, कांय हेर भासांतल्यान अणकारिल्लीं. तांच्यांतलो मुखेल असो बरोवपी म्हळचार फ्रांसीस्कान मठवाशी फ्रेय मानुयेल द सां मातीयश. त्या भायर, अिगर्जांच्या मुखेल्यां (विगारां) मार्गदर्शना खातीर पुस्तिका आनी भुरग्यांक शिकोवपाच्यो मार्गदर्शिका, कुमसाराचेर विवेचन आनी सेरमांवांचीं भाशणां. ही प्रवचनां विविधतायेन आनी साहित्यीक नदरेन कोंकणी भाशेच्या सर्व गिरेस्तकायेन आनी अलंकारांनी भरिल्लीं. हे सगळे प्रकार हाताळपांत तसोच व्याकरणीक, साहित्यीक आनी उतरावळ तयार करपाच्या गजालींनी सगळयांत निपूण म्हळचार गोंयांत जल्मल्ले पुर्तुगेज फ्रांसीस्कान मठवाशी, अस्कलीत गिन्यानाचो शिसो, गाश्पार द सां मिगेल आशिल्ले.

ह्या काळा वेले मूळ कोंकणी भाशेंत बरयल्ले ग्रंथ चड करून भाशांतरायल्ल्या पुस्तकां परस आकारान मोटे आशिल्ले. तेन्नाच्या मूळ कोंकणी बरोवप्यां मदीं आन्तोन्यु द साल्दान्य, हे खांपे जेझुयीत बरोवपी आनी प्रवचनकार आसले. तांचे विशय मनन, प्रवचनां, संतांचीं जीवितां आनी पाद्रींक आपल्या गोंवळीक (Pastoral) कामांनीं मार्गदर्शन करपाचीं पुस्तकां. तांतलो बऱ्यांतलो अेक ग्रंथ जो अ. का. प्रियोळकारांच्या कृपेन आमकां मेळ्ळां, तो म्हळचार 'सांक्तु आन्तोनीचीं अचर्यां.' गाश्पार द सां मिगेल आनी मिगेल द आलमेयदा, हे दुसरे त्या काळावेले व्हड कोंकणी गद्यकार. तांतले सगळयांत उत्तम ग्रंथ म्हळचार "Summa Theologica," ह्या म्हान ग्रंथाक सर करी सारको पांचखंडांचो 'वनवाळयांचो मळो' जाका 'Jardim dos Pastorès' हो पुर्तुगेज माथाळो दिल्लो. तें म्हळचार व्हड आकाराचें, उत्तम शैलींत आनी म्हाकाव्याचे धरतीचेर बरयल्लें गद्य-काव्य. हांतूंत निराकार ब्रह्मविद्येच्यो कल्पना जित्या-जीव्या, खतखतीत काव्याचे भाशेंत मांडल्यात. तो ग्रंथ तत्वगिन्यानान, सोबीत चित्रभाशेन आनी प्रति-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

मावळीन थपथपला आनी व्हांवत्या तालार चलतल्या सुळसुळीत वाक्यांनी मांडला. ताचे बरोवपी जेझुयीत पुर्तुगेज विद्वान पाद्री मिगेलद द आलमेयदा, हे आशिल्ले आनी तो मोलादीक ग्रंथ १६५८, ह्या वर्सा गोंयांत उजवाडाक आयलो.

त्या काळा-वेल्या बरोवपाचे कांय उतारे पळोंवया. थोमस स्टीफन्सां-च्या 'दौत्रीना क्रिस्तां' (१६२२) -तलो हो उतारो : "साल्वे रेजिनाचो अर्थ...

शरण येतांव, तुका राणये, काकुळटिचे माते तूं आमच्या जीवाचें अमृत, तूं आमचो भरवंसो, तुका शरणा येतांव. आमीं पर-देश्यां, अेवेची बाळकां, ह्या दुखाच्या कोंडांत आसतां, हास्कार हुस्कार सोडून, रुधन करून तुका कुलहाळ करतांव. तरी, तूं आमची सखाय, ते तुजे कनिवाळ दोळे आमचे वरी परती घे, माये, आनी ह्या परदेसा उपरांत तुजे कुशीचें सुफळ फळ, जेझूस, आमकां दाखय. हे शांती, हे कनिवाळी, हे दुलबी, सदां आंकवारी मारिये, सदैवी : परमेस्पराचे माते, क्रिस्तान आमकां दीन म्हळ्ळेलें तें लांबुंच्याक आमचे खातीर मिनती कर. आमेन, जेझूस."

दियोग रिबेयरांच्या पुस्तिकेंतल्या बरोवपाचो अेक नमुनो :

"...हे कारतिलीचे अरंभीं म्हाका मना आयलां, नव्यां क्रिस्तां-वांक, पुण भोव करून कोंकण्यांक समजांवच्याक, कि तांतूंत हें लिहिलां जें वाचतल्याक वो वाचललें आयकतोच हें नांव वैकुंठ नांवा-डलल्या वग्ता, तें आनी कांय न्हय बगर ज्या आस्थानांत सतेवन्त परमेश्पर आसा आनी आपल्या भक्तांक सदृष्ट पर्गट्टा, तेंच सदैव आस्थान कळटा.

तेणें प्रमाणीं, पाद्र नोस्साच्या ओरासांवांत जें म्हळां, म्हणजे, तुजी खोशी जशी वैकुंठा जाता, तशीच संवसारांत जांव म्हण म्हुण-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
टात तावळी, तेंच आस्थान, वो केवळ वैकुंठा कळटा. फिरंगे भाशेन आमीं ताका पारायीज म्हणटांव.

हें जाणपजण ह्यांवें आदीं केलां, कित्याक कोंकणे मनीस जे आसात, तेय आपल्या लटीकां देवां देवस्थानांचे सुवातेक वैकुंठ म्हणटात. तें खंय आसा म्हण निमगिल्यावर परंपरीं जाप दितात; त्या भितरले अेकां अेकां अंवकमथ भाशेन वैकुंठ पिर्तुमी सकल, हेर स्वर्गा वयर, हेर जें कांय देवान ब्राह्मांड रचलां, ताच्या भायल्यान नीज वैकुंठ म्हणटात, हेर फळाणये फळाणये कडे आसा म्हण जळपतात, तांकां बंद ना, अेक चित्त नां.

पुण आमचें केवळ वैकुंठ जें आसा, तें समेस्तां स्वर्गां वयर आसा. अडळ संचित्र कदीं सरून सरनां, तें परमेस्परान आपल्या उतरान रचललें तांतूंत आपल्या भक्तांक आपलें दर्शन दाखोंवच्याक.

तांचे सांगातीं नसरतलें सर्व सूख भोगूंक, त्याच केवळ वैकुंठांत परमेस्परान आपले दये-काकुतीन आमां समेस्तांक व्हेल्या पुरो.... ''

फुडें, ' सांक्त आंतोनीचीं अचर्यां'-तलो अेक उतारो पळेंवया :

'' ... भक्त सांत आंतोन्यु जीवो आसतनां संवसारांत दिसान दीस लोकाक शास्त्रा निमितीं गोश्टी सांगूंक, कांयच उणें करीना आसलो; अेक दिवशीं केल्ल्या पातकांच्या प्राचिता निमतीं, लोका लागीं मात गोश्ट केल्या उपरांतें, ती मात आयलल्यान अेक महा थोर पापी, जो त्या लोका भितर आशिल्लो, तो चेतवलो आनी केल्ल्यां पातकांची महा थोर दुख मनांत धरून, आनी केल्ल्यां पातकांचो संताप घेवन, सांत आंतोनीच्या चरणाडे पाप उचारण करूंक गेलो. ताका आयकूंक देवाची भगत तसोच बसलो, पण दुखां हिंपटच्यां निमतीं, त्या मनशाच्यान, अेकूय उतर पण सांगूं जायना जालें; तें भगतान देखून, ताची भूजवण केली आनी ताका संभखून म्हणळें: आगा

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

मनश्या, तुज्यान जर उलोंव जायनां तर घरा वच, आनी तुजी समेस्तां पातकां अेका कागदार बरय आनी म्हजेंडे वेगीं परतून यो.

सांत आंतोनीचें उतर आयकून, भग्तान सांगललें तें वेगीं करूंक आपल्या घरा उठाउठी गेलो; घरा पावतोच आपल्या पातकांचो बरो उगडास केलो, केल्या उपरांतें आपलीं समेस्तां पातकां अेका कागदार बरयलीं, बरयल्या उपरांतें, तसोच सांत आंतोनीकडे, तें कागद घेवन गेलो, आपल्या पापाचें उच्चारण करूंक. सांत आंतोनीच्या चरणांडे पावतोच तें कागद ताणें काडलें आनी भग्ताच्या हातीं दिलें. तें सांत आंतोनीन आपल्या हातीं घेवन जर पळे, तर आयल्या पयल्यान कांयच बरयललें ना देखून, ह्या पासत माका अजाप जावन, त्या मनश्या लागीं विचारलें: आगा मनशा, हांवें तुका करूं सांगलें कितें ? आनी तुवें केलेंय कितें ? . . ."

फुडें, मिगेल द आलमेयदींच्या भाशणाचो (प्रवचनाचो) नमुनो पळेंवन घेवंया :-

"...आनी आतां हांवें ह्या सुरावळीच्या गांवाची तुस्त करूंच्याक म्हाका मार्ग मेकळो जायत वेता. सुरावळीकारांनो, तुमच्या गांवाक सुरावळी नांव खंय थावन आयलें ? ताची कोण विभग्ती, कोण अर्थु तुमी जाणतलेत ? पुराणीक म्हणटात कि ह्या गांवाक तीन नांवां आसात. पयलें सुरी आयलें, म्हणजे ह्या गांवाक अेक सुरी अथवा पिस्काती आयली. ह्या नांवा ठांय जरी तुमकां तूस्त फावो तरी ताची गोश्टी नकरी कित्या तुमच्या गांवांक जी सुरी पिस्काती हातयार आसा तें पातक, वो खेली कातरूंक, चोरां चांडाळांक हाणूंक, मारूंक फेभावार्थाच्या दृश्टांणी झूज संग्राम करूंक : जेणे प्रमाणीं संपुचे दिवशीं, समेस्तां फुडें अनभावार्थ्यां तुर्कांरी चलुंचे निमतीं,निरोप मागुंच्याक तुमी फुडारलेत; येणे करतां हेरां दोनींय नांवां बरीं फावत.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

दुसरें नांव सूर्या आयली. आदिले म्हणटात तेणे प्रमाणीं ह्या तुमच्या गांवांत सुर्याची माय आयलीं : देखून ह्या गांवाक सुरावळी म्हण नांवाडितात, सुर्याचे मायेचो गांवसो उचारितात; क्रिस्तांवांनो, ही सुर्याची माय कोणशी जाणतलेत ? ही जी आसा, ती पिलारची आंकवार स्वामिणी, कित्याक स्वामी जेझूक सुर्या म्हणू नांवाडितात: Christus Sol Justitiae, तरी सदा आंकवार स्वामिणी सूर्याची माय हौन वर्तता; आनी हो सुरावली गांव दोती-दायज वो अणन हौन मिरोवता. भाग्यवंत गांव, सदैव लोक, तुमच्या दैव-दशेक अंतपार ना, कित्या तिची ती स्वामिणी देवा माय, ह्या गांवांची दायजीण, हो समग्र गांव तिचे आदींन जाला, तिणें तुमकां समेस्तांक आपले सेवेक, आपल्या भग्तीवंचळ आपले पुत्र-शे करून, आपल्या आला-शिऱ्या धरिल्यात. तिसरें जें मराष्टे भाशेन आसा, तें हें सुरु आयलो, सुरु आयलें, सुरु आयली; म्हणजे सर्गीचो लोक, येणें करितां सुरावळी जी आसा ती सर्गी थावन आयलली अेक अस्तरी : ही जी आसा ती पिलारची स्वामिणी, तिणें जसो मुग्तीवंत आपोस्तल सांत तियागाक भुजायलो वो ताका दृश्टी पडली, तशीच भावार्थाचे वळखीन ह्या गांवाक दृश्टी पडून, ताका आपलें दुलभ नांव दिलें आनी हे वाखाण्णे वो बृदा निमितीं समेस्तांक मानपद पायलें.

पळेया, क्रिस्तांवांनो ! कितुलें मानवत्वाचे, कितुल्या दया-दशेचे केदे भाग्यवंत सुरावळेचे गांवकार वो घरवासी, कित्याक लोक म्हळचार सर्गिचो लोक-सो समजता, हें सदैव नांव तुमकां लाबता, हें वाखाण्णें तुमकां पुराणोदीक दितात : हें बृद तुमकां फावो, तुमचे ठांय ही पिलारची स्वामिणी आसलल्या प्रसंगीं सर्व तुमकां लाबलां; तो जावळी तोच तो सर्ग, आतवळी ती आशिल्ली सुवात वो गांव सर्ग वो सर्गीचो हौन वर्तता..."

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

ही आसा अेक सोबीत भजन-गीत रचना, सांत आना– हिच्या मानाक. सांत आना, ही पवित्र आंकवार मारियेची आवय.

“ १ सांत आना तुजें, सुफळ जीणें,
देवू जाला माते, नातू तुजो;
स्वामी म्हजो, राजा म्हजो,
दान-धर्मू, माये, थोरू तुजो.

२ तुजें गे नांवू, नवला परीं,
आना म्हणजे तूं गे कुर्पा थोरी;
कृपेस्त आसतां थोरी जाली,
देवान तुका आपली आजी केली.

३ तुजे कुशीं सदैव लेंकी,
देवा-माता आंकवारी अेकी;
तिचे कुशीं गे देवा पुतू,
माये, तुजो मोगाळ नातू.

४ तुजें गे भाग्य आनंद थोरू,
भोडव्यां मदें आसन तुजें करू,
लेकी राणी, नातू राजा,
व्हडू राणी म्हणटीत गे तुका.

५ तुजो पती ज्योकीं भक्तू,
देवाच’ आजो प्रीतीवंतू,
भक्तां मदें मानू भोगी,
सियासन केलां तिणें नातवा लागीं.

६ सांत आना, माये, आमची सासाय,
चुंबन करून तुजे गे पांय,
कृर्पा आमकां दी गे थोरी,
आमचे पासूंत विनती करी ! - ”

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हें सांत आंतोनीच्या मानान :

“ सांत आंतोनी भक्ता,
फिर्ग्यांचे कुळीयेच्या,
तुज्या लिवरार खेळटा,
बाळक जेझू राजा.

बाळक खेळटा म्हणूनु
सायबीणीन घाली दिंबी;
ओरासांव मेन्ताल करी,
भक्तू सांत आंतोनी.

सांत आंतोनी भक्ता,
अचर्यां तुजीं तेरा;
चौदावें कर गा, सायबा,
आमच्या पापयांच्या घरा ! ” ....

हो आसा अेक उतारों ‘ देवाचीं अेकांग्र बोलणीं ’ (१६६०), हांतलो :

“ ... दुलबा जेझू, तुज्या गुणा सारीके मजे वरीं उपकार करशी म्होणू, विसवासी तुज्ये आधारीं आयलां, तुज्या कणीबाळया नेत्रांची नदर मजेवरी करी गा स्वामया आनी मजो सांभाळू करूंच्याक तुज्या डोळयां सरिशें हात जांव दी. तूं मजो वकीलु, आणी सर्वच्ची मज्या प्राणाचो धनी गा; तरी स्वामया, मज्या भगसण्या खातीर तुज्या बापाक अखेपी विनती करी, ह्या पास्वत खेती लाब आमां दोगांकय येता, तुका अकळु न्हय. हांव अपरादी आनी मूदली रीणी देखून, तूं जांवनी मज्या दोशांचो परिहार करूंक उबो राविलोसी म्होणू ? हे अनाधी सर्दीरा बापा. हे सर्वहुकुमदारा देवा ! तुज्या चरणांवरीं मस्तक ठेवूनु तुका शेरणा आयला, मजें पाप माफ करी, दातारा आणी, जजवी, तुज्यो अनंतीं करूणे दयेन मज्यावरीं कृपाळु हौनु मजीं पातकां भगशी म्होणू वेळांवधींहांततें तुजे लागीं मागिल्या तरी, आतां खरी नीती, वा नीतीधर्माचो ठसो मागता : तुमी बवनो जाणांसी अनुपम स्वामिया, कि तुजो अेकवतु पुत्रु, वा मजो स्वामी जेझू क्रिस्तू, आपणा

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पास्वत न्हय बगर मज्या पातकां खातीर मरण पावलो : म्हणूंच्याक, ताणें ताचें रगत जें आसा तें मजें, तें ताचें पूण मका फावो, आणी ताचें रगत वा पूण्य मज्ये सोडवणेचें जांवच्या कारणें आपुलें दायज थीर करून माका दवरिलां. . . . . . ''

हो आसा उतारो अेका नांव - निशाण दवरुंक नाशिल्ल्या त्या काळावेल्या अेका बरोवप्याचो :

'' भावा ! ही कूडी जी आसा, ती क्रिस्ता आमच्या तारका, नीज परमेश्परा, वो नीज मनशार्चीं; जो आमचे सोडवणे निमित्ती पवित्र खुर्सारी मेलो : ताचे लागीं जितुलें तुका जाय तें अितुलेंय माग, ताच्या हातांत तें वोप, ताचे लागीं तुज्या आत्म्याची काकलुत करी म्हण प्रार्थना दुणाय; हांव म्हणटां तशेंच म्हण : स्वामया, मज्या व्हड पापयांचे अंतस्कर्णांत रिगुंच्याक, मका फावोना; पुण तुजें पवित्र उतर म्हणटा कि मजो आत्मो बरो जांवन, उकती जावन मुक्ती पावोता, स्वामया; तूं मज्या व्हड पापयांच्या अंतस्कर-णांत रिगुंच्याक म्हाका फावोना; पुण तुजें पवित्र उतर म्हणटा कि म्हजो आत्मो वोंपतां कित्याक तूं सतेवंत परमेश्पर वा काकुतसार स्वामी, तुंवें म्हाका रचलोय वो सोडयलोय. ''

(कोमुन्यांव वा क्रिस्त-प्रसाद घेतना करपाचें हें मागणें-प्रार्थन जावन आसा.)

वयर दिल्ल्या उताऱ्या वेल्यान स्पश्ट जातलें कि हीं गद्याचीं तशीं पद्याचीं पुस्तकां क्रिस्ती धर्माचो प्रसार करपाचे नदरेन बर-यल्लीं. तरीय बरोवप्यांचो कोंकणी भाशेचो मोग आनी तिच्या अलं-कारांची वळख, ते भाशेंत साहित्यीक मोलाचें काम करपाचो हेत तांतल्यान घसघशीतपणी उठून दिसता. साहित्यीक नदरेन पळेल्यार आनी त्या काळावेल्या हेरां भासांतल्या तसल्या बरोवपा कडेन सर केल्यार, ह्या बरोवपाचो पांवडो तोलामोलान कांय उणो नाशिल्लो; तो बेस बरो आशिल्लो, हांतूंत दुबाव ना. हाच्याय परस तांच्या चिकित्सक व्याकरणीक आनी तुलनात्मक तश्याच उतरावळीच्या

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
वावराक सुमाराभायले म्हत्व आसा. असलो वावर त्या काळार खंय-च्याच हेर भारतीय भयण-भासांनी जांवक नाशिल्लो जितलो तो कोंकणींत जालो. तरीय, येद्या व्हडल्या आकांताच्या वावरांतलो भोव थोडो भाग आयज मेरेन आमच्या हाताक सांपडला.

कित्याक पुर्तुगेज सरकारान तेन्ना क्रिस्ती धर्मसंघांच्या पाद्रींक आपल्या साम्राज्यांतल्यान धांवडावन घाल्या उपरांत, कोंकणी ग्रंथ, हातबरपां हांगा-थंय शिंपडत गेलीं आनी घडये अेवरोपांतल्या कांय ग्रंथालयांत सोदुंक गेल्यार तांतलें कितेंय आमकां मेळत म्हणपाची शक्यताय आसा. तांतले तांतूंत हालींच्या काळार कांय ग्रंथ सांपड-ल्यात आनी अजून मेळटले म्हणून आस्त निर्माण जाल्या. तांतलें बरोवप कोंकणी भायर पुर्तुगेज आनीं लॅटीन भासांनींय जालां आनी ताचेर खूब सोद-लावपी वावर करचो पडटलो.

6985

७. कोंकणीचो दैंवती वाट

पुण, हे म्हान तेंगशेर पावल्या उपरांत, कोंकणी भाशेक आनी सरस्पतीक वायट दिस येवंक लागले. मिशनरी पाद्रींचो धर्मीक खत-खतो व्हांवतेर आयिल्लो. तांतले वावराडे, मन-लावन काम करपी जाणकार, चड-शे जेझुयीत पाद्री जशे अिनाजियु आर्कामोनी आनी उपरांत येवपी छेकोस्लोवाक पाद्री कारेल प्रिक्रिल अजून कोंकणी-च्या मळचांत वावरीत आसले. पुण चड करून, बदलून गेल्ल्या फुड-ल्या पिळगेच्या फ्रांसीस्कान पाद्रींच्या दबावा-खाल कोंकणीक भोवूच पिडापीड भोगची पडली. उगडास आसतलो कि ह्याच धर्म-संघाच्या पाद्रींनी कोंकणींतलीं पयलीं वयलीं मोलादीक साअित्य-रत्नां रचून हाडिल्लीं. पुण उपरांतच्या काळार सरकारान तशें अिगर्जेच्या अधि-काऱ्यांनी कोंकणी आड हुकूम काडपाक कडकडीत निर्णय घेतिल्लो.

१६८३ वर्सा गोंयच्या शाराचेर मराठ्यांची घुरी पडपाक आयिल्ली तेन्ना पसून कोंकणी सरस्पतीचेर मारेकार दिस आयले.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

अिकिजिसांवान सुरू केल्लें पाडें काम ह्या अितिहासीक म्हत्वाचे घड-णुकेच्या कारणाक लागून तडीक पावलें. तेन्नाचे गोंयचे विसरै (राजपाल) कोंद द आल्वोर सांत फ्रांसीश्क शावेरा लागीं प्रार्थना करूंक गेले कि गोंय दुस्मानाच्या चपक्यांत पडपाचें आसलेंतें विघ्न कशाय भशेन पयस करचें. तेन्ना खंय मोगलां कडल्यान संभाजींच्या राज्याचेर पुण्यांत घुरी पडिल्ल्यान मराठा फौजी गोंयच्यान उठून परत्यो गेल्यो. सगळयांक सू जालें खरें. मोठ्या संकेश्टांतले वाटावले.

पुण तेन्नाच्यान विसरैच्या मनांत आपल्या राजवटकेंतल्या गोंय-कारां विशीं दुबाव निर्माण जाले. ह्या वेळार तांच्या ताब्यांत आशि-ल्ल्या गोंयच्या भागांतलो चड-सो लोक क्रिस्तांव जाल्लो आसलो आनी देखून, तांच्या हिस्पान, ते पुर्तुंगेज-धारजीणें जांवक जाय आसले. ते तशे जाले नांत म्हणपाचें तांच्या ध्यानांत आयिल्ल्यान ताणी १६८४-आंत अेक कडकडीत फर्मण काडलें, जाका कोंकणीचें ‘ मर्णाचें फर्मण ’ म्हणपांत आयलां. गोंयकार क्रिस्तांवांक आपल्या हिन्दू आनी हेर धर्मांच्या भावां-भयणां, सोयऱ्यां-धायऱ्यां कडल्यान कुशीन काडपाचो, आनी तांकां सामके पुर्तुगेज करपाचो, ह्या फर्म-णाचो हेत आसलो. कोंकणी उलयल्यार, जाल्ल्या भुरग्यांक बौतीज्म मेळचो ना, लग्नां करूंक जांवचीं नांत, पाद्री जावपाक शकचे नांत, जाता तितले बेगीन आनी अेक-दोन वर्सां मुदती भितर ताणीं पुर्तु-गेज आपणावची, अशें तें फर्मायतालें.

तरीय आसतना, ह्या कडक फर्मणाक कोणें पाळो दिलो ना. पुण लोक भियेवन कांपरेल्ले आनी अशें आसून शिकिल्ले-सवलेल्ले वयले वर्ग ल्हवू ल्हवू पुर्तुगेजीकडेन वळूंक लागले. जेन्ना १६८७ वर्स आयलें आनी कोंकणी अजून मेली ना पुण परती जाल्यार ती रस-रसताली म्हणपाचें जेन्ना राजकर्त्यांनी पळेलें तेन्ना ते हुकुम ताणी परते अेक फावट लोकाक नेटान कळीत केले आनी ते मोडल्यार

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
फर्मायल्ली ख्यास्त परतीय तांच्या मुखार सांगून दिली. अिकिजीसांवान १७३१-आंत हुकुम काडून सांगलें कि कोंकणी क्रिस्तांवांनी आपली नीजाची भास रोखडचा-रोखडी सोडून दिवची आनी पुर्तुगेज आपली करची. १७३९-आंत लिज्बोआक सावन पुर्तुगेज सरकाराचो हुकुम आयलो कि विसरैआन आदीं काडिल्लें फर्मण पाळुन घेवपा खातीर फावो ते कडकडीत उपाय घेवचे. पुण कांयच सांगपा सारकें घडलें ना. १७४५-आंत गोंयच्या आर्सेभीस्म-सायबांनीं हुकुम काडून तेंच सांगलें, पुण भोव थोडयांनी तांचें काना-मनार घेतलें.

पुर्तुगालचे प्रधान-मंत्री म्हणून जेन्ना मार्केज द पोंबाल आयले तेन्ना (१७४९), कोंकणीची दशा उजळ्ळी कशी दिसली. कित्याक ताणी गोंयच्या आर्सेभीस्मांक रोखडोच हुकुम काडलो कि गोंयांत आशिल्ल्या सगळ्या पाद्रींनी कोंकणी बेस बरी जाणां जावंक जाय, ना जाल्यार तांकां तांच्या हुद्द्यांवेले काडून उडोवचे. पुण आतां पाद्रींनी हो हुकुम पाळ्ळो ना. पोंबालांक प्रधान-मंत्री-पदा-वेले १७७७-आंत निखळायल्या उपरांत परते १७७८-आंत हुकुम काड्न गोंयच्या आर्सेभीस्मांनी फर्मायलें कि धर्माची शिकोवण भुरग्यांक दितना, ती फकत पुर्तुगेजींतल्यान दिवची आनी कोणाय पाद्रीक कुमसार दुभाश्याच्या आदारान लेगित करूंक जाय जाल्यार, ते खातीर आपणाली परवानगी मेळटली. हांगा नोंद करूंक जाय कि कुमसार म्हळचार अेक गुठाची गजाल जी कशीच भायर फोडूंक जायना वा तीसऱ्या मनशाच्या कानार पडूंक फावो ना.

तांच्या उपरांत आयिल्ल्या भीस्मांनी अशेच हुकुम परते परते काडले; आनी कोंकणी भुरग्यांनी साळांनी आपली भास उलोवची न्हय म्हणपाची कडक सांगणी केली. हेहुकुम सेमीनारींनी लेगित, जंय पाद्री जावपाक कोंकणी तरनाटे शिकताले, लागु केल्ले. १८३१ वर्सा, जेंन्ना गोंयच्या जेन्ना पुर्तुगेज सरकारान

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पयल्यों अधिकृत साळो उगडल्यो, तेन्ना तांतलीं कोंकणीक बळयांच भायर दवर्ली. उपरांतच्या दशकांत गोंयच्या कांय ऊंचल्या शिक्षणीक संस्थांनी तामिळ, हिन्दोस्तानी, मराठी, कन्नडा सारकेल्या भारतीय भासां खातीर अध्यासनां थापलीं, तेन्ना तांतलीय कोंकणीक सरकारान जाणा जावन आपल्या-भायरी केली. अितली मारेकर पिडापीड कोंकणीक आपलेच हक्काचे, धनीपणाचे भूंयेर, आपल्याच राजकर्त्यां कडल्यान सोंसचीं पडल्या. आपल्याच खाश्या पुतां-धुवांनीं लज-भीड नासतना तिका फाट केलीं.

ह्या दबावां खाल आनी धुमाळचांचो मार खावन कोंकणी सरस्पतीचें प्रमाण रुप जें मिशनरी पाद्रींनी जतनायेन केळयल्लें आनी राखून दवरिल्लें तें दुर्दैवान कोंसळ्ळें. दुसरे वटेन, कोंकणी लोंक आपली सांटली-पोटली घेवन गोंय सोडून उत्तरेच्या आनी चड करून दखिणेच्या भागांत पळून गेल्लो आनी थंयच आपली वस्ती करून राविल्लो. वेतात त्या त्या गांवांनी तांचे मूळ भाशेचेर आनी ताणीं रचिल्ले सरस्पतीचेर भोंवतणच्या समाजाचो आनी भासां-सरस्पतीचो प्रभाव पडलो. साबार-जाग्यांचेर शिंपडून गेल्ल्या लोकां मदीं अेकामेकाकडेन संपर्क ना जाल्ल्यान, अेका अेकाची भाशेची मोड वेगळी वळूंक लागली. अशें आसून, मूळ साश्टी आनी बारदेशी मोडी जंय मिशनरी काळार अेकामेकाक सामक्यो लागीं आशिल्ल्यो, जशें तेन्नाच्या दों तरेच्या शब्दकोशां-वेल्यान कळटा, थंय आतां मंगळूरी, केरळी, कारवारी बोलयो उब्यो जाल्यो. तशेंच अंत्रुजी मोडींत पयलेच फावट, हेरां उपरांत, साअित्य निर्माण जांवक लागलें.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

८. साश्टी मोडीचेर नियाळ

ह्या संकटाच्या काळार कोंकणी भाशेन पदां रचपा गावपांत आसरो घेतलो. तें गीत सुरवातेक धर्मीक सरूपाचें आसलें, जांतूंत लोकाक आनी तांचे भाशेक भोगतले वळवळे सर्गाच्या नखेत्रां, सैबाचे सोबितायेचेर नियाळून उगतावपाचो प्रयत्न करतालें. क्रिस्ती धर्माचो प्रसार जावन, नव्या बांदून हाडिल्ल्या अिगर्जांनी गावपा खातीर कोंकणी भजन-गीतांची गरज भाशिल्ल्यान, गोंयच्या कवी-रचनाकारांनी अस्तम्ते-संगीता कडेन अेक नवो संभोग जोडून हाडलो. लॅटीन रीतीचें वो साबार-आवाजांचें अिटालयन संगीत तेन्ना गोंयच्या अिगर्जे साळांनीं शिकोवपाक लागिल्ले; तें संगीत मूळ कोंकणी लोक-संगीतांत भरशिलें आनी हे तरेन कोंकणींत नवीं घणघणीत भजन-गीतां रचून आयलीं. ह्या गीतांच्या रचपांत मोटो वांटो ह्या बरोवप्यांचो आसा : पाद्री ज्योकी मिरांदा, जाणीं मंगळुरांत मिशनरीचें काम करतना, जेथसेमानि बागेंत सोंशिल्ल्या जेझुच्या कश्ट-दगदगांवयर "रीगलो जेझू मळचांत" ह्या माथाळचा-खाल लांबदीक काव्य बरयलें. तें कोरेजमाच्या (प्राचित्ताचे चाळीस दिस) काळार गोंयांत आनी मंगळुरांत हालिंच्या तेंपार लेगित लोकां मदीं म्हणपाची चाल आसली. तांतलो अेक नमुनो पळेंवन घेंवया :

(भागेवंत रूजारिचे मिस्तेर—दुकाचे मिस्तेर—हांतलो)

१ रिगलो जेझू मोळचांत
ध्यान वोरेसावांत,
करूंच्याक पुरतें उदारण
आदावान केलेलें रीण,
त्या मोळचांत,
भूमी वैंकुटांत.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२ आदी पुरूसा सर आतां मुकारी
घेवन तुजी ससत वेरी,
आकांत कोळाहळ करी
दिवन दृष्टी रूकारी,
त्या फोळारी,
भूमी वैंकुटांरी.

३ रिगोन आतां ह्या मोळा माजारी
चींत, जपे, मोळचारी
आनी जर उबगोण दिसल्यारी
घे तुज्या मस्तकारी
रगताच्यो झरी
काळजा सर्वंय भांगारी.

४ मोळचांतलो तारक उटोन
दिली शिसांक शिकोण,
एचिरकायेन चलाती म्हणोन,
ध्यान वोरेसांव करोन,
जागरूत रावोन,
जतनेन ताळणेवीण.

५ तीन वेळीं शिंपलो दुखांनी
तो मोळो दोळयांनी
निश्ठुराय मनशांची देकोनी
धाम रगताचो व्हांवोनी
मोवाळौनी
रगताच्या थेंब्यांनी.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हें पळेयात दुसरें भजन–गीत कोरेस्मांत गावपाचें :–

१ पापया रे, निर्भाग्या,
तूं पाप ना सांडशी !
सासणाच्या सासणाक पापया,
यमकोंडांत पावशी !

२ धन आनी ग्रेस्तकाय पापया,
हांगाच दवरशी
तुज्यो करण्यो घेवून, पापया,
झडटेक रे वेशी

३ हांगा पाप तूज धांपोलां,
थंय तें उगतें जायत
देवागेलो स्त्राप पापया,
तुजेर रे पडत

४ सैतान न्हय रे, पापया,
दुस्मान रे तुजो,
यमकोंडांत जाशी पापया,
गुलाम रे ताजो

५ देवान रचिला तुकां पापया
सर्गाच्या सुखाक,
कित्याक तू वेताय पापया
सासणाच्या दुखाक ?

६ पाप भोगसुंच्याक रे, पापया,
उपाय रे सोंपो
अंतस्करणा-दुख पापया,
आन' निचेव खरो

७ कुमसाराक वचूं पापया,
लज धयी नाका :
सोमी जेझू क्रिस्त पापया,
रावता रे तुका

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

८ देवाचो रे पूत पापया,
मनीसू जालो;
सर्गार थावन तुका पापया,
सोडोंवक रे आयलो

९ देव सोंसरांत आयलो, पापया,
कश्ट रे सोंसून;
खुर्सार प्राण दिलो, पापया,
आमचे रे पासून (पासत)

१० कितलींय जांव पातकां, पापया,
कांयच भियेनाका :
काकुळटीची माय, पापया,
रावता रे तुका...

हीं आसात तीं भोव लौकीक 'सां फ्रांसीश्कु शावेरा'-चेर भजन–गीतांचीं पयलीं कडवीं, जीं पाद्री पास्कुआल दीयश् हांणी घडयल्लीं :

"सां फ्रांसीश्कू शावेरा,
तुजी कुडी गोंयां शारा;
जेझुच्या सांगाता,
सदांच तुजी नीती वर्तता"

"सां फ्रांसीश्कू शावेरा,
व्हडा कुंवरा,
रात दीस आमच्या मोगान
लासतल्या

बेंसांव घाल, सायबा,
देसार गोंयच्या,
सांबाळून समेस्तांक
गोपांत तुज्या"...

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हीं सगळीं भजन-गीतां साश्टी मोडींत आसलीं, जी मोड नीजाच्या संगीता लयेन थपथपिल्ली आसा. भजनां रचपाचो काळ १८४०-आंतल्या दशकांत सामको भरभराटीर पाविल्लो. ताच्या उपरांत गोंयकारांचें ध्यान समाजीक नाचा कडेन वळ्ळें, जो त्या सुमाराक गोंयांत पुर्तुगेजांनी हाडून सोडिल्लो. ह्या नाचाचो ताल आनी आथवे तरेची नवलाय, अस्तमते संगीताचेर चलयल्ली पांयांची कसरत तांकां नवी दिशा दिवंक लागली. ताचो प्रभाव भजन-गीतांचेरूय पडूंक लागलो. आनी ह्याका लागून, नवे मोदिचें संगीत तयार जावंक लागलें. लग्नां-कार्यांत, कोंकणींतल्या आदल्या नीजाच्या 'ओवी' श्लोकांचेर आदारून गींतां रचून येवंक लागलीं. समाजीक मेळाव्यांत उपकारावपा खातीर असल्या पदांची चड करून गरज पडटाली आनी ती पुरी करपाक नवे नवे प्रयोग जावंक लागले आनी नवीं ओडलायणी पदां रचून येवंक लागलीं.

त्या भायर १८२२ वर्सा सावन गोंयांत वेंचणुको जावंक लागिल्ल्यो. लोक राजकी मळार जागृत जावन आयिल्लो. आपणांचेर राज्य करतल्यांचेर गीतांच्या रुपान बडियो मारपाक फुडें सरिल्लो. तांका नाचपा खातीरूय पदां जाय आशिल्लीं. ते सगळे मागणेक अणसरून नवीं रसरशीत पदां निर्माण जालीं. तांतलो सगळ्यांत उत्तम प्रकार जो ह्या प्रयत्नां वरवीं तयार जावंक लागलो तो म्हळ्चार 'मांडो,' हें अप्रूप पद, मोगान आनी खंतीं-दुखान थपथपिल्ली काळीज-तोडून उडोवपाची संगीत-काणी. तेन्नाच्या उचांबळ जाल्ल्या राजकी वातावरणांतल्यानूय राजकी स्वरूपाचो पयलो-वयलो अेक मांडो म्हळचार तो फामाद 'लूयीजीन्या' (१८५४) जांतूंत भोव तोलादीक दुखाचे उल्लास पर्गट जाल्यात, वेंचणुकां वेळार जाल्ले अेके मारेकार घडणुकेचेर आदारून. तांतलो अेक नमुनो पळेंवया :

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१ "लुयीजीञ्ना, म्हज्या लुयीजीञ्ना,
लुयीजीञ्ना, म्हज्या मोगाच्या,
मेरशे कालाफुरा सावन दिवाडे वेतां,
रडूं नाका . . .

लुयीजीञ्ना : ध्रुपद
वाटेच्यां वाटसुरानीं,
जाणार नेणारांनीं
म्हज्या ज्योकींचीं खबर आसा जाल्यारी,
सांगाय तुमीं.

२ दिवाडेंचे मुं ते तारीक,
पोंगेन्याचे घायल्या वोले,
तुज्या पतीचे फोडल्याय पोले, लुयीजीञ्ना,
रडूं नाका . . . ।।ध्रृ।।

३ दिवाडेच्या मुं त्या दोंगरार,
जायते आसात कांटे,
तुज्या ज्योकींचे केल्याय वांटे, लुयीजीञ्ना
रडूं नाका . . . ।।ध्रृ।।

४ दिवाडेच्या मुं त्या दोंगरार,
जायतें आसा कास्सु,* *शिकार
तुज्या पतीचें केलां मासु, लुयीजीञ्ना
रडूं नाका . . . ।।ध्रृ।।

५ दिवाडेच्या मुं ते तारीर,
पांडू गाबत्याचें व्हडें,
तुज्या पतीचें मडें हाडलां, लुयीजीञ्ना
रडूं नाका . . . ।।ध्रृ।।

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

दिवाडे गांवांत १८५४-आंत जाल्ल्या वेंचणुकांनी ज्योकीं गारसेज, ह्या पुर्तुगेज फौजी अधिकाऱ्याक, ताची मस्ती जिरोवपाक लोकांनी रागाच्या किंवाटच्यान जीवेशीं मारून उडयल्लो, ह्या फाट-भूंयेचेर आदारून लोक-कवीन घडयल्लो हो 'मांडो' जावन आसा.

सगळच्यांत आदले 'मांडे' घडोवपी म्हळ्यार खंय कुडतरी गांवचे लिगोरियो द कोश्ता (१८२१-१९१९) आनी दवर्ली-नावेलींचे कार्लुश त्रिदाद दियश (१८५४-९०) हे आशिल्ले. पुण तांचे बरोबर आनी उपरांत जायत्या बरोवप्यांनी हो प्रकार हाताळपाचे प्रयत्न केले आनी अशे जायते मांडे तयार जाले. तरीय मागीरच्या काळार आर्नाल्द द मिनेजिश (१८६३-१९१७,) जिझेलीन रेबेलु (१८७५-१९३१) आनी तोर्कात द फिगेरेदु (१८७६-१९४८), ह्या व्हड कवी-रचनाकारांनी 'मांडो' काव्य सामकें फुलोवन तेंगशेर पावयलें. तांचे कितलेशेच उंचा पांवडयाचे मांडे आसात. तांतले सगळच्यां परस अस्कलीत बरोवपी म्हळ्यार आर्नाल्द. तांची लांब-रूंद आयस-पयस पावतली नदर आनी विपूल उतरां-भांडारांतल्यान केल्ली उचारणी तांच्या काव्यांतल्यान उठून दिसता. जिझेलीन खोलायेचो थाव सोदतात आनी आपले काव्य-रचनेंत भोव म्होवाळ आनीं हळव्या काळजाचे म्हणपाचे दाखयतात. तोर्कात जायते फावटीं तांचे भितरले सगळच्यांत श्रेश्ट अशे दिसतात.

हो आसा आर्नाल्दांचो अेक 'मांडो' :–

सुरोपायेच्या म्हज्या आंज्या

१ सुरोपायेच' म्हुज्या आंज्या,
कितें कोन विसरूं हांव तुका,
काळीजा ' फार तूं मारी नाका,
पिशी जांवनु तूं भोंवुनाका.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२ कसलोच गुन्यांव तूं करीनाका
आंवडेतां, वितटेतां हांवूं तुका,
बास्कळी जाप तूं दिवूं नाका,
म्हुजी बिरमत तूं घेवूं नाका.

३ दर्या' - ल्हाराच' म्हुण त्या वेळा
हांव लव्दल्लों मुं गो तुका,
बावलोलें फुल तूं जायनाका,
शिपण्यान जीवें करतलों तुका.

४ दिश्पिदिराच* आमच्या वेळा, निरोप
बालो फुंबलो म्हज्या काळजा,'
वाटु दिश्टी पडली ना म्हाका,
उतरीक्यांनी राबोतां तुका.

धृपद : यो रे यो आंज्या म्हुज्या,
गोपांतूं घेतां अी हांव तुका...

ही आसा जिझेलीन रेबेलांच्यां मांडयांतली अेक पत :

नितळ निर्मळ सारकें आंजाचें

१ नितळ निर्मळ सारकें आंजाचें * * देवदूत
देवान म्हाका दिलें,
अेक अिश्त्रेल ओरियेंतीचें * * उदेंतीचें नखेत्र
म्हुज्या गोपा' फांकारोलें

२ उल्लास हांवु घालतां काळजाचो,
उगडास करुनु तुजो,
हो उजवाड फारोलाचो * * फोलेर
उतरीक्यांनी रे विंचिलो. (Light house)

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

३ आसतोना तुजो मोगाचो पती,
कसली तुका भिरांती,
भियेवन करी नाका म्हाका फाटी,
पिशी जातोली म्हूजी मती.

धृपद :– उतर मोगाचें
अंतस्करणांत सांबाळुंचें.

आनी हो आसा काळीज-फोडून उडोंवपी तोर्कात फिगेरेदींचो मांडो. जेन्ना कोण आपल्या मोग्याचो वा घरच्यांचो निरोप घेता तेन्नाच्या वेळार गायिल्लो हो भोव दुखेस्त मांडो :

आदेवस करचो वेळू पावता

१ आदेवस करचो वेळू पावता,
आय म्हुजें काळीजु फापसोता,
दिश्पीदीरू करच्या वेळार,
हो संवसार भंगू म्हाका दिसोता. । धृ ।

२ फोर्सान आदेवस तुका करतां,
फुगार जावन दुकांनीं हांव रडटां,
जायते मारतीरी रे भोगितां,
आंकवारपण तुकाच रे भेटयतां. धृ ।

३ सगळचां ' आमिगां ' सांडुनूं,
वता तूं फुर्तुनू सोदूंको,
तुजी फेलिसिदाद* चोंवच्याको
उत्रीक्यांनीं राबोत ' मुं रे हांवुं ।।धृ।।

* सूख

ध्रुपद : वसू वस रे, रडूं नाका,
देवू फेलीज करतलो ' तुका.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

ह्या कवी-रचनाकारां भायर चड करून साश्टींतल्या कुडतरी, राय, मडगांव, लोटली, ओळ्ळी, नावेली आनी कर्मणें, ह्या गांवांनी 'मांडो' घडोवपी साबार जाण जावन गेले. तांचे मांडे ह्या मर्यादीत विशय-आकाराच्या बरोवपांत बसचे नांत.

साश्टी मोडींत गद्य रूपान व्हडलें-शें साहित्य तयार जालें ना. जालें तें भोव थोडें आनी धर्मीक रूपकाराचें. तांतले मुखेल बरोवपी म्हळचार कर्मणेचे पाद्री पास्कुआल दीयश्. पुण तांतूंत अेक मोटी वायट गजाल भितर सल्ली. ती म्हळचार कोंकणीची नीजाची वाक्य-बांदावळ तांतूंत भंगली. पुर्तुगेजीच्या दबावा खाल, कोंकणीची बांदावळ ते आमचे-भायरे आनी आमचे परस वेगळे भाशेचे धरतीचेर बसयली आनी तीच दोशी पद्धत चड-श्या गोंयकार क्रिस्तांव समाजाचे भाशेंत भल्ली ती आतां सुदारून येता. पुण तरी आसतना दीयसांच्या बरोवपांतल्यान खोलायेन भावनांचो लोट व्हांवता आनी तांची कल्पना-शक्ती घसघशीत दिसून येता.

त्या भायर हे मोडींत व्याकरणाच्या क्षेत्रांत बरोच वावर जालो. तांतले मुखेल-अशे व्याकरणकार म्हळचार मिगेल फिलीप द क्वाद्रूश, डॉ. फ्रांसीश्क लुयीज गोमिश्, बे. स. पाशेक, जु. मा. दियश्, आनी फ्रां. शा. आराऊज. साश्टी मोडींतले गद्याचे उणायेक लागून, बारदेशी मोडीन ह्या क्षेत्रांत आपली घुडी उबाल्ली आनी गोंयच्या सगळचा-श्या क्रिस्तांवांची बरोवपाची अेकरूप शैली अशी आपुण उतरली. नवल-काणी, नाटक-तियात्र आनी वर्तमानपत्रांच्या मळांर बारदेशीन आपलें वजन चड प्रमाणान बसयलें.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

९. कोडियाळी वा कारवारी मोड वा शैली

जरी गोंयांत क्रिस्ती धर्मीक साहित्यांत तीस-चाळीशेक तरी तोला-मोलाचे ग्रंथ तयार जाले म्हणूंयेत, तरी साधारण-श्या त्याच काळार कर्नाटकांत वचून थंय स्थायिक जाल्ल्या गोंयकार वसणुकांनी हिन्दू धर्मीक 'संत साहित्य' फुलून आयिल्लें. हे लोक गोंयच्या कुठ्ठाळ आनी लागसारच्या साश्टींतल्या गांवांतल्यान थंय गेल्ले आसले. तांच्यो वसणुको चड करून कारवार, मंगळूर (जाका कोडियाळूय म्हणटात) आनी भोंवतणच्या शारांनी आशिल्ल्यो. देखून ताणीं बरयल्ले कोंकणी मोडीक कोडियाळी वा कारवारी म्हणपांत आयली. हें हिन्दू कोंकणी संत साहित्य चड करून अिक्केरी कुंवरांच्या राजस्रेया खाला फुलाराक पावलें. तांतले सगळचांत उर्बेवंत राजकुंवर म्हळचार बसप्पा नायक, जाणी १६९६ तें १७१४ वर्सा अिक्केरी, ह्या दखिण कर्नाटकांतल्या दर्यादिगे वेल्या भागांत आपणालें थाटा-माटान राज्य केलें.

त्या काव्याचो सगळचांत उत्तम फुलार गुढार्थ-अश्या भक्ती काव्य-पदांनी जाल्लो आनी तो म्हळचार दोन बायलांच्या शुभ हातांतल्यान, त्या संत कवियत्रींच्या रचणुकांनी. त्यो सतराव्या शेंकडचांतल्यो संत आवडीबाय उर्फ लक्षमीबाय नाडकर्णी आनी संत जोगव्वा वा जोगनानी, पयली बेदनूरची आनी दुसरी हेम्माडीची. त्याच शेंकडचाच्या निमाण्या-श्या वांटचांत संत समर्थ अपय्या नाडघर, ह्या कवींनी भक्ती, ज्ञान आनी वैराग्य, ह्या खाशेल्या क्षेत्रांनी आपलें उत्तम भावकाव्य रचून आनी गांवन दाखोवन बैलूर मठांत येतल्या भावीक लोकांक सामके दिपकावन आनी मंत्रावन धल्ले.

अेकोणिसवो शेंकडो उदेता म्हळचार अंत्रावल्लीचे संत नायकस्वामी कवी फुडें आयले. ताणी 'शीवगीत' आनी हेर विशयांचेर काव्य

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

रचलें आनी 'जुलावे' नांवांचीं भजन-गीतां घडयलीं. हे पंगिंततले आनीक अेक म्हत्वाचे 'भक्ती' कवी म्हळचार राघवदास. उपरांत ह्या अेकोणिसव्या आनी वीसव्या शेंकडयांनी कर्नाटकांतल्या हिन्दू मदीं कोंकणी काव्याक सुमाराभायलो भार आयलो. संत सहाजानंदांनी श्री. कृष्णा विशीं ओडलायणीं गोड गीतां रचलीं. संत शीवरामाश्रमस्वामींनी बांदावळीची साध्या-सोंप्या वेदांती कविता घडयली. पंडित मंगेश तेलंगांनी (१८५९-१९४९) 'भगवद गीता' श्लोकांनी बरीवपाचो सुफळ येत्न केलो. तेच भशेन बा. न. प्रभूंनी (१८७२-१९१८) आनी बो. कृ. प्रभूंनी 'गीता' काव्यान बरयलें. तेंच काम, बि. वि. बाल्लिगांनी (१९१८-) 'पंचकादयी' ह्या नेमाळयाच्या संपादप्यानी, समश्लोकी रीतीन १९८१ केलां. त्या नेमाळयांत कोंकणी कवितेक, भोव करून धर्मीक स्वरूपाचे कवितेक आगळी सुवात आसता. बो. कृ. प्रभूनी त्या भायर साबार 'भक्ती कविता' बरयल्यात.

सुरकुंद अण्णाजी राव, हाणी आपल्या काव्य-नाटकांत कोंकणी उपकारायली आनी तांतूंत बेस बरें येस मेळयलें. ताणी कोंकणींत 'यक्षगाण', हो कर्नाटकांतल्या लोक-नाटयाचो प्रकार बसोवन घेतलो. श्रीनिवास प्रभूनी 'शोभने' नांवांचीं लग्ना वेळार म्हणपाचीं पदां रचलीं जीं थंयच्या भागांत भोव लोकां-मोगाळ जाल्लीं. मं. गोविंद पै, कर्नाटकाचे राज-कवी, कन्नड सरस्पतींतलें अेक रत्न, आपले आवय-भाशे कोंकणी कडेन वळून केन्ना केन्नाय 'सारस्वत,' ह्या आपल्या समुदायाच्या नेमाळयांत कोंकणींत बरयताले. ताणी रविंद्रनाथ ठाकुरांच्या 'गितांजलीं'-तले कांय भाग कोंकणींत उतरावन उजवाडायल्यात. विनोदी बरोवपी आनी अेका वेळार खासदार दिनकर देसाय (१९०९-) हाणीय कन्नड शिवाय कोंकणींतूय जायत्या नेमाळयां खातीर बरयलां. तांचीं 'दिनकरालीं कवना' हें

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुस्तक जें कन्नड लिपयेंत पयलें १९८१ वर्सा उजवाडाक आयिल्लें तें हालीं नागरींत आयलां. तांतूत सुन्दर कविता आसात. अुमानाथ-राव डोंगरकेरी (१८९८-१९६७) हाणी 'वज्रकुटकम' हें भोव गाजिल्लें नाटक १९१४-आंत बरोवन मुंबयंत त्याच वर्सा बसयलें. तशेंच मुरलीधर हट्टय-त्नगडी, पि. ये. मुडूर हांणीय बरीं बरीं नाटकां बरोवन माचयेर हाडलीं. त्या भायर कल्याणपूर भट, मित्राबाय कबाड, व्यंकटराव तळगेरी, रा. दा. कामत, हाणीं नाटकां बरोवन लोकां मुखार दाखयल्यांत; तांची पुस्तक रुपान प्रसिद्धी जाल्ली आसत जाल्यार तीं आमच्या हाताक अजून सांपडलीं नांत.

वयर अुल्लेखिल्ल्यां नाटककारां भायर कुंबळे न. नायक, हांणीय आपलें 'सावित्री-नाटक' १९१२-त बरोवन माचयेर हाडलें. तांच्या वांगडच्यांनी बो. कृ. प्रभूंनी, जांचो अुल्लेख वयर आयला, आनी हेरांनी मंगळुरांत जेझुयीत पाद्रींच्या हाता खाल शिक्षण घेतलें आनी कोंकणी बरोवपाक स्फूर्त घेतली आनी ताणी 'चंद्रहास नाटक' (१९१२)आनी 'प्रल्हाद-चरित्र' (१९१३) बरयलीं. तीं धर्मीक स्वरूपाची आनी देव-देवतांच्या संवसाराचेर आदारिल्लीं पुण भोवूच प्रभावी जाल्लीं नाटकां म्हणूंक जाय. अेक पाटांगडे नाटककार जे अजून आमच्यांत आसात ते म्हळचार अय्यगळ देवरायु बेंदूर (१९१०–). ताणी हेरां फुडारिल्ल्यां भासांतल्या साहित्याचो पालव घेवन अ।पणें येवजिल्लीं घरावीशीं पात्रां घडोवन, साबार तोला-मोलाची नाटकां बरयल्यांत, जशीं : 'प्रीतीखातीर' (१९४६) 'पार्वती कवड काडी' (१९८३), 'कौरवांलो कृष्णु अथवा सत्यव्रृत कर्णु' (१९८७) 'दुडवां ध्यासू', 'सुख-संवसार', 'अप्पुलें अर्थवन', 'अुंबगणी अुद्योगु' आनी काणयां घोंस जशे 'कथाकुंज' आदी.

गद्यांत नारायण-तीर्थांनी तो प्रसिद्ध ग्रंथ 'मना-अिंद्रियांलें चरित्र' आनी हेर वावर कोंकणीत बरयले. ह्या सतराव्या-अठराव्या

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

शेंकड्यांतल्या कारवारी बरोवप्यांनी तांच्या वांगडा आनीकूय बरोवपां केलीं ती अजून हाताक सापडलीं नात. हालिच्या काळार तर हरिशंकर गुलवाडीनी आपलें 'हरिकीर्तन सामर्थ्याचें सामर्थ्य' हें बरोवन अुजवाडायलें तशेंच 'विवेक रानाकरा', ह्या समान माथाळ्या खाल वेंकटराव नरहरी कवी आनी पादुकोण हाणीं अुजवाडायल्लीं साबार कविता झेल्यांचीं पुस्तकां आसात. चित्रापूर मठाच्या स्वामींनी आपले परीं आपणाल्या बरोवपांत कोंकणीं अुपकारावचेले प्रयत्न केल्यात आनी अशी कोंकणी गद्यांत मोलादीक भर घाल्या. आपणाल्या अनुयायांक अुद्देशुन दिवाळीच्या निमतान केल्लीं तांची भाशणां १९५९ वर्सा पुस्तक रूपान अुजवाडाक आयल्यांत. तीं भाशणां आनी हेर बरोवपां चित्रापुरच्या दोगां स्वामींचीं. ते म्हळच्यार पांडुरंगात्रमस्वामी (१९४७-१९१५) आनी आनंदाश्रमस्वामी (१९०२-१९६६).तीं कोंकणी भाशणां स्फूर्तीवंत अध्यात्मीक कोंकणी गद्याचो भोव उजवळ नमुनो जावन आसात. तशेच जयवंत कुळकर्णी सारकेले अेक नाजूक कवी कोंकणींत केन्ना-केन्नाय बरयताले.

आतां ह्या मोडीच्या बरोवपांतले कांय नमुने सकला दिवूंया :

श्री शिवरामाश्रम स्वामी-चें वेदान्ती कवीत पलेयात :

"घोंगो आयलो घोंगो । संवसार नाका भोंगो ।
दोळयां दिसता, हातां मेळना । न्हय म्हुणु कोण सांगो ।।धृ।।

घोंग्या हातांत सुडियो । सोब्बार करता मोडियो ।
बशिल्लेकडचो आपुण हालना । भोंवता गुडियानगुडियो ।।

मुगा अेदें माथें । मळबा अेदें सातें ।
पांय कांय नांत, गांवभर भोंवता । चार्मुर करता जोतें ।।

चोवच्या गेल्यार भोळो । ब्रह्मांड करता गोळो ।
सान परंत आश्चर्य भारी । काजळापक्षीं काळो ।।

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

सांसवा अेदो दोळो । कैंसा सपूर गळो ।
कोटी सूर्य चंद्र मोडोवनू । निडलार केला तिळो ॥
आंगाक नाना रंगू । चोवच्या भारी चांगू ।
चोयतां चोयतां मनांत येता । हाजोच कोरका संगू ॥ "

स्वामीची पदवी बंकनाथपुराधीश श्रीमत्परमहंस आशिल्ली.

दिनकर देसायांचें कवीत पळेयात :

"हांस फुला, मोगरे फुला । म्हगेल्या मोगा-फुल
म्हाका तुगली भूल !
मोगरे-फुला सारकें तुजें । धवें मोव आंग
मोगरें म्हणू नांव तुका । कोणें घालें सांग !
तुवें म्हाका वेंग माल्ली । ना गो तुजी चूक
कित्याक म्हळचार तूंच पळै । हांव आंब्या-रुक ! "

जयवंत कुळकर्णीचें कवीत पळेयात :

" ... अुठात अुठात व्होवळचांनो । भायल्यान जालें फांतें
नखेत्र उबें जालें । व्होंकलबाय आमचें
आऽलिया-लिया-लो । होऽलिया-लिया-लो !"

हें संत सहजानंदांनी रचिल्लें श्रींकृष्णाचें गीत पळेयात :

"फालें जालें, वाटयां वाडलें, यो रे जेवच्याक ।
धार काडली, दूद हाडलें, ताने दिवच्याक ॥धृ॥
अुट रे बाळा, वेळ जालो वांसरां सोडच्याक ।
चर्डू आयलीं चंडू घेवनू पळे खेळच्याक ॥
चंबू भरनू हाडला पळे तोंड धुंवच्याक ।
मिठा-पुडी तयार केली दांत घांसच्याक ॥
पंजि घेवनू तयार जाल्या पांय पुसच्याक ।
कानडी घेवनू आयली शेंडी वळोवच्याक ॥

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

म्हाबळ भट आयला पळे पंचांग सांगच्याक ।
दांतोणी तेल घेवनू आयली शेंडी वळोवच्याक ।।
फूल घेवनू कुब्जा आयली शेंडयेर माळच्याक ।
गंद घेवनू आयली पळे तिळो कोरच्याक ।
व्होड वेळ जालो, यो रे बाळा, अुमा घेवच्याक ।। ''
... ...

हें भगवद् गीतेच्या भाशांतरांतल्यो कांय वळी :

" . . . जे रे जसे भजतात माका तसो तांकां पावतां हांव ।
पार्था पळे सगळे लोक मज्या मार्गांत घेतात धाव ।।
आपल्याक तारच्याक आपुणच, आपल्याक केन्नाय हिणौ नये ।
आपलो बंधु आपुणच, शत्रुय आपुण म्हणये ।।
सूर्य, चंद्र, उजो हांच्या तेजाक प्रकाश जअीं ना ।
जअीं गेल्ले परतुन येनात तें धाम मजें अर्जुना ।।
भक्तिभाव धरन मनांत शरण वच तूं ताका ।
ताजें फळ मोक्ष शांति मेळतली रे ती तूका ।। ''
... ...

– साहित्य संगीतदर्शनाचार्य
वीणाविशारद पंडित मंगेशबाब तेलंग

कारवारी-कोडियाळीं मोडींत, वयर सांगिल्ल्या नेमाळचां भायर, जांतलें 'सारस्वत', हें मंगळुरांत वि. अेस्. कुडवांनी १९२३ आंत सुरु केल्लें आनी कांय काळान बंद पडून १९४२-आंत परतें सुरु केल्लें नेमाळें आसलें, कारवारांतलीं 'नवयूग' (१९४०) 'उजवाड' (१९४७) आनी 'सर्वोदय' आनी कुमठांतलें 'कोंकण किनारा' (१९५०), हीं आसलीं. ताणीं कोंकणी बरोवप्यांक गरजे ताकतिके पुरतें उत्तेजन दिलें.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१०. केरळी कोंकणी शैली

पुण ह्या गोंयां भायर गेल्ल्या गोंयकारां मदलो कोंकणी बरोवपाचो आमच्या हाताक सांपडिल्लो भोव आदलो नमुनो म्हळयार केरळांतल्या कोचीं शारांतलो. पयले वयले गोंयकार केरळांत चौदाव्या शेंकडयांत वेपाराक लागून गेल्ले. उपरांत १५२० पुर्तुगेज जिखे उपरांत आनीं १५६३-आंत गेले. तो १६७८ वर्सांतलो २० आब्रिल तारखेर निशाण केल्लो मुद्रित जाल्ले भारतीय भाशेंतलो पयलो असलो नटारियल गद्यांत बरयल्लो कोंकणींतलो लेख आसा. तो दाखलो केरळच्या तीगां कोंकणी वैद्यांनी कोचींचे डच् सुभेदार हेनरीकुस वान रीड-आंड्रिकि फ्रांड्री, असो ताका पाचाल्ला-हांगेले आज्ञेवेल्यान "Hortus Indicus Malabaricus" (मलबरांतली हिन्दी बागायत) हो ग्रंथ संपादीत करपाक आदार दिल्लो. हाजे विशीं त्या काळाच्या नोटारियल पद्धतीन ताणीं शिफारस-पत्र दिलें तें कोंकणींत आनी नागरी लिपयेंत अशे तरेन बरयल्लें मेळटा :

"स्वस्ति श्री शालिवाहन शक १५९७ राक्षस संवत्सर चैत्र बहुळ १० कोचि राजपाटणीं बैसिके रंगभट तथा विनायक पंडित, आपू भट, तेग वैद्य तानीं कोचिचो कुमदोर आंड्रिकि फांड्रे त्याचा निरोपान ह्या मलबार देशांतु आशिले. औषधमात्र वृक्षवालि झाड खंड ओळखतल्या मनुश्याक मुसारो देवनु ते ते गांवांतु पेट्टवून तिं तिं वोखद आणवून त्यां त्यां झाडांचें फल फूल पान वीज समस्त त्या त्या रुतुकाळावरि संपादून तीं तीं चितारिलीं. त्या उपरांत आमीं आमगेल्या वैद्य ग्रंथाच्या निघुंटा प्रमाणीं त्या त्या औषधाचे गुण वा अनुभवान जो जो गुण आमकां कळेलो तो वा त्या ओखदांचीं नांव पळेवनु आजि दोन वर्ष सकाळी सांजे आमि लागिं रावुनु हो लिव्ह संपादून दिला. तें लटिक म्हणुंच्याक नज अशि म्हण्णु आमि आमंचि निसाणि कर्णु दिली. हें सत्य म्हण्णु मानुचें जाइद म्हण्णु नागर बरपान हें बरवुनु दिलां. निशाणी – श्री. रंग भट्टु, विनायक पंडित, आपुचे ओप . . . "

हो दाखलो नागरींत वयर दिला तेच प्रमाणें आसा. ह्या बरोवप्यांचें आनीक कितेंय बरोवप आसल्यार अजून आमचे नदरेक पडलें ना.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

तरी आसतना, जोन लीडन, ह्या जाणकारांनी खबर दिल्या त्या प्रमाणें, केरळांत तांकां साबार कोंकणी पुस्तकां थंयच्या कोंकणी लोकांनी दाखयल्लीं. तीं खंय त्या लोकांनीं गोंयच्यान थंय व्हेल्लीं जांवये, असो अदमास करतात. तीं पुस्तकां म्हळचार भागवत आनी लींग पुराणांचीं आनी रामायण महाभारत म्हाकाव्यांचीं कोंकणी भाशांतरां; तशेंच मूळ कोंकणींत बरयल्ले ग्रंथ जशे 'वीरभद्र चरित्र' 'पर्सराम चरित्र' आनी कांय स्थानीक अितिहासाचे ग्रंथ आनी देवळांतलीं स्थळ-पुराणां. तांतले तांतूंत ऊग्रीय-बुक्कीर, मलिवाणी-बुक्कीर, असलीं कोंकणी गद्यांतलीं पुस्तकां आसलीं, जांच्यो उल्ल्या जाल्यार प्रती घडये केरळांतल्या देवळांच्या ग्रंथालयांनी मेळू येतात.

अजून त्या राज्यांतल्या कोंकणी लोकां मदीं लोकगीतां, पदां म्हणटात. तीं खंयच्या तरी त्या आदल्या काळा पसून आयल्यांत, अशें थंयचो लोक मानतात. तांच्यांत लोक-कवीची घसघशीत कल्पना-शक्ती दिसून येता. घडये तांचे रचनेचो काळ कर्नाटकांतल्या हिन्दू संत-साहित्याच्या बरोबर जांवये, अशें समजतात.

असल्या पदांचे कांय नमुने पळेंवया :–

'रामायणा' लोकगीतांतलो अेक उतारो

"... वाध्य वाजोवनु मुनी भायर सरलो गा ... 'ण्डो
अयोध्यां एवूनु याग कुण्ड घातलें गा ... "
सात योजन विस्तार कुण्ड घातलें गा ... "
समस्त रूशींक मेळोवन एकु यागु मांडिलो गा ... "
यागांतुले श्रेष्ठ मुनीक काडूंक लागलें गा ... "
कैकयीन वृतान्त मन्दिरीं ऐकिलें गा ... "
त्या वेळेरि कैंकयी राणी धावनु पावली गा ... "
धावनु येवनु तीणें यागु धंदु केलो गा ... "

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

यागांतुले श्रेष्ट मुनीन दोनि पिण्ड माण्डिले गा ... "
आपापुलो भागु दोनीय राणियेक दिल्लो गा ... "
पिर्तमलो पिण्डो कौसल्या रणियेक दिल्लो गा "
तशेंचि पिण्डो तिका कैकयीसीं दिल्लो गा ... "
समस्त रूशीन मेळून रय्याक आशीर्वाद दिल्लो गा ... "
दक्षिणा दिवून रय्यान यागु चालिलो गा ... "

'*सीता सुध्दि*', ह्या पदांतलो अेक उतारो :-

१ "हनुमन्तु गेल्लों सीते सुद्धि - रामचन्द्रान दिल्ली मुदी
समुद्र उलंखन कोर्नु - हनुमन्तु पावलो लंकेरि ॥

२ घेतां सीते सुद्धि-दिकीली मण्दोदरी
पावला अशोक वृक्षारि-बेसूनु चोयता चारि दिकारि ॥

३ रामाल दूतु बेसला रूखारि-यो सामको म्हजे मुखारी-
पांय पोणु रबिल मुखारि स्तुति कर्ता भक्तिरी ॥

४ सीता उलयता दूता लागीं - दिरबांकुरा मुळा मुखारि
तोडोवु इत्तें वोर्का धरारी मुद्रिका दवर्ली सीते हत्तारि ॥

५ रामान इत्तें सांगिल्लें तुल्यागि-चुडारमणी दवर्लि हत्तारि
तोडोवु नात्तिल्लें वचूं धरारी- विवरूं सांगू रामा लगीं ॥

६ लगली अवसू-भूक म्हाका -भुमिरी पळ्ळलें फळ खांवक
मर्कड स्वभावु काडूं नक्का- आयिल्लो विवरू कोळोवं नक्का ॥

७ वनांत बळयिलो दुताक नाशु हळ्ळो वनांक
रावणान बळ्ळैलें सैंन्याक - धोर्नु हाडाय वानराक ॥ "

'*देव भोंवडेक वेता*' ह्यां पदांतल्यो कांय वळी पळेंवया :

" ... गेल्लो आड वटेन बेसलों राजविथीं
पडलों पोरोटां साठीं थंय म्हजो शेल्ला परतल्ला ॥
कुंकुम कस्तूरी देवानु लाविल्ली अंग

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

फुल्लां तुरंबिलीं चांगतीं तुमी कोणाक दिल्लीं ? ।।
समुद्राचे वेळेर सांडिली तेंडु फडी
थंय सुटली म्हजी केसांचि वोली थंय म्हजी फुलां निसरलीं ।।'

'*यशोदी गायक धार काडता*' ह्या पदांतल्यो कांय वळी :

" चोय्यायी- यशोदी एक गायाक धार काडता ।
खोल्लो धोरनु एक चेर्डु रडता ।।

दूध मागूनु पिवच्याक आशा काडता ।
यशोदी गल्लाक उम्म दित्ता ।।

धार काडलेलें दूध उम्म दित्ता ।
तेंवय पीवनु चेरडुं दुसेरी रडता ।।

दूध मागूनु पिवच्याक आशा काडता ।
हांसुचें तोंड चोयल्यार चंद दिसता ।।

पायांक गागरवाळे पायजळां अस्सय ।
कुर्टाक भांगराचें ऐलस अस्स ।।

हाथाक वज्रवळीं कांकणां असा ।
केस बान्दूनु मोरा पाक आसा ।।

हे एक चेर्डांन रेंव खेल्ली ।
अम्मान बान्दून मारून बडी काडली ।।

तोंड विस्कळाव्नु बाव्गून चोयली ।
चोवदायि लोक देखूनु भिति पावली ।।

वन्नाचे गाड्याक बांधून घाल्लो ।
गाडो घेव्नु कृष्णु गरगडें पळो ।।

रूकाथकूनु दोनी पुरुष आयले ।
तांकां कृष्णान सदां मोक्षु दिल्लो ।।

आयकायि हें चेरडुं कोण म्होणु ।
त्रिलोकु नाथु तो बाल कृष्णु ।।

अवतारांन आयला महाविष्णु ।
करायि नमन ताजें मन दीव्नु ।।

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हालिच्या काळार केरळांतल्या कोंकण्यांनी कोंकणी सरस्पतींत थोडो-भोव पुण मोलादीक अशी भर घाल्या. तांतल्या काव्यांत व्हडलें योगदान दिवपी म्हळचार अम्मुला वा अम्मुलक्का शणै (१८५१-१९०२), ही कवियत्री. जी. कमलाम्मल (१९००-), हिणें रामायणाचो 'ओवी' श्लोकांनी कोंकणींत अणकार बरयला आनी 'अक्षयापात्र' नावांचें काव्य घडयलां. आर. सि. शर्मानी संगीतबद्द श्लोकांनी रामायण कोंकणींत रचलां. त्या भायर ना. न. पै, वि. गणेश प्रभू, सि. ना. मल्ल्या, भवानीबाय पदुकोण, नरहरी कवी, वेदवती शणै, नरहरी विठ्ठल प्रभू, हे केरळांतले कोंकणी बरोवपी जावन गेले. भगवद गीतेचे जायते अणकार थंय जाल्ले आसात. उपेंद्र पै, शेषगिरी केशव प्रभू आनी स्वामी प्रभावानन्द, हाणीं गीतेचें कोंकणी अणकार, पुरायेन वा वांटचान, बेस बरे रीतीन केल्यात. पुरुशोत्तम मल्ल्यांनी कांय नाटकां बरयल्यांत आनी लोक-गितां पुंजावन उजवाडायल्यांत आनी कोंकणीचे चळवळींत मोटो आनी सक्रीय फुडाकार घेतला.

११. कोंकणीची मंगळूरी मोड

अिकिजीसांवांचे पिडापिडेक लागून, कांय जाण म्हणटात, गोंयच्यान सगळचांत पयलो असो क्रिस्तांव लोक सोळाव्या शेंकडचांत भायर सरून गेल्लो. हें थोडें-भोव खरें जायत कित्याक आदल्यो हिन्दू समाजीक चाली-रीती पाळटल्या नव-क्रिस्तांवांक अिकिजीसांवा कडल्यान चड ख्यास्त भोगची पडटाली. पुण चड प्रमाणान गोंयच्यान क्रिस्तांव लोक भायर सरून गेलो तो सतराव्या आनी अठराव्या शेंकडचांतल्या गोंयांत जाल्ल्या वायट वा मारेकार घडणुकांक लागून. कांय वेळा गोंयांत वळवळचांची भूक पडली, दुखळ बादलो, पिडेचें वागरें पातळ्ळें आनी मराठचांच्यो घुरयो पडूंक लागल्यो. हो लोक चड करून गोंयच्या बारदेस-च्या भागांतलो, जंय त्या घडणुकांची बादा

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
चड लागिल्ली, आनी ताणीं वेतना आपणाकडेन घोळटली तेन्नाची कोंकणी भास आनी तांतले ग्रंथ व्हेले. तो लोक कर्नाटकांतल्या मंगळूर आनी लागशिल्ल्या हेर शारांनी आनी गांवांनी आसरो मेळटा थंय वचून रावलो. सांगची गरज लागना कि तांचेर भोंवतणच्या कन्नड-तुळू भासो उलयतल्यांचो प्रभाव पडत रावलो. ते ती लिपी शिकले आनी तांतूंत आपलें कोंकणी बरोवप करूंक लागले.

तांकां सुरवातेक खूब त्रास सोंसचे पडले. उपरांत, ब्रिटीश-धारजीणे म्हणपाच्या दुबावान, मैसुरच्या टिपु सुलतानांनी तांकां हजारांनी धरून आपल्या श्रिरंगपटम बंदखणींत घालून दवरिल्ले. तांतल्या जायत्या जाणांक वळवळावन मारले. ह्या बंदिवासांतल्यान सुटून आयिल्ल्यांनी, टिपूक ब्रिटिशांकडल्यान हार पडिल्ल्यान, आपलें दूख कळकळीत बरोत्रपांत वोतलें, जें बरोवप वाचप्याक मोवाळटा आनी चुरचुऱ्यांचीं दुकां गळोंवक लायता, अितलें खतखतीत तें जालां !

ह्या क्रिस्तांव कोंकण्यां मदीं गंभीरतायेन साहित्यीक वावर १८३२, ह्या वर्सा सावन सुरू जालो जेन्ना पाद्री राफायेल पेश्चेती (१७७१-१८४४) हाणी आपलें कोंकणी व्याकरण बरोवन उजवाडाक हाडलें. ह्या पाद्रींक तांच्या कार्मेलीत मठवाश्यांच्या घेतिल्ल्या नांवान फ्रेय फ्रांसीश्क द सांता आना, म्हणून वळखतात. ते मुदलाचे अिटालयन आशिल्ले. तांचे उपरांत, मंगळुरांत १८७८ वर्साच्या निमाण्या दिसा अिटालयन जेझुयीत पाद्रींचो पंगड पावलो. तांतलो अेकलो, पाद्री आंजेलुस माफेय, कोंकणीक सामके लबदले, तिचे सोबिताये वयर आनी तिचे आनी आपले अिटालयन भाशेचे सारकाये विशीं नियाळून ते भोव खोशी जाले आनी आपलें व्याकरण आनी शब्दकोश बरोवन उजवाडावन ताणी कोंकणी साहित्य रचपाक मोटी प्रेरणा दिली. त्या आदीं मंगळुरकार पाद्री पीयु नोरोन्या (१८१०-८३) हाणी थंयचें प्रमाण व्याकरण बरयल्लें.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुण जेझ्रुयीत पाद्री मंगळुरांत पावचे आदीं, बंगालांतल्या सेरांपोरांत आशिल्लो व्हड बेपटिस्त मिशनरी विलयम कॅरीय कोंकणींत अेक व्हडलो वावर संपादन करताले. बैबलांतलीं आपलीं भाशांतरां करचे खातीर ताणी कांय वेंचीक भारतीय भासांची निवड केल्ली आनी तांतली अेक म्हळचार कोंकणी. कर्नाटकांतल्या दोग कोंकणी पंडितांच्या आदारान कोंकणी भाशेंत अेक व्हडलो ग्रंथ ताणी तयार केल्लो, जाका "धर्मालें पुस्तक" वा "देवागेलीं सगळीं उतरां", हें नांव दिल्लें. हांतूंत सगळो नवो करार आनी पोन्न्या करारांतलें अेक पुस्तक, 'पेंटाटेउक', आस्पावतालीं. ह्या ग्रंथांतल्या भाशेची मोड कर्नाटकांतल्या कोंकणी लोकांची आशिल्ली म्हणपाची सांगपाचो गरज दिसना.

हांगा कोंकणींत साहित्यीक वावर व्हड प्रमाणान जांवक लागलो म्हणटात तो मंगळुरांत जेझ्रुयीत पाद्रींचो सैंट अलोयशस कॉलेज आनी तांचोच कोडियालबैल छापखानो थापल्या उप्रांत. ताणीं आपल्या शिकपी भुरग्यांक कोंकणीत साहित्यीक वावर करपाचे दिशेन खतखतीत प्रेरणा दिली. तांच्या शिकप्यां मदीं बो. कृ. प्रभू, हे नाटककार आशिल्ले, जांचो उल्लेख कारवारी-कोडियाळी मोडीच्या भागांत केला; तशेच कांय क्रिस्तांव बरोवपीय आसले, तांचे मदीं आसून कवी लुयीस मास्कारेन्यस.

ह्या वावरांत फुडलें पावल पडलें तें 'कोंकणी दिर्वें' हें नेमाळें १९१२ वर्सांत थापल्या उपरांत . तें सरदार कणपपा आनी लुयीश मास्कारेन्यस, हाणीं सुरु केल्लें. हाका लागून कर्नाटकांतल्या कोंकणी बरोवप्यांक मोटें उत्तेजन मेळ्ळें आनी कोंकणी साहित्य थंयच्या वाठारांत घसघशीत रचून येंवक लागलें आनी तें बऱ्या दर्जाचें आसलें. ताचे भोंवतणी साबार बरोवपी, कवी, कथाकार, कादंबरी-कार तयार जावन आयले. तांतले मुखेल अशे पुस्तकां रचपी बरो-वपी म्हळचार कवी आनी गद्यकार पाद्री लुयीस बोतेल्यु, कवी पाद्री

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

अंथनी डि सौजा, कवी आनी नाटककार चा. फ्रां. डि कोस्टा, कवी आनी काव्य-नाटककार जे. बि. मोरायस, कथाकार आलेक्ष पायस, पेद्रू जुंआंव सौज, ज्यो. सां. आल्वारिस, मार्गारीत कुवेल. हांतल्या निमाण्या बरोवप्यांनी कादंबरीय बरयल्यो. त्या भायर धर्मीक क्षेत्रांत मेन्सिन्योर रैमंड मास्कारेन्यस, मिगेल कुलास, ग्रेगरी कुवेल, बाझील रूजार, लिगोर वाज आनी सिलवेस्टर मिनेझीस, हाणीं विपूल बरोवप करून उजवाडायलें.

मोन्सिन्योर मिनेझीसांचें लांबदीक काव्य 'पाशावांचें गीत' (क्रिस्ताचें यातना गीत) उत्तम आनी दुखेस्त कोंकणी काव्याचो अप्रूप नमुनो म्हणून मानतात. तांचीं आनीकूय अैशीं पुस्तकां, गद्यान आनी काव्यान बरयल्लीं आसात. 'कोंकणी दिर्वें' १९३८ वर्सा बंद पडिल्ल्यान, मों. मिनेझीन आपलें 'राखणो' नांवांचें साताळें काडूंक सुरू केलें. ह्या माध्यमा वरवीं, जशें दिव्र्यान केल्लें, जायत्या नव्या कोंकणी बरोवप्यांक स्फूर्त मेळ्ळी आनी कितलीशींच कोंकणी पुस्तकां उजवाडाक आयलीं. 'राखणो' हें साताळें मंगळूर धर्मप्रांताचो मुखेल ताळो जालो आनी अजून नेटान उजवाडाक येता. निकतोच ताणें आपलो भांगरा-उत्सव घणघणान मनयलो. उपरांत ताचे संपादपी मोन्सिन्योर डॉ. अलेक्षांडर फावस्तीन डि सौजा जाले, मागीर फा. मार्क वाल्डार आनी आतां फा. विन्सेंत वितोर मिनेजीस संपादपी जावन आसात.

हेर वर्तमानपत्रां आनी नेमाळीं, जाणीं कोंकणी साहित्यीक क्षेत्रांत मोलाचें काम केलां आनी अजून करीत आसात तीं कन्नड लीपयेंतलीं : 'मित्र,' 'झेलो,' 'पयणारी,' 'मांय गांव,' 'कोंकणी दायज.' हांतलीं कांय नेमाळीं मुंबयच्यान उजवाडायतात, कित्याक थंय जायतो मंगळुरच्यान गेल्लो कोंकणी लोक काम-धंदचा खातीर वावुरता, पुण चड-शीं हीं नेमाळीं मंगळुरांतल्यानूच भायर सरतात.

कवी लुयीस मास्कारेन्यसां-ची उत्तम साहित्य-कृती म्हळचार

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

'आब्रांवांचें यज्ञदान, ' बैबलाचे अेके म्हत्वाचे घडणुके वयर आदारून घडयल्लें अेक म्हाकाव्या सारकेलें सोबीत आनी बळादीक काव्य-नाटक. तो वावर १९४८ वर्सा उजवाडाक आयलो आनी ताचो प्रभाव थंयच्या कोंकणी लोकाचेर भोव व्यापक आनी खोल रीतीन पडलो. तांच्या स्फूर्तीच्या नाडचार, त्या वेळचे तरनाटे कवी बरोवपाक फुडें सरले आनी ताणींय कोंकणी काव्यांत मोलादीक असो वावर रचलो. वयर दिल्ल्या नांवां-भायर लियो डि सौजा अेक म्हत्वाचे कवी जावन गेले. चा. फ्रां. डि कोस्टांनी नाटकांय बरयल्यांत, जीं म्हत्वाचीं आनी चिंतूक लावपा सारकीं आसात, जशीं 'तरने तरने मोर्नें' आदी.

कनार्टकांतल्या कोंकणी साहित्यांत कादंबरी, ह्या प्रकाराक चड म्हत्व आसा. मुखेल अशे कादंबरीकार म्हळचार ज्यो. सा. आल्वारिस, वि. जे. पि. साल्दान्या, आपोलिनार टि. लोबो, अेवलालिया आल्वारिस, आयरीन पिंटो. फा. सिप्रियान पै आल्बुकेर्कीन कोंकणी लोकवेद अेकटांय करून, ताचेर विवेचन करपांत म्हत्वाचो वावर केला. ताणीं धर्मीक कवितेंत आनी समीक्षेंत उल्लेख करपा सारको वावर केला. हांची चड खबर फुडल्या भागांत येतली.

मंगळूरी बरोवपाचे कांय नमुने देखीक घेंवया :–

लुवीस मास्करेन्हस-च्या '*आब्रांवचे यज्ञदान*'- तलो उतारो :-

" ... म्हा-व्हड झुजाऱ्यांनी पांडवांच्या कालार
केल्ल्यो किर्तीभरीत करन्यो रणा-मळार,
या कांय राय-कुळयेच्यांक आसच्यो खंती, आकांत
सिता-रामान भोगल्या बरी दंडक वनांत,
नासल्यार टिप्पू सुलतानाची निष्ठूर कृत्वां
आमच्या पुर्वजांची देसवाट केल्ली, अथवा
तेन्नाली रामाचे खेळ, हासोवन करूंक फुगार,
असली दाखोण खंयची घालिनांव आज मुखार.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

बगर क्रिस्ता पुर्वी दोन सास्र वरसां पयलें
सृष्टी-पुजेंत आसतां आदांवचें कूळ सगळें
हेब्रेवांच्या गांवांत आब्राम म्हळ्ळो अेकलो
खऱ्या जिव्या देवाक भजन करीत आसल्लो,
भजन करच्या वेळार सोमी दिष्टीक पडता
" तुजो मांयगांव सांड तूं, दुसरो दितां " म्हणटा.
अुतराक पाळो दिवच्याक परगांवाक तो गेलो,
बेसांव पडोन ताचेर विशेस नंदन जालो.... "

मों. सिलवेस्टर मिनेजिस, हांचे कवितेंतलो अेक उतारो :

आवय आपल्या अंतरलेल्या भुरग्याक

" फुलच्या आदीं बावलेंय पुता
बोंग्यार झडोन गेलेंय
माली तुका भुलोवन गेला
वेगींच देखून व्हरोंक आयला,
तशेंय कित्याक सोबलेंय ?

सोम्या म्हज्या, दिलेंय ताबेन
सोबींत सुंदर माणीक
पडलें ताचेर काळीज म्हजें
विसरलीं हांव तें म्हण तुजें
वेगींच मागलीय काणीक.

धर म्हण दिलें हृदय तरी
वेता दिसलें फुटोन
कसलें अकलास ! हा कसले जाळ
सांडून म्हाका गेलें तें बाळ
मोगाचे पास तुटोवन.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

बोंगो अुसोन सोबता आतां
सर्गीं फूल तें आंजाळ
थंयसर पुता अुगडास काड
बरें सर्वंय मागोन धाड
आवयक तुज्ये मोगाळ. ''

फा. पौल लुवीस बोतेल्हो-चे कवितेंतल्यो नमुन्याक कांय वळी पळेयात :

वस्तूर सुकोंवचीं तीं दोरी

'' वस्तूर सुकोंवची हांव दोरी
पावसाक भिजतां वताक सुकतां
अेका माडा थावन अन्येकाक
वोडी-तांडीन हांव अुमकळतां.

कारभार म्हजें चोयतात जाल्यार
अंबळपा दिसा येया आंमगेर
कापडां, पुडवीं, शर्टीं, धागरे
कलसांव, आंगलीं धलतात म्हजेर.

अुदकाची शेळ आसता पर्यंत
जडायेन तीं भर्मिष्ट रावतात
वारें मारतच, शेळ बी सुकोन
अुडक्यो मारूंक सुरू करतात.....''

चा. फ्रा. डि कोस्टां-ची अेक कविता पळेयात :

मिठा रूण

'' पेजे वाटली हातीं घेवन
दर्या वेळेर रावलां
कोणूय विचार नाकात घोंवन

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

'तोंड कित्याक बावलां ?'
अेक आसल्ली मिठा कण
पिशे बुदीन वाडल्या
दर्या यंदीं जातां म्हग
दर्यांत वचून उडल्या !
'दी गा म्हजी मिठा कण
तुज्या अुदकांत खिरल्या
निरास जाल्या म्हजी जीण
पेज अळणी अुरल्या ! ' "

हो आसा कर्नाटकांतल्या कोंकणी गद्याचो नमुनो: एडवीन डि सौजा ह्रांच्या *'हांव जियेतां'— हे कादंबरींतलो*

" ... पावस रावल्लो !

सकाळिच्या धा वोरार. परिपुर्ण थरान भितर रिगल्ल्या सुर्यांच्या किरणांक धरणीर पडोंक कसलोच अवकास मेळानातल्ले परीं कोडतिच्या लांब रूंद सालांत लोक जमलोलो. पाशार जाल्ल्या पंद्रा दिसांनी तेच मनीस त्याच सालांत जमलेले. तांकां आयचो दीस महत्वाचो जावन आसुल्लो. पंद्रा वीस थावन चलोन आसच्या प्रख्यात 'विक्टर केजि'- चें तिर्प आज मेळोंक आसल्लें.

पंद्रा दिसां आदीं - विचारणेच्या पैल्या दिसा - हेच परीं लोक जमोन आसिल्लो. वोरां धा व्हाजतना कोडतिच्या कारभाऱ्यान नितिकर्ताचें येणे सुचसिलें आनी सालांत मौन चरतच सर्व उभे जाले. हे केसिचो परिपूर्ण विवर आनी चरित्र विक्टराक खैद केल्ल्या पंद्रा दिसां भितर शिकोन तयार जाल्ल्या नितिकर्ताक विचारणाचें पय कशें रावात म्हळ्ळें चिंतुकयी फुर्सत मेळ्ळी ना. पुण तो एक संगत जाणासलो - ताचें स्थान, पिलाताचें जावन आसुल्लें.

नितिकर्तान जागो घेतल्या नंतर सालांतलो सर्व लोक बोसलो. नितिकर्तान भोरोन वोमतोंचे कोडतीक पळेलें आनी ताच्या कपालार घाम उदेलो.

'सरकार आनी मि. विकटर ह्रांच्या मदली केज' तो व्हडल्यान उचा-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

रिलागलो. ‘ दया करून मि. विक्टराक हाजर करात. ’

नितिकर्ताचे बोस्केच्या उजव्याक आसचें दार उगतें जालें आनी तांतल्यान एका पोलिसा संगीं विक्टर भितर सरलो. सभेंत पुसपुसीत उलौवण्याचें ल्हार चरलें.

विक्टरान आपली प्रख्यात काळी मुस्तायकी घाल्ली. काळो सूट, शर्ट बदलाक काळें पोलो नॅक; काळेच मोचे. ताच्या कोटाच्या दाव्याक तांबडें ‘कार्नेशन’ सोभतालें. ताची ती लांब आकृती अपराधिकाच्या पर्यांत चलोन वेताना सभेचेर जाल्लो अब परिणाम अगणीत. ‘मनीस’ पत्राच्या मनशाक ताणीं आज उगत्यान पळेलो. कशें नितिकर्तान विक्टराचें हर एक चलन वलन आनी कर्तूब मतींत दवरिल्लेंगी तशेंच थंयसर आसल्ल्या हर एका प्रेक्षकान विक्टराची चरित्रा तातांच्या मनांत खंचयिल्ली. हे केजिचो परिणाम आनी तिर्प ते जाणासले. तें तांकां कसल्याच गरजेचें नहीं. पूण विक्टराचेर तिर्प वाचून स्वताची सलवण उगत्यान मांदून घेंवच्या ‘तांचीं’ मुखमळां पळेंवक ते आयिल्ले . . . ”

अेके कथेंतलो हो उतारो पळेंवया (‘*चेडवा*’ - बरोवपी : नंदिनी)

“... सकाळींच्या स सावन आट पर्यांत, सांजेच्या थावन दिवो पेटयता म्हणसर हांव हांगा जनेलाचे सांदीर साणसोन आसां. हातांत बूक आसता तरयी दिश्ट तुमच्या आंगणांत. कागदां आनी पेन्न आसता तरयी, दिश्ट तुमच्या बांयच्या काटचार.

म्हयन्याच्या आदीं हें कूड भाड्याक करतना म्हाका कोळिंद्र जाल्ले बरीं भोगलें. स फुटिंची म्हजी लांबाय दोड्न, मोड्न, ह्या कुडा भितर रिगयतना माम्मिच्या दुधाचो उगडास आयलो. मेळल्लें काम सोडचें न्हय, मुखार बरेपण आसत म्हळ्ळचा बऱ्या उद्देशान, हे करपल्ले हळ्ळेक पोस्टमास्टर जावन आयलांगो - तरयी सदां म्हज्या दोळ्यांनी दुखां येतालीं. कॉलेजिच्या चेडवांचेर अेक दिश्ट घाल्यां, या शहराक या म्हण भोगतालेंगो.

पुणगो चेडवा, आज हांव काळजा थावन अचार्न सांगतां, आज म्हाका हे हळ्ळे थावन धांवची आशा ना. दोळ्यांनी दूख ना. शहराचो उगडास ना. कॉलेजिच्या चेडवांक पळेंवची आशा ना. म्हाका हांगाच राव्यांशें दिसता. हें कोळिंद्राचें बीळ सासणाक सोडचें नाका दिसता.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

ज्या दिसा तुका पळेलें, त्या दिसाच म्हज्या चिंतनांची सकत सुकोन गेली. दोळयांनी सदां सोधप दिसता. म्हाका मिसाक वेची सवंय ना गो, तुका आसा ? आसा तर सांग म्हाका खंयच्या मिसाक वेताय ? स वोरांच्या ? आट वोरांच्या ? ह्या उपरांत खळनासतना हांवयी येतां.

तूं म्हजें शेजारं म्हण कळतना म्हजें काळीज बंध पडलें न्हय ! दुसऱ्याच दिसा सेकेंड हॅंड कदेल आनी मेज हाडून हांगा ह्या जनेला सर्शीन दवरलां आनी हांव हांगा दिसाच्या चार सावन पांच वोरां तुका गरी घालून बसतां.

चेडवा, म्हज्या चेडवा, म्हाका एक पावटीं पळेशी तर तुका, म्हजें जांवचे दुवाळे लागोंक आसात तें खंडीत. हांव हांगाच जनेलार आसां. गरजेच्या कामाभायर हांव हांगा यावन हालना. तुज्या घरा आनी म्हज्या कुडा मधें दोन काजुचे रूक आनी एक कांट्या वायराचो वोग. तुमगेले आस्कार-हुस्कार हांगा समा आयकल्यात. तुज्या उगडासान सबार राती, हांव नीद पडनासतना पिरगोन आसतना तुका कांय खबर आसा ?

सकाळीं आटांक उटचो हांव आतां पावणे स वोरार उटतां. स काल-द्याच्या मधे तूं तुज्या बोटांनी दांत घांशीत बांयचें उदक काडूंक येताय. हांव हांगा जनेलार आसां, तुका पळेत आसां. इंगळो तुजे थिंपियेंत मेळोन वोंटां भोंवतणी जमो जांवचो दिसता. चेडवा, म्हजें तोंड पळेगो, हांव तुका बिनाका टूत पेस्ट बुरूसा सांगाता दितां........"

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१२. कोंकणीची बारदेशी मोड

जर गोंयां सावन भायर सरून गेल्ल्या क्रिस्तांवांनी कर्नाटकांत राबून आपल्या बरोवपा खातीर कन्नड लिपयेचो उपेग केलो, तर गोंयांत आशिल्ल्या क्रिस्तांवांनी मिशनरी पाद्रींनी हाडिल्ले तेच रोमी लिपयेंत आपलें कोंकणी बरोवप केलें. आदीं सांगिल्ल्या प्रमाणें, कोंद द आल्वोरांच्या फर्मणां हुकुमांच्या नाडयार गोंयच्या क्रिस्तांव लोकाक कोंकणी कडलो पयस व्हरपाचे भारीं आनी सुफळ प्रयत्न जाले. तांच्या मनांत आपलेच भाशे विशीं कितें तरी उणेंपण आनी आत्म-हीणपण निर्माण करपाचोय यत्न जालो. ल्हवू ल्हवू गोंयकार वयल्या समाजांतलो लोक तिचे वटेन तिरस्कारान पळेंवक लागलो, ती भास आपली म्हणून अभिमानान उलोवंक धाडजना जालो. तेन्ना, गोंय-च्यान मुंबय आनी पुण्यांत नोकरेक वचून राविल्ले गोंयकार अिंग्लेज उपकारावंक लागले आनी गोंयांत उरिल्लो शिकिल्लो-सवलेल्लो क्रिस्तांव समाज पुर्तुगेजीक धरून रावलो. अशे परिस्थितींत कोंक-णीचो साहित्यीक वावर कोणूय करतलो म्हळचार येवजूंक कठीन जाल्लें. हें करपाक व्हडलो धीर आनी कोंकणीचो अपार मोग आनी तांतल्यान निर्माण जाल्ली त्याग-शक्ती जाय आसली. हे दिशेन वावर करचे खातीर गोंया सावन डॉ. कून्हा रिवारांनी १८५८-आंत कळकळीत उलो मारिल्लो.

ही शक्ती कांय पुण्यांत आनी मुंबंयत वावर करतल्या, चड करून बारदेस-च्यान गेल्ल्या, कांय गोंयकारां मदीं उत्पन्न जाली. ताणीं डॉ. रिवारांच्या उल्याक साथ दिवन आपली भास केळयतले आनी विकासाचे चडटेर पावयतले म्हणपाचो सोपूत घेतलो, आनी ते दिशेन आपुण सोबीत, उंचा पांवडयाचे बरयतले म्हणपाचें ताणीं थारायलें. तांतले हुशार बरोवपी म्हळचार अदुआर्द ब्रून द सौजा, जाणी पुणेच्यान आपल्या सहकार्यांच्या आदारान कोंकणीचें पयलें

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

वर्तमानपत्र १८८९ वर्साच्या फेबरेराचे दुसरेर सुरू केलें. ताचें नांव 'उदेंतेचें साळक' म्हणून दवरिल्लें आनी सुरवातेक म्हयन्याळें आसून रोखडेंच पंद्राळें जालें. ताच्या उपरांत कितलींशींच वर्तमानपत्रां आनी नेमाळीं, चड करून मुंबयच्यान भायर सरूंक लागलीं. हांतूंत बरोवप्यांचें कथा-साअित्य आनी कविता छापून येताल्यो आनी ताका वाचपी जायते आसले.

कोंकणींतलें पयलें दिसाळें, 'सांजेचें नकेत्र' १९०७ वर्सा मुंबयच्यान उजवाडाक आयलें आनी ताचे संपादपी बि. अेफ. काब्राल आसले. तें बंद पडल्या उपरांत आनीक दोन दिसाळीं त्याच मुंबयच्या शारांतल्यान उजवाडाक येंवक लागलीं. तीं म्हळचार : 'कोंकणी बुलेटिन' १९३२-आंत आयलें आनी ताचे संपादपी आन्तोन्यू विसेंत द क्रूज आसले; 'गोअन ओबजर्वर' १९३३-आंत भायर सरलें आनी ताचे संपादपी जुआंव लाजारूस द सौजा आसले.

ह्या पयल्या ठप्प्यांतलीं वर्तमानपत्रां सगळीं बंद पडून गेल्लीं, जरी उणीं म्हळचार बारा तरी सुरु जाल्लीं आनी थोडो काळ बरे तरेन चलिल्लीं. दुसरो ठप्पो 'रोटी' ह्या कराची शारांतल्यान १९१४-आंत सुरू जाल्ल्या नेमाळ्यांतल्यान आरंभ जालो. हें अेक 'Readers' Digest'-च्या धरतीचेर तयार केल्ले म्हयन्याळें आसलें आनी ताचे संपादपी पाद्री लुदोवीक पेरेयरा (१८८१-१९३६) आसले. तांतूंत साबार विशयांचेर बरयल्ले चकचकीत शैलीचे निबंद छापून येताले. पुण तांतली भास मात पाद्री पाश्कुआल दियसानी घडयल्ली अस्तम्ते रीतीचे भंगिल्ले शैलीची आसली. ह्याका लागून तिचो खूब दुशपरिणाम जालो. ह्या युगाचीं वर्तमानपत्रां आनी नेमाळीं तर कितलीशींच आसलीं. तांतलीं आयज पसून जीवीं उरिल्लीं आसात तीं म्हत्वाचीं म्हळचार 'आवे मारीया' (१९११), 'द गोआ मेल' (१९१९), 'द गोआ टायम्स' (१९३०), 'वावरा-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

डचांचो अिश्ट' (१९३३) आनी 'उदेंतेचें नेकेत्र' (१९४६). जरी कोंकणी सरस्पतीक तांचो व्हडलो-सो पालव मेळ्ळो ना, तरी तांतल्यान नवे बरोवपी आपलें बरोवप करूंक शिकले. पुण निजाचे कोंकणींचे वाक्यबांदावळीची रीत हांगा कांय प्रमाणान खंचल्या.

कोंकणी वर्तमानपत्रांचो तिसरो ठप्पो फेलीस्यु कारदोज, हांच्या मडगांवच्यान १९६२-आंत उजवाडायल्ल्या 'सत्' ह्या दिसाळचाच्यान सुरू जाता. तेन्नाच्यान नीजाची कोंकणी आनी प्रमाणीकरणा कडेन वळटली शैली गोंयच्या क्रिस्तांवां मदीं हाडपाचे प्रयत्न जाले. साबार बरोवपी तांतल्यान स्फूर्त घेवन फुडें सरले. ताची परंपरा उपरांत घडयल्ल्या व्हडल्या आकाराच्या 'दिवटी' दिसाळच्यान १९६६-आंतल्यान फुडें चलयली, जांतूंत 'सत्' विलीन जाल्लें, आनी कारदोजां भायर, हूग द सौजा संपादक आसले. ताच्या उपरांत पणजेच्यान अेवाग्रीयु ज्योर्ज हाणी संपादिल्लें 'उजवाड' दिसाळें १९७०-आंतल्यान भायर सरूंक लागलें. ताच्या उपरांत १९८२-आंतल्यान मडगांवच्यान 'नवें गोंय' हें दिसाळें उजवाडाक येता. तें पयलें गुरूनाथ केळेकार, मागीर डॉ. फ्रां. मा. रेबेलु. हे संपादपाक लागले. फां. मोरेन द सौजा अजून 'रोटी' म्हयन्याळें सपादतात.

कोंकणींतलीं मुखेल अशीं पंद्राळी आनी म्हन्याळीं जीं गोंयच्या आनी मुंबयत रावतल्या गोंयकारां खातीर उजवाडायतात तीं बारदेशींतल्यानूच येतालीं कित्याक तीच शैली सगळचा क्रिस्तांव गोंयकारांच्या बरोवपा-वाचपाक लागू जाल्या. 'वावराडचांचो अिश्ट' आनी हेर उल्लेखिल्ल्या नेमाळ्यां भायर, म्हापशेंच्यान प्रभाकर तेंडुळकारांनी संपादिल्लें 'गोंयकार' नांवाचें अेक नेमाळें उजवाडाक येता. त्या भायर पणजेच्यान फा. फ्रेडी द कोश्तानी संपादिल्लें 'गुलाब' हें चित्रांभरीत म्हयन्याळें भायर सारता, जें भोवूच लौकीक जालां.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

जरी बारदेशी मोडींत कोंकणी कवितेक व्हडली-शी भर पडली ना, तरी तिची सुरवात भोवूच आशावादान जाल्ली. अदुआर्द ब्रून द सोजां-च्या 'अेवा आनी मोरी.' ह्या म्हाकाव्याच्या पांवडयाचेर बरयल्ल्या काव्यान १८९९-आंत हो वावर सुरू जाल्लो. दांते, कामोंयश आनीं गोंयच्या भजन गीतांचेर आदारून हें म्हाकाव्य रचिल्लें, मनीसकुळाची पयली आवय, अेवा आनी जेझुची आवय, मोरी, हांची सर करून. पुण ताच्या उपरांत बारदेशींतली कविता व्हडली-शी तोलपा सारकी न्हय. तरीय तांतले तांतूंत कांय नीज मोलाचे कवी आशिल्ले जशे जुआंव कायतान फ्रांसीश्क द सौजा (१९३०-आंत मेले), जाणीं गद्यांतूय खूब बरयलें, जुआंव लुयीस कार्वाल्यु (१९०९ ते १९३९-आंत तांच्या भरभराटीचो काळ) आनी अजून जीवे आशिल्ले बेर्नादीन अेवारीस्तु मेंदिश १९२०-).

आनीक अेका साहित्य प्रकारांत बारदेशीन सुगुर्याची सुरवात केल्ली आनी तें म्हळयार नाटकांत. अिटालयन ऑपेरा कंपनींत (१८९०) काम करून मेळिल्ल्या अणभवाचो लाव घेवन लूकस रिबेयरो, हाणी १८९२-आंत कोंकणी 'तियात्र' नांवाचो नाटकाचो प्रकार सुरू केलो. तांच्या सांगाताक आसले साश्टिच्या राय गांवचे मुंबंयत वावुरतले दोग नाटककार भाव : कायतान फेर्नांदिश आनी जुआंव आगोश्तीन्यु फेर्नांदिश (१८७१-१९४७). आगोश्तीन्यु फेर्नांदिसानी तीस-अेक नाटकां बरयलीं. तांतूंत कल्पनांची विपुलताय आसली पुण कलेचे नदरेन चड उंचा पांवडयांचीं अशीं तांकां खरें म्हळयार म्हणूं नजो आसलीं. तरीय तीं भोव येशस्वी जाल्लीं आनी बरीं नाटकां तर तांकां म्हणचीं पडटलीं. तांतले तांतूंत तांचो 'कुणबी जाकी' हो तियात्र खूब गाजलो. तांचे उपरांत तियात्र, ह्या प्रकाराक भोवूच लौकीक फावो जालें. तरीय तांच्या गिरेस्त कल्पनां आनी शैलींत उपरांत व्हडली-शी उदरगत जालीं ना म्हणपाचें येवजून खेद दिसता.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हाचेच भशेन भोव लौकीक पुण कलाकृतिचे नदरेन फावो तितलो येशस्वी जावंक नाशिल्लो प्रकार म्हळचार बारदेशींतली नवल-काणी वा कादंबरी. ह्याय प्रकारांत नांदी बरी जाल्ली जेन्ना फ्रां. शा. फेर्नांदिश-लिबेराल (१८८९-१९२८ हो तांचो फुलतो काळ), सेबास्तीयांव साल्वादोर द जेझूस दियश्, आलेयश कायतान जुझे फ्रांसीश्क (१८९२-१९०८ हो ताचो फुलतो काळ,) जुआंव कायतान फ्रां. द सौजा, अेदुआर्द ब्रून द सौजा, फ्रांसीश्क पाश्कुआल फेर्नांदिश (१८६३-१९२७), लोरेंसीन्यु दांतश इ सौजा (१९०२-१३ हो तांचो फुलतो काळ) आनी जे. जे. अॅ. बि. ब्रीतु (१९०३-१५ हो तांचो फुलतो काळ), हांणीं आपल्यो नवल-काणयो बरयल्यो. हांतली पयली-वयली म्हत्वाची नवल-काणी म्हळचार अेदुआर्दांची 'क्रिस्तांव घराबो' (१८९१), फ्रेंच आलेशांद्र दयुमा-हांच्या कादंबरींचे आदर्श घेवन बरयल्लीं.

आन्तोन्यु विसेंत द क्रुझ, हाणीं कोंकणी नवल-काणयेक नवो नेट फावो केलो. पुण तेन्नाची नवल-काणी म्हळचार चड भावना-प्रधान जावंक लागली आनी तांतूंत नाटयाचे अंश व्हड प्रमाणान दिसूंक लागले. पुण बरोवपाचे रीतीन आनी बांदांवळीचे नदरेन नवल-काणयेचेर पड आयली. क्रूझां फाटल्यान आयिल्ले नवल-काण-येकार म्हळचार पि. अँ. कुलास, जे. अेम्. पिंटो (१९०४-३१ तांचो फुलतो काळ) जे. जे. कांपुश (१९०५-३१ तांचो फुलतो काळ), जुआंव लुयीज कारवाल्यु (१९०९-२९) हो तांचो फुलतो काळ), अेफ. अेफ. काब्राल (१९१०-१९३८ फुलतो काळ), अेफ. अेस. फेर्नांदिस डगलस (१९१५ उपरांत फुलत्यार पावले), जुझे लामा-र्तीन लोबो (१८८९-१९२७), कारोदाद दामास्सेन फेर्नांदिश (१९३१-१९४८ ह्या काळांत बरयलें). सि. अेस. गेर्रयरू दियश् (१९३२-३६ फुलतो काळ), तौमातूर्ग द सौजा (१९११-) रेजीनाल्द फेर्नांदिश आनी ओल्यट द अेली (१९३१-८८).

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

फेलीस्यु कारदोज (१९३२-) हाणी नवलीका बरोवपांत सुरवात केली आनी उपरांत पत्रकार म्हणून नांव जोडलें. ताणी बारदेशी मोडींत अंत्रुजी रूपां भरशिलीं आनी प्रमाणीकरणा वटेन रोमींतलें कोंकणी बरोवप व्हरपाचो प्रयत्न केलो. तांचें 'सत्' आनी उपरांत 'दिवटी', हीं दिसाळीं भोव म्हत्वाचो वावर करून आयलीं. ह्या सगळ्या लेखकांनी आपल्या बरोवपांत चडशे हे विशय हाताळ्ळे : संतांचीं जीवितां, मोग, साहसाच्यो काणयो आनी जातीं मदले तंट्टे आनी पुर्वग्रह. तांतूंत धडे शिकोवपाचो आनी भाशण दिवपाचो हेत स्पश्ट दिसतालो. कांय जाणांनी अितिहासीक घडणुकांचेर आदारून नवल-काणयो बरयल्यो त्यो बेस बरे तरेन रंगल्यात.

बारदेशींत व्याकरणीक आनी शब्दकोशांचोय वावर जालो. अिनास्यु शावेर द सौजा रूद्रीगिश् (१९०७-आंत मेले) हाणी तांतलो पयलो 'दिक्सीयोनारयु कोंकानी-पुर्तुगेज' १८८८ वर्सांत उजवाडायल्लो. डॉ जुझे जेर्सन द कून्न (१८४४--१९००) व्याकरण बरोवपाक फुडें सरले १८८१-च्या सुमाराक पुण तांचो हे विंशिचो वावर अपूर्ण उल्लो. बारदेशींतलें पयलें उजवाडाक आयिल्लें व्याकरण १८९२-आंत अदुआर्द ब्रून द सौजांनी (१८३७?-१९०५) आपल्या 'उदेंतेचें साळका'त वांटयां वांटयांनी पुण अपूर्ण रीतीन छापलें. बारदेशीक प्रमाण मोडीच्या दर्ज्याचेर पावोवपाचें काम कोंकणीच्या सगळ्यांत व्हड विद्वानानी केलें. ते म्हळ्यार मोंसिन्योर सेबाश्तीयांव रोदोल्फ दालगदु (१८५५-१९२२), जाणी तिचीं रूपां आपल्या मोटया 'दिक्सीयोनारयु कोंकणी-पुर्तुगेज' (१८९३) आनी 'दिक्सीयोनारयु पुर्तुगेज-कोंकणी' (१९०५), ह्या शब्दकोशांनी उपकारायल्यांत. ताणी अेक विस्तारान बरयल्लें कोंकणी व्याकरण तयार केलें जें अजून छापचेलें आसा. तें पणजेच्या केंद्रीय ग्रंथालयांत दवरलां.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

व्याकारणाचो वावर आनीक फुडें गेलो डी. अेफ. दांतश-हांच्या प्रयत्नां उदेशीं. दांतासानी कोंकणींत बरयल्लें कोंकणीचें पयलें व्याकरण तयार केलें, १९१० वर्सा. कोनेगु जुझे द सांता रीता इ सौजा (१८६३-१९४०), विसेंत जुआंव जानीन रांजेल (१८५८-१९४९), मारियानु सालदान्य (१८७८-१९७५), पाद्री ग्रासीआनु मोरायश (१९०४-१९७३), पाद्री क्रेसेंसीयु फ्रांसीश्क मोंतेयरू (१९०२-१९६९) आनी ज्योकीं आन्तोन्यु फेर्नांदिश (१८८९-१९७५), हाणींय उल्लेखनीय कोंकणीं व्याकरणां आनी विवेचनां बरोवन उजवाडायली.

शब्दकोशाच्या क्षेत्रांत, आलेक्स दियशांचो शब्दकोशाचो वावर १८८९-आंत तयार जाल्लो; आलेयश कायतान जुझे फ्रांसीश्क-हांचो १८९२-आंत जाल्लो; आनी काजमीर क्रिस्तोवां द नाझारे-(१८३०-१९२८) , हांचो १९२७ वर्सा आदीं. दालगादांचो शब्दकोश चड कठीन, सुसंस्कृत उतरावळीचो दिशिल्ल्यान, तांचे परस सोंपे भाशेन आशिल्ल्या शब्दकोशांची गरज भासली. देखून ती गरज भागोवंक ल्हान शब्दकोश येवंक लागले, देखीक : जुयांव कायतान द सौजा आनी अे. डि. लोबो-हांचों (१९२९); आनी मुंबयच्या बि. अेक्स. फुर्तादु, हाणी दोन शब्दकोश १९३० आनी १९३१-आंत उजवाडायले. हांतलो चड लौकीक जाल्लो तो ' Manual de ires mil vocabularios ' (तीन हजार उतरांचो कोश), जो बारदेशी-साश्टींत बरयल्लो आनी ताचे कर्ते सेबाश्तीयांव सालवादोर द जेझूस दियश् (१८६८-? १९००) आसले.

हांच्या वांगडा कोंकणी शिकोवपाचे नदरेन पुस्तकां तयार जालीं. कोंकणी साळो चलोवपा खातीर गोंयां तशे मुंबयंत सतत प्रयत्न जाल्ले. कूञ्ना रिवारांनी पुर्तुगेज सरकारा तर्फेन हुकूम काडिल्लो (१८५५) पुण कोणें तो काना-मनार घेतलो ना. १८६९

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कोंकणी साळांनी शिकोवपाची पुर्तुगेज सरकारान तर बंदी घाल्ली. पुण तीन वर्सां उपरांत सरकारान पुर्तुगेज-मराठी मिश्र साळो सुरू केल्ल्यो. १८८०-आंत सरकारान नेमिल्ल्या अेका आयोगान शिफारस केल्ली कि गोंयांत मुळावें शिक्षण कोंकणींतल्यान जावचें. पुण सुर्याजी आनंद राव (१८२८-१८८८) हाणी हे विशीं कितेंच जावंक दिलें ना ह्या आयोगाचे वांगडी म्हणून कुंभारजुवेंचे बारांव आनी कोंकणी आनी मराठीचे जाणकार, तोमाज मौरांव आशिल्ले, जाणी कोंकणीतलें सगळचांत पयलें मुळावें पुस्तक बरयल्लें. भुरग्यांक आपले आवय-भाशेंत शिक्षण दिवपा खातीर ते खूब वावुल्ले. हेच दिशेन कवी फेर्नांदु लेयाल (१८४६-१९१०) हाणी भारीं प्रयत्न केल्ले. पुण तें दुर्दैवान सुफळ जाले नांत, कित्याक गोंयचे हिन्दू तशे क्रिस्ताव फुडारी तें करपाक कबुल जांवक नाशिल्ले.

१९१६ वर्सा जेंन्ना Primeiro Congresso Provincial (पयली प्रांतीक सभा) भल्लो, तेन्ना हेरां विशयां वांगडा शिक्षण माध्यमाचो प्रस्न वयर सल्लो. त्या वेळार अेके पुर्तुगेज अधिकृत सभेंत पयलेच फावट दादा वैद्यानी कोंकणींत भाशण केलें आनी ती भास, भुरग्यांचीं आवय-भास जाल्ल्यान, मुळाव्या पातळीचेर माध्यम म्हणून शिकोवचीं म्हणपाची कळकळीत विनंती केली. जरी मराठीवादी शंबा सरदेसायांचो ताका विरोध जालो, तरी ते सरकारी सभेन थारायलें कि गोंयांत शिक्षण कोंकणींतल्यान दिवपाक सुरू करचें. पुण ताचे फुडें पावलां उखल्लीनांत, कित्याक तिचे विरोधी बाडगनासले.

पुण मुंबंयत रावतल्या प्रौढ गोंयकारां खातीर कांय कोंकणी साळो चलयल्ल्यो. तांकां पाठ्य-पुस्तकां पुरोवचे खातीर मुळांवीं आनी हेर वयल्या पांवड्याचीं पुस्तकां तयार जाल्लीं. तांचे बरोवपी म्हळचार कुंभारजुवेंचे बारांव; सेबाश्तीयांव तेयोतोन्यु द सौजा (१८९२-१८९६ फुलतो काळ), फ्रां. शा. फेर्नांदिश-लिबेराल, माय-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कल फेर्नांदिश (१९३०-३३ फुलतो काळ), आलेशींयु मार्तीन्यु जूलयो द मेलु (१८७६-१९४२), आन्तोन्यु विसेंत द क्रूझ (१८८५-१९५९), आसुंसांव द सील्वा (१९२२–) आनी ज्योकीं आन्तोन्यु फेर्नांदिश, जाणीं 'कोंकणी नादशास्त्र' बरयलें हे आसले.

हे मोडींतले कांय उतारे घेंवया :–

'*उदेंतेचें साळक*' ह्या (वर्तमानपत्र) नेमाळचांतलो पयल्या दिसाचो अग्रलेख असो सुरू जाता :

"जशें एका आरश्या सारक्या तळ्या-माजार एक बरें साळक फुलता, आनी आपले सभोंवतीं दमदम घालता, तशें आमच्या लोकां-मदें आज उगोवता हें उदेंतेचें साळक. ही खबर दुबाव विणें आमकां जांवक जाय व्हडा संतोसाची. कोण सांगून दीत कितल्या उपकाराक पडत तें वो ह्या उदेंतेच्या साळकाचो खूंय परमळ पावत तो, जर तर आमी आमच्या हातां आसा तें करून, ताका मजत दीन जाल्यार.
" सांगाता-विणें मनश्याच्यान वांचू नजो, आनी अेकोटाविणें अेक सांगात फुडें सरूं-नजो; पुण जांव सांगात, जांव अेकोट, भासेवांचून कदींच वसूं नजो.

भासे वरवीं अेक आवय आपले उंटयेतल्या भुरग्याच्या काळ-जांत आपलो मोग शिरयता, अेक भयण आपल्या पांयण्यांतल्या भावाच्या, अेक भाव आपल्या खेळाच्या सांगात्याच्या; आनी हो मोग वच खूंय, तुजें पोट वो तुजी खोशी व्हरत थूंय कदीं कोणाच्यान काडूं नजो.

भासे वरवीं अेक बऱ्या उतराचो प्रेगादोर आपणाक आयकत-ल्याच्यां काळजां सोंपेपणीं जिखता, आनी अेक मनीस जितली भास बरी उलयता, तितले चड तो आपणाक ओश्ट जोडटा. अेका मुमक्या मनश्याक आमीग थोडे.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुण हें सगळें घडटा त्यां मनश्यां भितर, जांची भास अेक, आनी ज अेकटांय रावतात, वो जायते पावट अेकटांय जातात."

ज्योकीं आन्तोन्यु फेर्नांदिश-हांचे अेके कवितेंतल्यो कांय वळी :

वड कांदोळेच्या दोंगरावैले

"
....

पैस, पैस ते दोग दिसले :
वड कांदोळेच्या दोंगरावैले
वाटकुले, माणकुले, धाकटुले
पुण, चिके, चिके
ते व्हडले व्हडले जांवक लागले,
गोंयचे वनस्पतीचे राय कसे दिसले !
आनी म्हातारे आवय-बापूय जशे
देस पुताक परत आयिल्लो पळेवन
भुरकुटले, मुरगटले,
खुशालभरीत जाले,
आंबुरके हांसतात-शे दिसले,
आनी, येवकार दिवन, ताका आपोंवक लागले
वड कांदोळेच्या दोंगरावैलो;
तेदना देसपुतान
खोशेच्या अुमाळचान
वळकलें गोप आपले आवय-भूंयेचें
हेंच म्हुण तें गोंय अपुर्बाचें
वैकुंठ ह्या संवसारांतलें..."

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

ही आसा झळक अेदुआर्द ब्रून द सौझां-ल्या 'अेव आनी मोरी', ह्या म्हाकाव्याची, जें काव्य अेक हजार आनी अेक वळींनी बरयलां :–

मुदल

"

जे अेवेन आमचें सुख बुडयलेलें,
हांसते बागींत भूमी-वैकुंठांतले,
फळ सेवून जें देवान आडवारलेलें;

आनी मोरीयेन, सुफळ फळान आपले
अुदरींच्या, आमकां दिलें परतून,
दुकांचे सुवातेर काल्वारायले :

तें सर्व अेक हजार आनी अेक वेर्स गुंथून,
पर्गट करीन व्हडाक आनी ल्हानाक,
दीस अुदेता आनी अस्तमता तितून.

हे पवित्र ओत्म्या, तुज्या मानाक,
आनी तुज्या निर्मळ पतिणीच्या,
म्हजी मत अुजवाडाय, बळ दी पेत्ताक;

दी कुर्पा, हे धनया अुजवाडाच्या,
म्हज्या नव्या गाण्याक आनी अुतराक,
पातके जिबेर, सादत आस्सल वाच्या.

आदांव आनी अेव भूमी-वैकुंठांत

हो संवसार आनी सर्ग रचल्या उपरांत,
आनी तीं कौवतुकां सर्गा वयलीं,
आनी सर्व जें आसा ह्या संवसारांत;

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

देवान आदांवक आनी अेवेक घडलीं,
आनी सगले रचणे वर्तीं करून,
भूमी-वैकुंठाचे बागींत घालीं.

निर्मळा मोगाचे उबेन विरून,
तांचीं काळजां अेकूच म्हुणूं येतें,
जें आसलें देवाचे कुपेंन भरून.

चिंतात-म्हुणटात अितलेंय आसलें वर्ते,
सर्गायली जाणटिकाय; जें आदारतात
तें सगलें देवाचे खोशे पुरतें :

ना वायट तांच्यां कुडींक ज्यो पर्जळटात
सुरोपायेन, आनी आत्मे तांचे
सर्गींच्या देण्यांनीं नेटून आसतात :

नकळत आटे-विटे त्या मर्णाचें,
आनी, आत्मे कुडी सांडी नासतां,
चडची आसलीं पांवडे त्या सर्गाचे,

थंय भोगच्याक सुख-संतोस, पर्जळितां
आंज्यांच्यां कोरांनी गायण करून,
न्हूय अेक वो दोन वर्सां, पुण सर्वतां :

बळीश्ट वाग आनी शींव जे धेंक मारून
रान हालयतात, आनी गोरवां, पाकरां,
सगळीं आसलीं तांचो हुकुम धरून.

आनी कोण सांगून दीत कोण शृंगारां,
आनी सोबितायेन, नेटयलेली
वैकुंठाची जमीन, तिचीं चित्रां ?

नद नितळा उदकाच्री ती शिंपताली,
जिनसांचीं लवलवीत झाडां भोंवतीं
दिश्टी पडटोच, नदर धादोसताली

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

जबरां रोसाळ फळां, झाडां पुरतीं,
नदरेक पडटोच दोळे पिसावताले,
आनी सांगच्याक जीबे-पेना वर्ती.

अेका उतरान, सगळचा संवसारांतले
शृंगार आनी संतोस, बरे बरे,
वैकुंठाचे बागींत आटापलेले.

Forwarded free of cost and with the compliments of the Deptt. of Education, Govt. of India, New Delhi.

देवाचो उपदेस

आदांवक अितले उपकार केलेत खरे,
पुण अेकुच उपदेस ताका धालो –
अेकुच कायदो, आनी न्हय चड दुसरे.

आनी हो उपदेस असो आसलो :
सगलीं फळां ताच्यान खांव येतालीं,
अेकुच फळ खांवक ताका आडवारललो.

त्या फळाच्या झाडाक पाचारतालीं
' बरव्या आनी वायटाचे वळखिचें झाड '
तें तर खातीं मनशां मरचीं आसलीं.

जीवाचें झाड

थंय तेच बागी माजार आनीक अेक झाड
आपलो सुफळ विस्तार फांकयतालें,
आनी ताका म्हुणत ' जीवाचें झाड. '

ताचें फळ खेलें तर, मनश्याक नासलें
न्हयच मर्ण, बगर म्हातार पिराय लेगून :
सदांकाळ तरनेपण वसचें आसलें.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

सेर्पेतिचीं ताळणी

रूपेस्त आनी गुणेस्त, हें सुख भोगून,
अेव अेक दीस भायर सरता, बागींत भोंवच्याक :
भूंय संतोसता, तिचीं पावलां लागून :

ना उतरां तिचें रूप सांगून दिवच्याक,
ना पिसेल चितारूक तें मुख-कमळ,
ना पेन त्या दोळ्यांचें बरोवन दवरच्याक,

शितळ वारें भोव धमधमीत परमळ
सभोंवतीं वारयता, आनी ते तिचे
केंस खेळयता सोबीत, आनी निर्मळ.

ती भोंवता ते रस्ते वैकुंठाचे,
आनी माजार ते घातकी झाड देखता,
जें दीस दवरी आमच्या अदृश्टाचे.

दुस्मानाच्यान देखूं नज जाता
तें सुख, अितल्या व्हडा अनोदाचें,
जें, अेव सांगता, आदांव भोगता;

आनी घेवन अेक रूपणें सेर्पेतिचें,
त्या झाडार थावन करता अशी बोली*
' कित्याक तूं फळ खायनाय ह्या झाडाचें ?'

*उलोवप

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१३. अंत्रुजी मोड

मुंबयंत रावतले गोंयकार बारदेशी कोंकणी मोडीच्या प्रभावा-खाल आयिल्ले. तांतले तांतूंत वामन वर्दे वा लावलीकार जे मागीर शणै गोंयबाब ह्या नावान गाजले. ताणी शेक्सपीयरच्या नाटकांचे कोंकणी रूपकार करून, जशे : 'राजपुत ह्मामलेट आनी बापायचें भूत', 'मुदयांखातीर घोवा बायलांचें झगडें', 'आगुलल्याचें निवळण', 'गोरे बायलेचो काळो घोव', 'धृवांची परीक्षा', 'जुंवळचा भावांचो घुस्पागंदळ', 'राणयेचें जीवें बावलें', 'बायलेची परीक्षा', 'मोगाचे पिडेचें ओखद', 'भुसमारे आलेभाव कोलेभाव' या नांवानी बारदेशी शैलीचे रोमी लिपयेंत उजवाडायले. पुण तांची शैल ल्हवू ल्हवू अंत्रुजी मोडीचेर आयिल्ली, चड करून जेन्ना ताणी देवनागरींत बरोवपाक सुरू केलें. अंत्रुजी, हें नांव गोंयच्या फोंडचा म्हालाच्या आदल्या अंत्रूज, ह्या नांवा वेल्यान आयलां. तांचीं हेर कोंकणी नाटकां म्हळचार फ्रेंच नाटककार मोलियेर, हांच्या नाट-कांचीं रूपांतरां, जशीं 'मोगाचें लग्न'-(१९३८) 'पोवनांचें तपलें', (१९४८) आनी शेक्स्पीयेरांची काणी, 'जादुचो जुंवो'.

शणै गोंयबाबांनी अंत्रुजींतलें सुटसुटीत, तेजवंत गद्य घडयलें, लोकांच्या तोंडांतले चालते भाशेक कोंकणी सरस्पतींत जीतें-जीवें रूप दिलें. कविता करपाचेंय आपलें कौशल्य ताणी दाखोवन दिलें. पुण तांचे आदीं, दादा वैद्य उर्फ रामचंद्र पांडुरंग वैद्य ह्या कीर्तीवंत आयुरवेदीक वैजांनी, आपणाल्या मराठी नेमाळचांत, 'प्राची प्रभा', हांतूंत सुंदर कोंकणी गद्यांत बरोवपां केल्लीं. तें नेमाळें फोंडेंच्यान १९०५ तें १९१५ चल्लें. त्या उपरांत सशक्त आनी भरीव अशें गद्य काशिनाथ श्रीधर नायक, रा. ना. नायक, लक्ष्मनराव सरदे-साय आनी पांडुरंग भांगी, हांचे लिखणेंतल्यान निर्माण जालें.

रवींद्र केळेकार-हाणी 'मीर्ग' (१९५३) नेमाळचांत गद्यांत

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
बरोवप सुरू केलें आनी उपरांत 'गोमंत भारतीत'- तें चालू दवल्लें. ह्यांगाच्यान गांधीजींची शिकोवण संक्षिप्त रीतीन 'अशे आशिल्ले गांधीजी' ह्या माथाळचा खाल माळेन पुस्तिका उजवाडायल्यो. त्या भायर गोमंत भारतीन हेर पुस्तकां काडल्यांत. रवींद्र उपरांत तत्वगिन्यानीक आनी निबंद बरपाकडेन वळ्ळे आनी 'दिसपट्टचा' रूपान मनन आनी 'हिमालयांत' सारकें प्रवास-वर्णन ताणी बरोवन उजवाडायलें. आधुनीक शिक्षणांत प्रयोग करपाचे दिशेन ताणी 'नवी शाळा' (१९६२) ह्यांतूंत आपले विचार मांडल्यात.

पुण बाकीबाब बोरकार कोंकणी कवितेकडेन वळटकूच तांतूंत नवें यूग उदेलें. हें घडलें तांचीं 'पांयजणां' हो कवितां झेलो १९६१ वर्सा उजवाडाक येतकूच. त्या आदीं बोरकार मराठी कविते संवसारांत सामके तेंगशेर पाविल्ले. देखून ताणी कोंकणींत बरयलें म्हणून मराठी लोकाक अजाप आनी भलतेंच कितेंशें खटकलें दिसलें. कोंकणी लोकवेदांतल्यान बोरकारांक हे भाशेचे शक्तीचो दिश्टावो जाल्लो. ताणी कोंकणी गद्यांत बरोवपाक सुरवात केल्ली आपल्या 'पर्जेचो आवाज' ह्या १९५३-आंतल्यान रोमी लीपयेंत उजवाडाक येतल्या नेमाळचांतल्यान. ताणी विनोबा भावेंचें 'गीता प्रवचना' कोंकणींत हाडलें. ती गद्यकृति जावन आसली. भगवद गीता 'गिताय' ह्या माथाळचा खाल मुदलच्या श्लोकांनी बरोवन ताणीच उजवाडायल्या. तांचे उपरांत 'अभिजीत' उर्फ वामन सरदेसाय आयले आनी ताणी कोंकणीच्या मळचांत सुंदर सूरबूस अश्यो कविता हाडून लायल्यो. तांचें वांगडा बयाभाव आपलीं 'सडयावेलीं फुलां' आनी 'सुकृत फळां' सोबीत,सरळ, संगीतमय, घेवन आयले. पांडुरंग भांगींच्यो उमाळचान भरिल्ल्यो कोंकणी कविता नेमाळचांनी उजवाडाक येवंक लागल्यो ज्यो उपरांत पुस्तक रूपान आमचे मुखार आयल्यात. हांची आनी र. वि. पंडित, मनोहर सरदेसाय आनी हेरांची गजाल फुडल्या भागांत विस्तारान करचीं.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

आयची कोंकणी कथा, हे मोडीचें अप्रूप योगदान. ह्या क्षेत्रांत शणै गोंयबाबांनी पयली-वयली वाट दाखयली. तांची 'म्हजी बा खंय गेली ?', जरी तंत्राचे नदरेन आधुनीक कथेचे फास्केंत सामकी बसना तरी ती आयचे कोंकणी कथेच्या प्रवाहाक वाट मेकळी करूंक पावली. तांच्यो हेर कांणयो भोव प्रभावी उतरल्यो, ज्यो 'गोमन्तोपनीषत्' (१९३३) हाच्या पयल्या खंडात आयल्यात. तांचेकडल्यान स्फूर्त घेवन विष्णू नायक, अच्युत तोटेकार, सुमन्त केळेकार, चंद्रकांत केणी, गुरुनाथ केळेकार फुडें आयले आनी ताणी आधुनीक कोंकणी कथेची बुन्याद घाली. अेक म्हत्वाचो कथा-संग्रह म्हळचार 'ओंवळां' (१९३५) जांतूंत कारवार-मंगळूर-कडल्या चौदा बरोवप्यांच्यो प्रतिनिधीक कथा आस्पावताल्यो. तो संग्रह जयवंत कुलकर्णी, हाणो संपादिल्लो आनी तांतूंत घरावी आनी प्रादेशीक विशय हाताळ्ळेले.

ताचे उपरांत 'साद', 'पर्जेचो आवाज', 'मीर्ग' आनी 'साळीक', ह्या नेमाळचांनी कोंकणी कथेक पोसवण दिली. ह्या काळार, १९४५-आंत गोंयचे आकाशवाणीन कोंकणी कार्यावळी सुरू केल्यो. ताच्या उपरांत आकाशवाणी, मुंबयन १९५२-आंत रेव. ओलींपयु मास्कारेन्यश, बाकी बोरकार, हांचो आग्रो आसून आनी केंद्र सरकाराच्या माहिती आनी वितरावणे खात्याचे चिटणीस पु. मं. लाड, ह्या गोंयकारांचे कृपेन, कोंकणी कार्यावळी सुरु केल्यो आनी हाका लागून कोंकणी कथेक उदरगत करपाक अदीक वाव मेळ्ळो. १९५६-आंत 'भूंय चांफीं' हो कथां-झेलो उजवाडाक आयलो आनी कोंकणी कथा कितली वाडत आयल्या म्हणपाची घसघशीत गवाय मेळ्ळी. हांतली पत 'विद्या' ह्या आंतर-म्हाविद्यालयीन वर्सुक्या नेमाळचांत १९५७ वर्सा सावन पळेंवक मेळटाली. हाचे फुडें 'कोंकणी', 'त्रिवेणी', ह्या नेमाळचांनी आनी 'साळीक', 'आंकूर' आनी 'परमळ' ह्या खासा आंकांनी कथेचो फुलार विस्तारून आयलो. तांतले मुखेल-अशे कथाकार चंद्रकांत केणी दिसतात जाणी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
'भूंय चांफीं' (१९५५) संपादलो. तांची चड खबर फुडल्या भागांत करूंया.

अंत्रुजी मोडींतल्यान उपजल्ली पयली-वयली कविता कृष्ण भट बांदकार (१८७६-१९४५), हांच्या हातांतल्यान घडून आयिल्लीं. मराठी भजन-गीतां बरयतना तांकां कोंकणींत कविता सुचली म्हणटात आनी ती तर भोव ओडलायणी आनी उर्बेभरीत जाल्ली. ही तांची कोंकणी कविता अजून पुस्तका रूपान उजवाडाक येवची आसा. अंत्रुजींतल्या बरोवपाचो घोंघो तांचे परस पिरायेन ल्हान, शणै गोंयबाब उर्फ वामन रघुनाथ वर्दे वालावलीकारां कडल्यान व्हांवूंक लागलो. शणै गोंयबाबांक कोंकणी कडेन ओडपाचें काम कुंभारजुवेंचे बारांव, तोमाज मौरांव, हाणी केल्लें, हें आमी विसरूंक फावना.

जेन्ना बारांवांचे आज्ञेन (बारांव गोंयच्या शिक्षण खात्याचे अिन्सपेक्टर आनी कोंकणी आनी मराठीचे जाणकार आशिल्ले) वालावलीकारांनी अेक मराठी-पुर्तुगेज शिकपाची पुस्तिका काडिल्ली आनी तांतूंत चुकीन गोंयची भास मराठी म्हणून सांगिल्लें. तेन्ना बारांवांनी खंय तांचे नदरेक हाडलें कि हें तांचें विधान सारकें नाशिल्लें, कित्याक गोंयची खरेली आवय-भास कोंकणी आसली. ह्या विधानाचेर ते येवजूंक लागले आनी निमाणेकडेन बारांवांची सांगणी तांकां सामकी पटली. अशे रीतीन हे उपरांत कोंकणीचे येदे व्हड आनी पाटांगडे जातले वावराडी आपले आवय-भाशे कडेन आयले. अितलेंच न्हय, कोंकणीचेर जातले सगळे तरेचे अन्याय ना-नपश्यात करतले म्हणपाचो ताणी कडकडीत सोपूत घेतलो.

कोंकणीच्या आदल्या साअित्यीक दायजा विशीं तांकां चड-शी सुरवातेक खबर नाशिल्ल्यान, तिचे सरस्पतींत तांकां दिसतलो उणाव भरून काडचे खातीर ते कवीत करूंक फुडे सरले, नाटकां बरोवन

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

काडटाले आनी अशी कोंकणीक सगळ्या आंगांनी सशक्त करच्या हेतान, व्याकरणीक, अितिहासीक आनी हेर प्रकारांचें, ते बरोवप करूंक लागले. हें कोंकणीच्या भोव फायद्याक पडलें आनी खंयचोय प्रकार हाताळपाक हे भाशेंत अपार शक्त आसा म्हणपाचें तांच्या विविध, घणघणीत बरोवपांतल्यान सिद्ध जावन आयलें.

आमच्या फांटिल्ल्या समाजाचेर नियाळून, तो समाज परतो बांदून हाडपाच्या अेकचाराचो तांकां दिश्टावो जालो. कोंकणी हिन्दू आनी क्रिस्तांव, हांचो अेकवट परतो घडोवन हाडचे खातीर, कित्याक धर्माची फूट पडचे आदीं दोनूय उपसमाज अेकूच समुदाय आशिल्लो, ताणी भारीं कश्ट केले.

अंत्रुजी मोडीतले कवितेचे कांय नमुने पळेंवया :-

“ वाट पळैतां, दुखां गळैतां, दोळे गेले सुजून !
आतां येत, मागीर येत
म्हणून बसून काडली रात
दिवलेंतली पांचवि वात - गेली पळै जळून !
फांल्या-पारा बेगिन अुठुन
मोगरेचे कळे खुटुन
सोबीत हार काडलो गुंथुन - गेलो पळै सुकून !
वाऱ्यान दिसता वाजलें दार
म्हणून गेलें घेवन हार
पारव्यांचें जोडें मुखार - जीव गेलो सुकून !
आतां धीर धरूं नजो
अेक ध्यास्त लागलो तुजो
सांबाळ ! तोल सुटलो म्हजो - धर आतां जिखून ! ”

बयाभाव (का. श्री. नायक)

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

शणै गोंयबाबांचें भुरग्यां खातीर हें कवीत नियाळात :-

" गोड म्हजें गोंय, सुन्दर म्हजें गोंय !
पुर्विल्ले नामनेचें, चड मोटचा भाग्याचें
उंच माथें कोंकणाचें, हें म्हजें गोंय,
निजाचे अपुर्बायेचें, अिंद्र नीळ मळबाचें,
हें म्हजें गोंय.
पथीक उदका-वाऱ्याचें, चकच्याळ पिकावळींचें,
सोबीत फुला-फळांचें, शिटूक सावदां-सवण्यांचें,
उजळ संस्कृतायेचें, खरेल्या कुळवंतांचें,
उदार मनाच्या लोकांचें, पाटांगडचा विद्वानांचें,
बळीश्ट झुजप्यांचें, बुदवंत राजकर्ण्यांचें,
हें म्हजें गोंय.
धर्तरेवयलो सर्ग - हें म्हजें गोंय.
सासणाचें सुखदिणें - हें म्हजें गोंय. "

तांच्या 'आबे फारीय', हे जीणेंतल्यान काडिल्लो हो उतारो पळेयात :-

" पुर्तुगाला आसताना, तागेले जीणे संबंधाच्यो जायत्यो खबरी गोंयां पावल्यो. तांतूतली अेक जाल्यार कौतुकाची दिसता. लिज्बोवच्या राजम्हालाच्या कपेलांत ताचें पैलें वैलें उलौवप जावचें आसलें. तें आयकूंक पुर्तुगालचे म्हाल-मुखेल पंडित मोटे अथ्रेकणेन थैं जमिल्ले. परंत धा-जाणांचे सभेंत अुलोंवचो प्रसंग फारियाक त्या आदीं केन्नाच येत्रंक नासलो. तांतूंतूय दिवाणांतल्या फिर्गी-फिदालगां सामखार अुलौप करचें काम चड कठीन. फारीय अुलौंक अुबो रावलो तेन्ना काचाबूल जावन, ताच्या तोंडांतल्यान अुतर सुटना जालें. ताचो बापूय थैं लागसारूच आडोसाक आसलो. तो मोटो धिरिष्ट, सटकरून युक्त सुचता तसलो आनी कसोय वेळ आयल्यार वाडगना जाल्लो आसलो. ताणें ल्हवूच पुताक आयकूंक ये-शे कोंकणी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

भाशेंत म्हळें, 'कातर रे भाजी.' हुशार फारीय तितल्यान शिटकवलो. बापायच्या उतरांनी ताका धीर चडलो. आपले सामखार बशिल्ले लोक रूपान गोरे-धवे आनी वळकांडयां मिश्याचे आसले जाल्यारूय, कवडां धांकिल्ले तायखिळयाचे बावके भाज्ये भाशेन साप बाबत कुळां आसत म्हणपाचें ताच्या ध्यानांत आयलें आनी तो मोटचा फुरफुऱ्यान अुलौंक लागलो. तागेल्या अुलौपान आयकतल्यांक अितली खोस जाल्ली कि ताचो लोकीक पुर्तुगाल भर घणघणलो...''

फुडें ताच्याच बरोवपाचो दुसरो नमुनो 'गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक' हांतूंतलो पळेयात :-

"... गौतम बुद्ध जेन्ना सुनापरांतकांत आयलो तेन्ना ताचेकडेन मागणी करून पूर्णान ताका सुप्पारक शारांत व्हेलो अशें सद्धर्मरत्नकारे, ह्या सिंहली पुस्तकांत म्हळां; हाचेवैल्यान पुर्णाकि सुप्पारक शाराची जायती ओड आसली तशें दिसता. सुप्पारकाची ताका इतली ओड आनी माया लागचें कारण, तें शार त्या काळांत पश्चिम हिंदुस्तानाचे देगेर वेपार उद्योगाची सगळयांत मोटी पेठ आसून बौद्ध धर्म घेंवचे आदीं, पूर्ण थंय समुद्रान आनी पांयवाटेन वेपार करतालो हें जांवये. सुपारेंच्या वेपाऱ्यांभितर तो ताण आसून तांचेर ताचें वजन मोटें आसलें म्हणपाचो पुरावो ताणे थैंच्या वेपाऱ्यांक बुद्धाकडसून उपदेस करूंक लायलो हांचे वैल्यान मेळटा. ताणें सुपाऱ्यां जायतो नांव-लोकिक जोडिल्लो आनी त्या शाराच्या हिताक तो वावुरतालो; देखून नेपाळी-तिबेटी बरप्यांनी ताका सुपारेंकार कसो लेखल्यार नवल ना. परंत मुदलचो तो सुनापरान्तांतलो म्हणचे दक्षिण कोंकणांतलो वा गोंयचो हांतूंत निखालूस दुभाव ना म्हणपाचें हांवें केल्ली फोडणिशी आनी दिल्ले पुरावे हांचे वैल्यान कोणायची खात्री जांवक जाय. पूर्ण गोंयकार, सुपाऱ्यां सारके परके सुवातेर वचून थैं ताणें वेपार-उद्योगांत मोटें नांव जोडलें, तो एक मुखेल

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
म्हाजन जालो, आनी आपल्या वजनान ताणें थंच्या लोकांत बौद्ध धर्म पातळायलो ही गोंयकारांक मोटचा अभिमानाची आनी तोखणायेची गजाल म्हणूंक जाय. बौद्ध धर्मांत पूर्णान मोटो लोकिक जोडिल्लो म्हणपाचो पुरावो मेळटा. गौतम बुद्धाचे जे अपुर्बायेचे पाच-सात शिष्य आसले तांतूंत पूर्णाकूय लेखताले अशें दिसता. खासा बुद्धान पूर्णाक एकेकडेन आपलो भाव म्हळा . . . ''

ही आसा बाकी बोरकारांली अेक कविता :-

" निळें निळें सवणें एक
सकाळच्या गो पारा !
भांगराचीं घुंगरां बांदून
आयलें म्हज्या दारा ।।१।।
सवणे गायत आयलें तशें
झाडां पेडां लागलें पिशें ।
कोमऱ्यो आंकऱ्यो फुटून म्हजें
पोरसूं आयलें चंवरा ।।
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा ।।२।।
म्होंवान भुल्लें फुलां-गेलें
हरयाळेक फुटले दोळे ।
अकस्मात अमृताचें
गीत सुचलें भोंवरा ।।
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा ।।३।।
सवणें जिवा भिडून गेलें
हांवूय जालें गाड निळें ।
दिष्टाव्यान भेटलें हांव
म्हज्या राजकुंवरा ।।
निळें निळें सवणें एक
आयलें म्हज्या दारा ।।४।। "

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

'कोंकणी भाशेचें जैत' (१९३०) ह्या शणै गोंयबाबांच्या म्हत्वाच्या पुस्तकांतल्या ह्या उतरांचेर नियाळ करूंया :-

"जो कोण संवसार-कुटुंबी जावन फुक्याचें उदारपण दाखौंक वेता ताका संवसाराचो संवसार चलोंवक येना तें अेक जालेंच; परंत खासा आपले घरचोय संवसार होगडावता हें रघुनाथबाबानी ध्यानांत दवरचें. संवसार आनीं हांव अेकूच हो वेदांत सांगूंक सोंपो, उलौंक बरो आनी आयकूंक गोड; परंत ऐन त्या वेळार 'तूं तो तूं ; हांव तो हांव' होच अणभव येता; आनी ह्याच न्यायान गोंयकारांनी मराठी भाशेक आज कितलीय जरी आवय म्हळी तरी अखेरेक तांचे खरे आवैचोच जयजयकार जावन, लटके आनी अडेचे आवैक गोंयसून अेक दीस सासणाची मांद्री कवळची पट्टली हांतूंत निखालुस दुभाव ना. 'उदकाकूय रगत दाट' ह्या अर्थाची इंग्रजी म्हणणी आमचे आवै भाशे संबंधान खरी जातली.'

'दोन आनी दोन'(१९६०), ह्या किसन कामत, ह्या नाटककारांच्या अेकांकिकेंतलो संवाद कसो रंगता तो पळेंवया : ('ही स्रापाची सृष्टी')

आशा : सरळच उलैतां हांव ! वांकडें उलौपाची संवय नास्ता आमकां बायलांक ! निदान आपलोसो ज्याका म्हळो, आपलोसो केलो ताजे कडेन तर नाच ना ! प्राण गेलो तरी ताका आमीं अंतर दिवचीं नात ! पुणून तुमीं, तूं –

डॉक्टर : कोण हांवं ? जिबेक हाड ना म्हुणुन कितेंय बेजबाबदारपणान उलौ नाका ! कोणा मुखार आनी कितें उलैता हाजी सारकी बरी जाणीव आसुनी !

आशा : कितें आनी कोणामुखार उलैतां हाजी पूर्ण जाणीव आसा म्हाका आनी जाणीव आसा म्हुणुनच मनमोकळेपणान

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

उलौपाची प्रयत्न करतां. भितल्लो, अंतःकरणांतलो दाह आनी देहाची दुर्बलता हांच्या पाशांक लागून तुमचे सारकी बेदरकारपणान वागूंक, उलौंक येंना म्हाका.

डॉक्टर : दादले मनशांकय काळीज आसता हें विसरूं नाका तूं ! काळजाचो, दयेचो संबंध वारसो देवान कितें तुमचे बायलांकडेनच दिवंक ना.

आशा : वारसो दिल्लो नासत, पुणुन जें कितें दिलां ताणेंच आमी तुमचीं गुलाम जांवंक पावलीं. आमी कितलींय उंच सरतलीं म्हळीं, स्वतंत्र जातलीं म्हळीं, आपल्या पांयांर उबीं रावतलीं म्हळीं तरी आमकां तें शक्य ना. दर्याची अफाट देग अफाट आसुनय जशी खाता ल्हारांचो मार तसोच आमकां मेळटा मार उठ्ठां बसतां दुःखांचो.

डॉक्टर : अितली निर्दय, निदान तुका दिस्ता तितली तरी निर्दय जात नक्कीच न्है दादल्यांची. निदान हांव तरी !

आशा : वाळवंटांतलो खैंचो रेवेंचो एकलो एकसुरो कण. दिस रात मार खाता वता पावसाचो तरीय म्हणटा आपल्याक रेंवेंचोच कण ! मनीस हेवटेन तेवटेन जात अेकच. स्वार्थी ! (पैशे काट्टा) हे घे तीनशीं रूपया ! आतां तरी करशी म्हजें काम, म्हज्या मनासारखें ?

डॉक्टर : पैशे, हं ! पैशांक हांवें म्हजो निर्धार विकूंना आनी हांव विकूंकय शकना ! डॉक्टरकीची डिग्री घेतां आस्तना आमकां शपथ घेंवची पट्टा की समाजाक घातक अशें कर्तुप हांव केन्नाच करचो ना. म्हाका म्हज्या वचनाक जागूं जाय.

आशा : म्हज्या सारख्या एका धडधाकट बायलेचो दोळ्यां सामकार धडधडीत सत्यानाश जाता तो दोळ्यांनीं पळेता आस्तनाय ?

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

डॉक्टर : बेलाशक, पैशांक आमी आमची कला, आमचें हृदय विकूं शकनांत ! तुका कितें दिसलें ! तुगेल्या तिनशें रूपयांक हांव भुलतलों म्हणून ? जी गजाल मनीसधर्माक लागून हांवें केन्नाच केली ना ती आतां तुगेले अधर्माचे तिनशें रूपये मेळटात म्हुणून हांव कोरूं ? बेमानाची जात निराळी आस्ता ! हांव तातूंतलो न्हैं !

आशा : केदी ऐट, केदो अभिमान, केदो अहंकार ! खून केलो तरी रोगान मेलो म्हुणुन सांगपाची ज्यांची तयारी ताणी इमा-नाच्यो खबरी सांगप ! केदो अधःपात हो मनीस जातीचो !

डॉक्टर : कोणाविषीं उलैता तूं हें ?

आशा : तुज्याच विषीं उलैतां हांव हें ! मानभौमानाच्यो मर्यादा म्हाका उबौं लावपी, एक निर्दय मनीस आज म्हज्या मुखार एक प्रतिष्टित डॉक्टर म्हुणुंन बसला ! याद आसा ? ..."

१४. कोंकणी-मराठी वाद

कोंकणी सरस्पतिची अशी अखंड व्हांवती झर दोळयांत भर-सारकी सगळयांक दिसता आसतनाय, भाशे-विज्ञानाच्या मळार फुकट दिसतली पुण उजवाड घालपी भासाभास चलताली. तो वाद आशि-ल्लो कोंकणी, ही स्वतंत्र भास वो कितें ती मराठीची बोली, हाचेर. शैणै गोंयबाबांनी हें आव्हान उबेंन स्विकारिल्लें आनी आपल्या मराठी विरोध्यांक सणसणीत जाप दिवन आपणाले मुद्दे ताणी दोन पुस्तकांनी स्पश्ट रींतीन मांडिल्लें. तीं पुस्तकां म्हळयार 'कोंकणी भाशेचें जैत' (१९३०) आनी 'कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ' (१९३२). तांतूंत फोडणिशी आनी विस्कणी केल्या ताचेआड तांच्या विरोध्यांक जाप दिवंक जमलें ना.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुण हो वाद जाणी पयलो उठयलो तांकां बाबड्यांक कोंकणीचें व्हडलें-शें गिन्यान नाशिल्लें. हें आपलें अज्ञान खाश्या तेच आपल्या बरोवपांत तोंड फोडून मानून घेतात. अशें आसतनाय आनी जेन्ना त्याच जाणकारांनी अेके कडेन बरोवन दवल्लां कि केरळाचे भोंवडेर आसतना आपणें कोंकणी सरस्पतीचे ग्रंथ पळेल्यात, ताणीच अशें विधान केलें कि ल्हान प्रदेसाची भास जाल्ल्यान कोंकणी ही मराठीची बोली जांवंक जाय, हें येवजून अजाप दिसता. ह्या तांच्या विधाना वेल्यान हो कोंकणी-मराठी वाद निर्माण जालो. ते जाणकार म्हळचार अिंग्लेज ग्रहस्थ जोन लीडन नांवाचे (१७७५-१८११) पर्जळीत अशे गिन्यानी पुण वयले-वयले वृत्तीचे. ताणी आपलें कोंकणी विशींचे अज्ञान कबुल केल्लें आसतानाय, कोंकणीच्या मराठी दुस्मानांनी तांच्या त्या विधानाचो फायदो घेवन कोंकणी, ही मराठीची बोली म्हणपाचो आग्रो धरून, तिचेर जबरदस्त आगळीक केली.

पुण जितले लीडन वयल्या-वैले आसले तितले तें व्हड बॅपटीस्ट मिशनरी विल्यम कॅरीय खोल अभ्यासू मतीचे आशिल्ले. विल्यम कॅरीय (१७६१-१८३४), हे अिंग्लेज आशिल्ल्यान, त्या देसाच्या ताब्यांत आशिल्ल्या बंगालांत १७९३-आंत पाविल्ले. पुण त्या काळार ब्रिटीश लोक आनी सरकार ह्या वावरा बद्दल व्हडली-शी आस्था दाखयना जाल्ल्यान, ते थंयचे काडून १७९९-आंत कलकत्ता लागसारच्या डॅनीश वसणुकेंत, सेरांपोरांत (श्रीरामपूर) गेले, जंय ताणीं छापखानो बसयलो आनी बायबल भारतीय भासांनी अणकारपाचें काम हातांत घेतलें. तेन्ना तांचें काम ब्रिटीशांचे नदरेक पाविल्ल्यान, तांकां कलकत्ता फोर्ट विल्यमांत उदेंतीच्या भासांचे प्रोफेसर नेमले.

कॅरीय कितल्योश्योच भारतीय भासो जाणा आशिल्ले, तांतले तांतूंत कोंकणी, कन्नड आनी मराठी. दोगां कोंकणी पंडितांचो आदार घेवन ताणी अिकरां वर्सांतलो चड-सो काळ हें बायबलाचें

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कोंकणी भाशांतर करपाक घालो आनी आदीं उल्लेखिल्लें 'धर्मालें पुस्तक' कोंकणी गद्यांत उजवाडायलें. ताणी थंय कोंकणी, अेक स्वतंत्र भास म्हणून स्पश्ट सांगलां. त्या वेळच्या कांय लोकांनी मुंबयच्यान खंय सेरांपोरांतल्या मिशनरींक निरोप धाडलो कि त्या पुस्तकांतली भास मुंबय आनी गोंयची अशी न्हय. तांकां जाप म्हणून सेरांपोर-कारांनी सांगलें कि ते कोंकणी भाशेची मोड कर्नाटकांतल्या कोंक-ण्यांची आनी तो ग्रंथ थंयच्या दोगां पंडितांच्या देखरेखी खाल बरयला.

पुण, अशें आसतनाय, लीडनांनी जें अेका हात-बरोवपांत कोंकणी विशीं आपलें मत मांडिल्ले तें प्रसारांत गेल्लें आनी सुरवातेक जोन विलसन, ह्या दुसऱ्या उपरांत आयिल्ल्या, ब्रिटीश मिशनरींच्या तें कानार पडलें आनी ताणी तें मुदलाक मानून घेतलें. जोन विलसन (१८०४-१८७५) मराठी शिकिल्ले, गुजरातीचेर ताणी प्रभूत्व मेळयल्लें आनी अेकदां गोंयचे उत्तरेकडेन तेरेखोल गांवांत भेट दिवन थंय उलयल्ली मराठी-सारकी कोंकणी तेळून आयकून आनी थंयचे क्रिस्तांव थोमस स्टीफन्सचें मराठी-कोंकणी 'क्रिस्त पुराण' वाचताले तें आयकून घेवून, कोंकणी ही मराठीची बोली आसूंये, अशें मत धरून ते गेल्ले. पुण उपरांत अभ्यास केल्ल्यान तांकां कळून आयलें कि कोंकणी, जिका ते मागीर स्वतंत्र भास म्हणून पाचारतात, ती सरस्पत आशिल्ली भास आनी हें मत ते १८५७-आंत बरयल्ल्या मराठी शब्दकोशा (मोल्सवर्थ आनी कँन्डी) खातीर दिल्ले प्रस्ता-वनेंत स्पश्ट करतात. तांच्या उपरांत हेंच मत ते चड विस्तारान आपल्या 'Tribes & Languages of the Bombay Presidency' -Indian Antiquary- Vop. 3-p.225 Bombay Administration Report for 187273 - हांतूंन मांडटात.

विलसनांच्या काळा वेल्यां जाणकार, भोंवडेकारां मदीं तर कोंकणी विशीं गोंदळ निर्माण जाल्लो. पयले वयले अभ्यासक जे कर्नाटकांतले कोंकणी कडेन आयले ते फ्रांसिस हॅमिल्टन बकनान

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
(१७६२-१८२९) जे ते सुवातेचे भाशेक कोंकणी म्हणटात. ते तिका उलयल्ली भास वो बोली म्हणटात जशी त्याच उतरांनी ते तमिळ भाशेक संबोधतात. फ्रांसिस व्हयट अेलिस (१८१९-आंत भायर पडले), मद्रासचे कलेक्टर, जाणी तामिळ ग्रंथ 'तीरू कुरल' अिंग्ले-जींत भाशांतरायल्लो, हाणी कोंकणीचो उल्लेख, ती अेक स्वतंत्र भास म्हणून केला, जशी आनी अेकान, क्रिस्टीयन लास्सेन (१८००-१८७६), ह्या जर्मन जाणकारांनी सांगणी केली.

वॉल्टर अीलयट (१८०३-१८८७), ह्या जाणकारांनी आपणें सर्वेक्षण केल्ल्या भारतीय भासां विशीं मतां पर्गटायतना स्पश्टीकरण केलें कि सदाशिवगडच्या उत्तरेच्या भागांत कोंकणी उलयतात आनी थंयच्यान दोंगराळभाग वयर चड्टाथंय मराठी उलयतात. ह्या जाणका-रांक जोन लीडनांच्या मताचें कांयच पडूंक नाशिल्लें. पुण उपरांत मराठीचीं वक्लां घालून कांय जाण कोंकणी भागांत देंवले आनी नवीं मतां उडोंवक लागले. तांतले अेक म्हळचार अिंग्लेज भ.वडेकार-बरोवपी, रिच्चर्ड बर्टन (१८२१-१८९०). ताणी वयल्या वयर कोंकणी विशीं 'मराठीची बोली,' 'भ्रष्ट मराठी,' 'कोंकणी-मराठी' अशें कितें-शें तरी म्हणून दवल्लां, आनी तांच्या बरोवपां-तल्यान अशें दिसता कि ताणी आपलीं मतां हेरां कडल्यान आयक-ल्लीं उश्णीं घेतल्यांत.

मराठी वटेन मतां दिवप्यां मदीं अर्सकीन पेरी (१८०६-१८८२) आनी रोबेर्ट झेवयेर मर्फी (१८०३-१८५७), दुसरे मंब-यच्या उंच न्यायलयाचे मुखेल दुभाशीं. १८५३-आंत उजवाडायल्ल्या अेका ग्रंथांत ते (पेरी) कोंकणीच्या स्वतंत्रपणाचो विचार करतात, आनी मर्फीचो आदार घेंवन तांतूंत अशें मत मांडटात कि तपास केल्या उपरांत अशें दिसून येता कि कोंकणी आनी मराठीचीं व्याक-रणां अेकामेका सारकीं पुण तरी बारीकसाणींनीं तीं वेगळीं दिस-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

तात. कोंकणीचें कांय सबावगूण, जसो उक्तो स्वर 'ओ' पुरूशलिंग दाखोवपाक (मराठींत तो 'आ' जाता), गुजराती आनी मारवाडीं सारको, हें तिचें वेगळेपण म्हणून ते सांगतात. उपरांत मर्फींचो पत्तो लागलो ना.

तरीय अेर्सकीन पेरींचें समाधान जालें ना, कित्याक कोंकणांत वावुरतल्या बॅझल मिशनरींनी, हे. मोग्लिगांनी तांका कळयल्लें कि मंगळुरकार कोंकणी बामणांनी तांकां सांगिल्लें कि आपली भास मराठी परस वेगळी जरीय तिचे लागशिल्ली आनी तिचें वेगळें आपलें खाशेलें अशें व्याकरण आसा. पेरींचो ग्रंथ उजवाडाक आयल्या उपरांत, दोग राजकी देखरेखपी सावंतवाडीक भेट दिवन आयले आनी ताणी खबर दिली कि थंय कुडाळी म्हणपाची मराठीची बोली उलयतात पुण ती ल्हवू ल्हवू शूद्ध मराठीकडेन येवून ती निमाणेकडेन हार खावन शेणटली. पुण जरी शंबर वर्सां वयरूच हे खबरे उपरांत बळांडून गेलीं तरी थंयचे कुडाळी मोडींचे कोंकणीन आपलो हक्काचो जागो अजून सोडलो ना, जरी मराठीचें गिन्यान सगळचा थंयच्या गांवां गांवांनी पसरत आसा.

उपरांत आयिल्ल्या जॉन बीम्सांनी असोच गोंदळ केलो. अेके कडेन ते कोंकणीक मराठीची बोली म्हणटात आनी कांय गुणांनी ती वेगळी आनी बंगालीक म्हत्वाच्या गजालींनी लागीं आशिल्ली म्हणून सांगतात. पुण जर बीम्स हे बाबतींत अज्ञानी आशिल्ले, तर संस्क्रुत पंडित जाल्ले आर्थर कोक बर्नेल (१८४०-१८८२) जे १८६०-आंत भारतांत आयिल्ले, हाणी कोंकणीचो खोल अभ्यास केलो आनी ही भास मराठीची जरी भयण-भास आसली तरी वेगळी भास जावन आसा म्हणपाचें पटोवन दिवपाक भोव सोपें, अशें ताणी सांगलें, आनी फुडें नोंदलें कि तांतूत पुर्तुगेजां काळा पसून तयार जाल्लें विपूल साहित्य आसा. पुण ह्या क्षेत्रांत फुडें काम

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

करपाक तांचीं भलायकी बरी नाशिल्ल्यान ते अिंग्लंडाक परतले आनी ४२ वर्सांचे तरणे पिरायेर १८८२ आंत थंय अंतरले.

कोंकणी, ही अेक स्वतंत्र भास म्हणपाचें मत विल्सनांच्या विद्यार्थ्यांनी, जोन मर्रेय मितचेल (१८१५-१९०४) (जे १८३८-आंत भारतांत आयल्ले), हाणी मांडलें. हांचे आड रोबर्ट नीडहॅम कस्ट (१८२२-१९०९), हाणी आपणाचें मत मांडलें कि कोंकणी मराठीची बोली जरी दिसली तरी दक्षिणे वटेन पावतना, चड करून गोंयचे शीमेचेर, ही मराठीची बोली सामकी वेगळी सरता. हाचें कारण ताणी सांगलें ना. ह्याच वर्सा, १८७८-आंत जर्मन जाणकार रूदोल्फ गोयरनल, हाणी बीम्सांच्या मत्ताक आपलो तेंको दिलो आनी मराठीच्यो दोन बोलयो आसात, अेक कोंकणी आनी दुसरी दखनी अशें ते म्हणून गेले.

हो गोंदळ जातालो कित्याक ‘ कोंकणी ’ ही भास दों तरांनी मानताले. जेन्ना ती मराठीची बोली म्हणटाले तेन्ना महाराष्टांतल्या रत्नागिरी-मालवणांत उलयल्ली मराठीचो प्रभाव पडिल्ली कोंकणी मोड तांच्या दोळयां मुखार आसताली. जे कोंकणीक स्वतंत्र भास म्हणटाले तांकां गोंयचे शिमेवयले, खासा गोंयचे आनी कर्नाटकांत उलयल्ले खरेले कोंकणी भाशे विशीं गिन्यान आसतालें. अश्या अभ्यास केल्ल्या आनी करिनाशिल्ल्या जाणकार आनी बिबटयांनीं ह्या वादाच्या आगटयांत उडी माल्ली.

गोंयांत तर हो गोंदळ जाय नजो आशिल्लों. हांगा उलयल्ली भास, भितल्ल्यो मोडी आनी खाशेले उच्चार सोडले जाल्यार, प्रमाण आनी अस्सल कोंकणी आसली. तरी कोण अेकलो भायर सावन आयिल्ल्या भोंवडेकारान, कोतीनौ द क्लोगन, हाणी आपल्या गोंय-चेर बरयल्ल्या अितिहास-पटीयेंत म्हळें कि गोंयकार अेक बोली

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

उलयतात जांतूंत कोंकणी, पुर्तुगेज आनी मराठी मिश्ररीत जाल्ली आसा. ह्या फट्टाशीक फिलीप नेरी शावयेंर (१८०१-१८५२) बळी पडले. ते हरशीं अभ्यासू जाणकार पुण भाशेच्या गजालींनी अज्ञानी. पुण फिलीप नेरी पिरीश नांवाची व्यक्ती मुंबयच्या उंच न्यायलयांत वावुरपी, मराठी वटेन उलोंवक लागले आनी दोनूय भासो अेकाच सांच्यांत बसतात म्हणून सांगूंक लागले.

गोंयांत ह्या काळार, पुर्तुगालच्या अेवोरा शारांत शिकयल्ले प्राध्यापक आनी थैंच्या भौशीक ग्रंथालयाचे मुखेली ग्रंथपाल म्हणून काम केल्ले, गोंय सरकाराचे मुखेल चिटणीस म्हणून आयले. ज्योकीं अेलियोदोर दा कून्हा रिवारा (१८००-१८७९) गोंया १८५५-वर्सा जेन्ना पावले तेन्ना ताणी खूब कीर्त मेळयल्ली आसली. हांगा कोंकणीची दुर्दशा पळेंवन तांकां धक्को बसलो आनी ती सुधारपाक कितें तरी आपणे करचें म्हणून ताणी कडक संकल्प केलो. हांगासर हे बाबतींत मिगेल विसेंत द आब्रेव (१८२७-१८८४) कोंकणी विशीं वावर करतालें. हांचें मत जाल्लें कि कोंकणी बोली न्हय पुण मराठींतल्यान उपजल्ली स्वतंत्र भास, जशी पुर्तुगेंज स्पेनिश भाशेंतल्यान आयिल्ल्यानूय, त्यो दोनूय वेगळचो भासो आसल्यो. दुसरे गोंयकार कुन्हा रिवारां लागीं कोंकणी संबंदान वावुरपी म्हळचार ते मागीर फामाद जाल्ले अर्थशास्त्री, खासदार, बरोवपी, डॉ. फ्रांसीश्क लुयीज गोमिश (१८२९-१८६९), जाणी साश्टी मोडीच्यो अेका कोंकणी व्याकरणाच्यो टिपो बरोवन काडिल्ल्यो.

१८५८ वर्सा कुन्हा रिवारांनी आपलो म्हत्वाचो आनी नामनेचो ग्रंथ ' अेंसायु हिस्तोरिकु दा लींगुआ कोंकानी ' (कोंकणीभाशेच्या अितिहासाचेर निबंद) उजवाडायलो आनी त्याच वर्सा स्टीफन्सचें कोंकणी व्याकरण परत छापून हाडलें. ह्या ग्रंथांत आपणाक मेळिल्ले कोंकणी सरस्पतीची ताणी पुस्तकां वळेरी दिल्ली आनी भाशे विशीं विवेचन करून ती स्वतंत्र भास आसून तिची उदरगत करून परतीं

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
तिका मानाच्या पाटार बसोंवची म्हणपाची कळकळीत उतरांनी गोंयच्या तरनाटयांक उलो माल्लो. त्या गरजेच्या भागाचो कोंकणी अणकार (पुर्तुगेजितल्यान) हांगा दितां :–

" फाटल्यो चुकी सुधारपाचो वेळ आयलो. आवय-भाशेक परती मानाच्या पाटार बसोवपाचो वगत पावलो. तुमकां, गोंयच्या तरनाटयांनो, हो म्हान वावर राखून दवल्ला. कोंकणीक तुमीं वेवस्तीत रीतीन केळयल्यार, तुमकां मराठीय संवकळीची जातली; हेरां आशियायी आनी अेवरोपी आर्विल्ल्या आनी पुर्विल्ल्या भासांचें तुमकां गिन्यान मेळटलें आनी तांतल्यान कितल्याश्याच लिपून उरिल्ल्या संवसाराच्या भाडारांचीं तुमकां दांरा उगतीं जावन, जीं कोण उगडटलो म्हळच्यार नाशिल्ल्यान बंद उरिल्लीं, सगळी आदावाची म्हायती तुमकां मेळून येतली; तुमच्या देसभावांचें समाजीक आनी बुद्धीक पुनरूत्थान जातलें..."

ह्या वेळाच्या सुमाराक कून्हा रिवारांनी मुळाव्या साळांनी कोंकणी शिकोवपाचे नदरेन आपली मार्गदर्शीका काडली. ही मागीर तेन्नाचे राजपाल, विश्कोंद द तोर्रिश नोवश-हाणी आपल्या १८५९-आंतल्या २५ ओतुब्रांत काडिल्ल्या फमर्णांत आस्पाविल्ली. जाचे उदेशीं गोंयचें मुळावें शिक्षण कोंकणींतल्यान दिवचें म्हणून मान्यताय दिल्ली. तांतले पयले चार मुद्दे अशे आसले :

१. जर शिकपाची रीत, म्हळचार जाणा जाल्ल्या गजाली वेल्यान नकळ आशिल्ले गजालीं कडेन वचपाची, परकी भास शिकपाचो अेकूच उपाय म्हळचार आपले आवय-भाशेकडेन तिची सर करून घेवपाचो.

२. पुण ही तूलना तर्का प्रमाणे जावची देखून, आनी तांतल्यान जाय तसो परिणाम मेळचो जाल्यार, आवय-भास, जी सर

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

करपाची मुदलाची गजाल जावन आसा, ती आमीं फावो तितल्या प्रमाणान जाणा जावप चड गरजेचें आसा.

३. देखून, जांची आवय-भास कोंकणी जावन आसा, ताणी तिका तिरस्करान पळेवपाची आपली आदली चूक येन्नादर सुधारची आनी तिचो अभ्यास करपाचें काम परतून व्हडले आस्थेन आनी सहानुभुतीन हातांत घेंवचें आनी ती केळोवपाचे प्रयत्न करचे. हेंच योग्य आसा.

४. ह्या अभ्यासाचे आनी भास केळोवपाचे दिशेन पयलें पावल म्हळचार साळांनीं कोंकणी व्याकरण शिकोवपाचें काम सुरू करूंक जाय. " . . .

पुण हो ताणी मांडिल्लो सुटसुटीत तर्क शिकोवप्यांनी काना-मनार घेतलो ना. १८६८-आंत ताणी मंगळुरांत आशिल्ल्या पेसशेत्तींचो सुन्दर-बरो शब्दकोश उजवाडायलो. राजपाल बदलून गेल्ल्यान नव्या राजपालांन तांकां अितिहास दप्तरांत म्हत्वाचें काम म्हणून करपाक धाडून दिले. तेन्ना कून्या रिवारा सामके निर्शेले. तांच्या दुर्दैवान कोंकणीक १८६९-आंत काडिल्ल्या सरकारी हुकुमान साळां-तली सामकी भायर घाली आनी हें क्रूर करतुप गोंयच्या तेन्नाच्या राजपाल, पेश्ताना, हाणी केल्लें, जाणी उपरांत पोन्नें गोंय काबार करून उडयल्लें. कून्या रिवारांनी तिडकीन संतापून आपली नोकरी सोडून दिली पुण १८७७ मेरेन ते गोंयांत रावले. मागीर पुर्तुगालाक पर्थून १८७९-आंत थंय ते भायर पडले.

१८७५-आंत जरी कून्या रिवारा अजून गोंयांत आशिल्ले, तांचे हाता खाला काम केल्ले सुर्याजी आनंद राव (१८२८-१८८८) गोंयच्या पुर्तुगेज सरकाराचे मराठो दुभाशी कोंकणीचेर घुरी घालूंक उठले. कोंकणी आपली आवय-भास म्हणून मान्य करूनूय ती मराठीचें अशूद्ध रुप अशें ते म्हणूक पावले आनी कोंकणी आनी मराठी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

उलोवपी अेकामेकाची भास समजतात म्हणपाचें ताणी दुबावाचें अशें विधान केलें, जें जेर्सन दा कून्हा आनी मोन्सिन्योर दालगादानी कितलें लटकें आसा तें उपरांत सिद्ध करून दाखयलां.

डॉ. जेर्सन दा कून्हांनी मुंबयच्यान १८८१-आंत उजवाडायल्ल्या आपल्या 'The Konkani Language & Literature', हांतूंत आपणाले मुद्दे वेवस्तीत रीतीन मांडून कोंकणी ही मराठी पसून कितली वेगळी आनी स्वतंत्र आसा आनी तिचें नातें संस्कृताकडेन कितलें लागशिल्लें आनी मराठी परस कितलें पैशिल्लें आसा तें फोडून, विस्कून सांगलें आनी कोंकणींत कितलीशींच आपलीं 'देशज' उतरां आसात जीं मराठींत आनी संस्कृतांतूय नांत, हेंय सिद्ध करून दाखयलें.

ह्या वादाचो उजो केन्नाच पालोंवक दिलो ना. डॉ. रामकृष्ण गोपाल भांडारकार (१८३७-१९२६), हाणी मराठीच्या बोलयां भितर कोंकणीकूय मेजली पुण जेन्ना ताणी गोंयचे कोंकणीच्यो देखी दिवपाचो प्रयत्न केलो तेन्ना हें विशींचें तांचें अज्ञान उगत्यार दिसलें. हाका लागून तांकां शणै गोंयबाबांनी सामके फरफरीत उजरायल्यात. पुण कांय लोका मदीं हे दुबाव पसरत गेले. तांतले अेक म्हळचार अिटालयन जेझुयीत पाद्री. आंजेलु फ्रांसेस्कु सावेरियु माफेय (१८४४-१८९९), जाणी कून्हा रिवारांच्या पुस्तका उपरांत आपणें तयार केल्लें 'कोंकणी व्याकरण' मंगळूरांत उजवाडायल्लें. तांतूंत ताणी कांय अशीं विधानां केल्लीं कि कोंकणी मराठीकडल्यान आयिल्ली, पुण कोंकणी मराठीचें भ्रश्ट रूप न्हय आनी ती मराठीची बोली तर निखालुस न्हय. १८८४-आंत मराठीचो व्याकरणकार, रामचंद्र भिकाजी गुंजीकार (१८४३-१९०२), मुळचे गोंयकार, हाणी अेक मत मांडलें कि कोंकणी आनी मराठी, ह्यो दोनूय भासो सरस्वती बलभाशा ह्या तांचे कल्पनेंतल्या प्राकृतांतल्यान उपजल्यात. अशें आसून जरी त्यो स्वतंत्र भासो आसल्यो तरी कोंकणीची उदरगत जातली जाल्यार मराठी कडेन ती जोडून जांवक जाय. हें मत

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

अितलें खरायेन आनीं चिकाटेन मराठीवादी मांडटाले कि कांय कोंकण्यां मदींय तें पसरलें. तांतले अेक म्हळचार मंगळुरी जेरम अेंथनी सालडाना (१८६८-१९४७), जे आदारी सेशन्स जज म्हणून सावंतवाडयेंत वावुरताले. ताणी आपलें अशें मत फुडें काडलें कि कोंकणी आनी मराठी, ह्यो दोन जूंवळचो भयणी आनीं कोंकणी संस्कृत-प्राकृतांतल्यान उत्पन्न जाल्या, तांतली मराठी चड वाडल्या आनी कोंकणी वाडनास्तना ल्हानूच उरल्या.

"Linguistic Survey of India" ह्या अेकोणीस खंडांच्या म्हा-ग्रंथांत, डॉ. ज्योर्ज ग्रियरसनांनी (१८५१-१९४१) भारतांतल्या ३६४ भासां-बोलयांचें वर्णन आनी चिकित्साय केल्या. मराठीचें काम करपाक तांचे सहकारी नोर्वेजीयन जाणकार, स्टेन कनोव (१८६७-१९४८) आसले. ताणी म्हळां (१९०५) कि कोंकणी आनी मराठी, दोनूय भासो अेकाच प्राकृतांतल्यान उपजल्यात; कोंकणी त्या प्राकृतांतल्यान दोनांतली पयली स्वतंत्र जावन मेकळी सरली; कोंकणीचीं साबार स्वतंत्र आपली-शीं रूपां आसात; ह्या दोन भासांतलें, मराठीक साअित्य आसा जाल्यार कोंकणींत तें ना, देखून कोंकणी मराठीची बोली. कनोवांक कोंकणी साअित्याची खबर नाशिल्ल्यान वा ताणी तिची नोंद घेतिल्ली नासून, हें तांचें चुकीचें विधान उतरलां, जरी ते सगळेकडेन, कोंकणी, ही स्वतंत्र 'भास' म्हणून तिचो उल्लेख करतात. पुण तांच्या-निमाण्या विधानाक लागून ह्या वादाक परतो नेट फावो जालो.

हाच्या सुमाराक, जेन्ना कोंकणीचे स्वतंत्रतायेचेर बुन्याद-नाशिल्ली घुरी पडटाली, तिच्या गोंपांतले अेक कवी तिचे वटेन झुजूंक फुडें सरले. ते म्हळचार कवी फेर्नांदु लेयाल (१८४६-१९१०), जाणी १९०५-आंत कोंकणीचें पुनरूत्थान करपा खातीर व्हडली मोहीम सुरू केली. ताणी हो कोंकणी भाशेचो पुनर्जल्म सगळ्या

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कोंकणी लोकाच्या उदरगतीकडेन जोडून आसा म्हणपाचें सांगलें आनी ह्या वावराक सगळयांनी खांद मारचो म्हणून खतखतीत उल्लो माल्लो. ताणी पुर्तुगेजीचेय सरस्पतींत मोटो आपलोसो वांटो उबाल्लो. तांची स्फूर्त घेवन पुण्यांत आशिल्ल्या अेदुआर्द ब्रून द सौजांनी आपलें कोंकणीचें व्हड काम हातांत घेतिल्लें. पुण गोंयांत तांकां व्हडलोसो साद मेळ्ळो ना. तांचे वांगडा दुसरे अेक गोंयकार आसले, भोव लौकीक पत्रकार, शिकोवपी आनी पुर्तुगेज लोक-सभेंत खासदार भौ. क्रिस्तोव्हांव पींतु (१८५१-१९२६). कोंकणीचो पाखो ताणी वस्तुस्थितीचेर आदारून घेतलो. ताणी सांगलें कि जाणकारांच्या सोदा-वेल्यान अशें सिद्ध जाता कि कोंकणीचें रूप मराठी परस आदीं थीर जाल्लें; कि कोंकणी आनी मराठी, ह्यो अेकेच झरींतल्यान जरी आयिल्ल्यो भासो, तरी त्यो वेगळयो भासो जावन आसात, जश्यो पुर्तुगेज आनी स्पॅनिश वेगळयो आनी स्वतंत्र भासो जावन आसात.

तितलेच पोटतिडकेचे पुण भाशेसंबंदान चड अभ्यासू म्हळयार ते अस्कलीत गिन्यानी आयुर्वेदीक वैज, रामचंद्र पांडुरंग वैद्य (१८५९-१९४७), जांचें लौकीक नांव दादा वैद्य जावन आसलें. ते आपल्या मराठी नेमाळयार 'प्राची प्रभा' कोंकणी गद्य बरोवन छापताले, जसो ह्या आदीं उल्लेख आयला. ताणी कोंकणीची उत्पत्ती खंयच्यान जाली तें बारकायेन तपासून सांगलें कि तिचीं पाळां-मुळां संस्कृतांत पावतात; कोंकणी आनी संस्कृताचें रगत अेकूच; देखून कोंकणीचो जल्म ह्या स्रेश्ट कुळयेंत जाल्ल्यान तिका हेरां भासांनी अभिमानाची सुवात दिवूंक फावो. कोंकणीचो पाखो घेवन ताणी पयलेच फावट १९१६-आंत गोंयांत जाल्ले प्रांतीक सभेंत कोंकणींत उलयले. पुण तांचे आड शंबा सरदेसाय उलयले.

शंबा सरदेसाय (१८७९-१९६७), जाणी तेच सभेंत आपले

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

मुद्दे मांडिल्ले, ते कट्टर मराठीवादी आसले. ते मुद्दे अशे : कोंकणीं भायल्या राजकर्त्यांक आनी धर्माक लागून उदरगतीक पावली; कोंकणी फकत उलयल्ली भास, तिचेलागीं साअित्यीक कुवेत ना, देखून ही बोली मराठींत विलीन जाल्ली बरी; कोंकणी उलोवपी तिका उखलून धरीनांत.

पुण कोंकणीचे नीज पूत ह्या वेळार नेटान फुडें आयले. ते म्हळ्यार मोंसिन्योर सेबाश्तीयांव रोदोल्फ दालगाद (१८५५–१९२२), शणै गोंयबाब (१८७७-१९४६), रावसाहेब (वि. पि.) चव्हाण आनी सु. मं. कत्रे (१९०६ -) दालगादांनी पणजेच्या 'हेराल्द 'ाचेर १९१७ - आंत लेख बरोवन कोंकणीचे स्वतंत्रतायेचेर चिकित्सक नदरेन उतरावळ, ध्वनीकरण, वाक्य-बांदावळ, हांचेर विवेचन केलें आनी ती मराठी परस वेगळी भास म्हणपाचें सणसणीत सिद्ध करून दाखयलें.

ह्या सुमाराक अेक फ्रेंच येवदी (ज्यू.) जूल ब्लॉक (१८८०-१९५३), हाणी आपलें मराठी भाशेविशीं डॉक्टरेटी खातीर प्रबंद बरयल्लो. तो 'La formation de la langue marathe', ह्या माथाळ्या खाल १९२०-आंत उजवाडाक आयलो. ह्या ग्रथांत कोकणीचीय चिकित्साय विस्तारान केल्या आनी ती भास मराठी परस वेगळी आनी कांय सबावगुणांनी मूळावीं-खाशेलीं लक्षणां आशिल्ली भास म्हणून सिद्ध करून दाखयलां. ते अशेंय सांगतात कि कोंकणीत जीं मुळावीं लक्षणां आसात तीं मराठींत नांत आनी ही भास मराठी परस गुजरातीकडेन लागीं येता आनी तांचें आदल्या काळावेलें नातें ते दाखोवन दितात. ह्या विधानांक लागून मराठीवादाक अेक जबरदस्त धक्को बसलो,

हेच धरतीचेर डॉ. सु. मं. कत्रेन आपलें The Formation of Konkani' १९४२-आंत उजवाडायलें आनी वेवस्तीतपणीं कोंकणीचीं

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

सगळीं आंगां तपासून घेवन आनी हेरां भयण-भासांकडेन तिची सर करून, ती अेक स्वतंत्र भास, जी अेके वटेन मराठी कडेन लागीं येता, दुसरे कडेन गुजराती, बंगाली, सिंधी वटेन ओडटा आनी तिसरे कडेन हिन्दीच्या म्हऱ्यांत पावता, अशें घणघणीत रीतीन सांगून दिलें.

हाचेच भशेन पुण उण्या प्रमाणान वि. पि. चव्हाण हाणी १९२४-आंत आपल्या पुस्तकांत (ताणी अंथ्रोपोलोजिकल सोसायटी ऑफ बोम्बै, हिका उद्देशून हीं भाशणां केल्लीं) कोंकणीचो उगम आनी भाशेची बांदावळ स्पश्ट करून कांय म्हत्वाचे निष्कर्ष काडिल्ले. संस्कृत, प्राकृत, कोंकणी आनी मराठी उतरां अेकामेका मुखार मांडून ताणी दाखयल्लें कि कोंकणी संस्कृता कडेन कितली लागीं आसा; कोंकणी आनी गुजरातींत कितलीशींच समान उतरां आसात जीं मराठींत नांत; पोन्ने मराठींन कोंकणींतलीं उतरां उश्णीं घेतल्यांत; कोंकणी आनी मराठी मदलीं अंतरां आनी सारकेपणांय ताणी दाखोवन दिल्लीं. चव्हाणांच्या पुस्तकाक मुंबयंत विरोध जालो ना.

पुण हाचे परस खर भाशेंत बरयल्लो वालावलिकारांचो (शणै गोंयबाब) आव्हान दिवपी ग्रंथ, जो 'कोंकणी भाशेचें जैत', ह्या माथाळचा खाल जेन्ना १९३०-आंत उजवाडाक आयलो, तेन्ना वातावरण परतें तापलें. मराठीवादयांचे सगळे मुद्दे, भाशीक तशे राजकारणीक, ताणी आपले धारेचे लिखणेन पूड माती करून उडयले आनी ते कितले पोके आनी आदार नाशिल्ले आसात म्हणपाचें सणसणीत नेटान सांगून दिलें, आनी दरअेक आंगा-तोंडान कोंकणी मराठी परस कितली वेगळी आसा म्हणपाचे विस्तारान दाखयलें.

कत्रेच्या पुस्तकांत उरिल्लीं उणीं डॉ. मारयान सालदान्या (१९७८-१९७५), हाणी भरून काडिल्लीं. कत्रेन अेके कडेन म्हणिल्लें कि कोंकणीकडेन जाय तितलें साअित्य ना, जी चूक ताणी उप-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

रांत कबूल केल्ली. त्या साअित्याचे पयले वयलें नमुने मारयानु सालदान्यानी हाडून दिले. डॉ. सालदान्य, जे पुर्तुगालाक संस्कृताचे प्राध्यापक आसले, कोंकणी विशीं आपलें मत व्याकरणीक आनी तुलनात्मक अभ्यासाचेर आदारून स्पश्ट करतात. प्रमाण पोन्ने कोंकणी गद्याचो आधार-ग्रंथ जो स्टीफन्सचो 'दौत्रीना क्रिस्तां' आसा, तो ताणी मूळ नकल करून आनी संपादून १९४६-आंत उजवाडायलो. पुण आनीक अेका ग्रंथाचो 'उपशमू', नांवाचो भाग परतो उजवाडाक हाडटना, कांय चुको उल्ल्यात. 'उपशमू', हो 'प्राश पाश्तोराल' आन्तोन्यु द सालदान्यांच्या व्हडल्या ग्रंथाचो अेक भाग. ह्या बरोवप्याचो मिशनरी पाद्रीं मदीं व्हड कोंकणी गद्यकार म्हणून गाजिल्ल्याचो ह्या आदीं उल्लेख केल्लो आसा. 'उपशमू' त जी विपूल आनी घुस्पा-गोंदळाची भास आदळटा, ताचेवेल्यान निगूत दिसता कि तिचे फाटल्यान सांगपा-सारकी थोडी-भोव साअित्यीक परंपरा आसूंक जाय आशिल्ली.

ही परंपरा खरेपणी आशिल्ली म्हणून सिद्ध जालें जेन्ना पांडु-रंग पिसुर्लेंकार (१८९४-१९६९) ह्या अितिहासकारांक पुर्तुंगालच्या ब्रागा शारांतल्या भौशिक ग्रंथालयांत तीन हातबरपां सांपडलीं. जांतलें अेक कृष्णदास शामा आनी तांच्या वांगडचांचीं रामायण आनी महाभारतांतलीं मराठी काव्यां आशिल्लीं आनी हेर दोन म्हळचार कोंकणी गद्यांत बरयल्ल्यो त्याच म्हाकाव्यांतल्यो काणयो. हें बरोवप अुतरावळीन विपुल-गिरेस्त आसा पुण वाक्य बांदावळीन सादें-सोपें आनी तशीच तिची काणी सांगपाची रीत सरळ आनी आकुळ पिकुळ दिसता. पुण तें विकसीत आनी समर्थ भाशेचें रूप म्हणपाचें तर निश्चितपणीं कळटा.

ही कोंकणीची साअित्यीक परंपरा, जी पुर्तुंगेज गोंयां येवचे आदल्या काळांत कांय प्रमाणान सुरू जाल्ली आनी चालू आशिल्ली,

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
सगळ्यां दोळ्यां दिश्टीक पडली आसतानाय, बोली-भाशेचो वाद कांय जाणांनी सोंपूक दिलो ना. अ. का. प्रियोळकार मराठी वटेन उलोवपाक फुडें सरले. कोंकणी, ही स्वतंत्र भास न्हय; कोंकणी उलोवपी लोक थोडो, आपले भाशेक ते लग्नीक नांत; कोंकणीक आदीं पसून तें अेक नांव नाशिल्लें; कोंकणीवादी दों जिनसांचे आसात, गोवानीज आनी गोमन्तकी; कोंकणी आनी क्रिस्ती धर्माचो संबंद आयला, देखून ती भारतीय संस्कृतीची अखंडताय राखूंक पावची ना. गोंयांतली मुखेल प्रमाण भास म्हणपाचो मराठीचो जागो राखपांत ते खूब वावुल्ले आनी कोंकणी तिची बोली म्हणून बोब मारूंक लागले. हे दिशेन ताणी आदले कोंकणीचे ग्रंथ सोदून काडले आनी ते मराठीचे बोलयेंत आसात म्हळें. हो तांचो व्हडलो मोलादीक वावर कोंकणी, हे तांचे खरेले आवय खातीर उतरलो.

जशें आदीं डॉ. वि. पि. चव्हाणांनी १९२३-आंत सांगिल्लें, आदले मराठीन कोंकणी कडल्यान जायती उतरावळ उश्णी घेतिल्ली. तशेंच मों. दालगादांनी सगळ्यांचे नदरेक हाडिल्लें कि आदीं घोळणुकेंत आशिल्लीं मराठी उतरां कोंकणींत अजून जीतीं-जीवीं चालू आसलीं. १९३४-आंत, महाराष्ट्रांतल्या अहमदनगर जिल्ल्यांतल्या संगमनेर शारांतल्या य. गो. कानेटकर नांवांच्या अेका शिक्षकांनी अेक लांबदीक उतरावळीची वळेरी तयार केल्ली आनी मराठी आनी कोंकणी भासांचो तुलनात्मक अभ्यास करून, असो निष्कर्ष काडिल्लो कि तांचे भितल्ली कोंकणी, ही मराठी परस आदीं उत्पन्न जाल्ली भास. ह्या जाणकारांचो समज जाल्लो कि कोंकणी मराठी परस पोन्नी भास आशिल्ल्यान, मराठीन कोंकणींतल्यान उतरावळ उश्णी घेतल्या.

पुण प्रियोळकारांनी हें मानून घेतलें ना. तांचें म्हणणें आसलें कि मराठींत कोंकणी परस आदीं साहित्य जाल्लें, देखून ती आदली;

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

उश्णी घेतिल्ली उतरावळ तिका नीट संस्कृतांतल्यान मेळ्ळ्या, कोंकणीची मध्देस्ती नासतना. ह्यो दोनूय भासो आदल्या काळार आयज आसात तितल्यो वेगळ्यो नासल्यो; कोंकणीचो दाट संबंद संस्कृता लागीं आनी महाराष्ट्री प्राकृताकडेन सांबाळून उरलो, जाल्यार फारशीच्या जबरदस्त दबावा खाल मराठीचो तो संबंद खूब-सो तुटलो. कोंकणी साअित्याबद्दल जायते गैरसमज ताणी बळयांच पसरायले. ते म्हळ्चार कि कोंकणीक व्याकरण ना आनी साअित्य ना.; मागीर, व्याकरण आसा पुण साअित्य ना; उपरांत तिचें व्याकरण आनी साअित्य आसा पुण बोलयेच्या पांवडया-वेलें; तिचें व्याकरण स्वतंत्र पुण विचारीक साअित्य तांतूंत रचतले जाल्यार तिणें मराठीची मदत घेंवचीच पडटली; मागीर, दोनूय भयण-भासो, पुण मराठी व्हडली प्रौढ भयण, कोंकणी तिची बोली आसून मराठीचो तिका पालव मेळटलो आनी मराठीच्या आदारान तिणें फुडलीं उदरगतीचीं पावलां मारचीं. आपल्या उलोवप्यांच्यो संस्कृतीक गरजो ती भागोंवक पावली जाल्यार, कोंकणीक पूर्ण स्वतंत्र भास मानपाचो हक फावो जातलो, अशे ना. गो. कालेलकर (१९०९-१९७६) म्हणटात. तरीय, कोंकणीच्या कुडाळी आनी दक्षिण कन्नड जिल्ल्यांतल्यां मोडींचेर अ. मा. घाटगेनी शास्त्रीक नदरेन तयार केल्लीं पुस्तकां हे भाशेचें मराठी पसून कितलें वेगळेपण आसा तें दाखयतात. तरीय मराठीवादी हें मानूंक तयार नांत आनी कोंकणीची निजाची शक्त वाडत आसा म्हणपाचें येवजून अस्वस्त जाल्यात. ते आतां सांगतात कि महाराष्ट्रांतल्या सगळ्चांत ल्हान जिल्ल्या परस गोंयचो आकार धाकलो आसा आनी कोंकणीक आपलो संवसार वेगळो करून थाटचे पासत चड कश्ट काडचे पडटले; देखून कोंकणी लोकांनी मराठी कडेन वळिल्लें बरें. पुण, खरें म्हळ्चार, कोंकणी उलोवपी लोक आदल्या ग्रीस देसाच्या लोकांकडच्या परस चड आसा आनी आयच्या अिजरायेल देसांतल्या लोका परस घडये चड उणो आसचो ना, हें आमी विसरूंक फावो ना.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

वालावलीकारांच्या बरोवपांतल्या मुद्द्यांनी हो वाद सामको उमटून उडयलो. जेन्ना मराठीवादी म्हणटाले कि कोंकणी क्रिस्तांवांनी उखलून धल्ली आनी ती सकयल्या जातींची भास तेन्ना शणै गोंयबाबांनी पुरावे दिले कि गोंयचे धर्मांतरीत जाल्ले जायते क्रिस्तांव उंचल्यां जातींतल्यान आयिल्ले आनी ताणी गोंयच्या आनी गोंयकारपणांच्या उदरगतींत व्हडलो वांटो उबाल्ला. मराठी वटेन वळटल्या गोंयच्या हिन्दूंक ताणी दूशण दिलें आनी ती ताणी केल्ली चूक म्हणून दाखोवन दिली. ताणी फुडें सांगले कि कोंकणी हिन्दू आनी क्रिस्तांव अेकाच घराण्यांतले, धर्माक लागून फांटून गेल्ले, आनी आतां हे दोनूय घटक आपल्या पयलींच्या समाजीक-गिन्यानीक अेकवटांत जितले बेगीन येत तितलें बरें. आनी ते खातीर गोंयची खासा राखणायत देवी सांतेरी (शांतादुर्गा) आनी जेझुची पवित्र आवय पूण्यवंत आंकवार मारीय, हांचो ह्या वावराक आशिर्वाद मागलो. कोंकणी कशी वेगळी स्वतंत्र भास आसा आनी तिची परंपरा वेदकाळांत सावन कशी चलत आयल्या, हें ताणी पटोवन दिलें. ताणी आपल्या अेका पुस्तकांत सांगलें कि राष्ट्रकूट सम्राट, हे मुळचे गोंयचे चाड्डी गांवकार; गोंयच्या आनी गोंयाभायल्या गोंयकारांच्यो जणीक आनी समुदायीक अडचणी आनी प्रस्न आपुण मुळतत्व कोंकणी मुल्यांक विस्वाशी रावून कशे सोडोंव येतीत, हें ताणी दाखोवन दिलें...

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१५. पुनरूत्थानाचो काळ

जरी शणै गोंयबाबांनी आयच्या आधुनीक काळांतल्या कोंकणी सरस्पतीचें चड-श्या वांटचान मुळावण घालें, अशें म्हळचार मार अतिताय जांवची ना, तरी हें पर्जळीत यूग उदेंवचें म्हणपाचे दिशेन आमकां जागे करून हाडले ते अेका दूरदृश्टचा अेवरोपी (पुर्तुगेज) जाणकारांनी जांचें नांव ज्योकीं अेलयोदोरु दा कून्हा रिवारा (१८००-१८७९) आसलें. १८५८-आंत उजवाडाक हाडिल्ल्या आपल्या "Ensaio Historico da Lingua Concani' (कोंकणी भाशेच्या अितिहासाचेर अेक निबंद). ह्या संशोधनात्मक ग्रंथांत, ताणो कौंकणी सरस्पतीच्या लांबदीक दायज-परंपरेचेर नदर भोंव-डायली, भाशेच्या स्वतंत्रतायेविशीं निश्चत सांगणी केली, आनी हे भाशेक केदी व्हड तांक आसा म्हणून सांगून तिची उदरगत करून आपल्याच भावडांच्या समाजीक आनी विचारीक पुनर्निर्माण कर-पाच्या वावरांत मोटो वांटो उबारचो म्हणपाची ताणी खास करून गोंयच्या तरनाटचांक कळकळीत उलो मालो. सरकारी मुळाव्या साळांनी कोंकणी शिकोवपाचे ताणे १८५९-आंत केल्ले प्रयत्न, जांचो उल्लेख ह्या पयलीं केला, फळादीक जाले नांत, कित्याक तेन्नाच्या गोंयच्या क्रिस्तांवांनी तिका पयस केल्लो आनी हिन्दूंक ती नाका आशिल्ली, पयल्यांक राजचलोवप्यांची पुर्तुगेज भास आयती मेळिल्ली देखून आनी दुसरे धर्माचे नदरेन गोंयच्या अितिहास-काळांत जाल्ल्या अडेवाक लागून, मराठीच्या हातांत लोटून गेल्ले म्हणून.

पुण कून्हा रिवारांचे कश्ट सामकेच फुकट गेले नांत, जरो ते निर्शेवन गोंय सरकाराची आपली उंचली मुखल चिटणोसांची आनो उपरांत सरकारी अितिहासकाराची नोकरी सोडून दिवन, गोंयांत थोडो तेंप रावून, पुर्तुगालाक परतल्ले आनी थंय भायर पडिल्ले. आपलेच खाशेले भाशेकडेन फाट करपी असले कोंकणी लोक संव-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

साराचे फाटीर खंयच सोडून मेळचे नांत, तसले लोक तांकां गोंयांत दिसले म्हणपाचें येवजून ते भोवूच खंती काडटाले, कित्याक भाशे शिवाय मनश्याची संस्कृताय उदरगतीक पावना, हें सत् तांकां निश्चित दिसतालें आनी तें गोंयकारांक पटोवन दिवपाक ताणी भारीं प्रयत्न केल्ले.

तांचो उलो चड-सो 'अरण्यांतलो साद' जाल्ले भशेन वाऱ्यार विरून पडलो. पुण कांय काळा उपरांत ताका फावो तो प्रतिसाद मेळून आयलो. मोंसिन्योर सेबाश्तीयांव रोदोल्फ दालगादां सारके कोंकणीक पाटांगडे विद्वान लाबले. सावंतवाडी, बंगालांत आनी श्रीलकेंत अिगर्जेंचे उंचले हुद्दे सांबाळूनय, ताणी कोंकणीच्या भारतीय भयण-भासांचें आनी संस्कृताचें खोल गिन्यान मेळयल्लें आनी तें ताणी कोंकणीचे सेवेक ओंपलें. मन-लावन मेहनत करून ताणीं मोटो कोंकणी-पुर्तुगेज शब्दकोश तयार केलो आनी तो मुंबयंत १८९३-आंत उजवाडायलो. तांतली कोंकणी रोमी आनी देवनागरी लिपयानी आशिल्ली. ताच्या उपरांत तांचे लिखणेंतलो दुसरो शब्द-कोश, पुर्तुगेंज-कोंकणी, पुर्तुगेज सरकाराच्या खर्चान लिजबोआ शारांत १९०५ वर्सा उजवाडाक आयलो. हांतूंत विपूल उतरावळ आनी कोंकणी वाक्यां आनी म्हण्णयो आस्पावतात आनी अशें तें कोंकणी भाशेक दिल्लें तांचें अेक व्हडलें देणें जावन आसा. हेरां भयण-भासां कडेन तुलना केल्यार ह्या क्षेत्रांत कोंकणी त्या काळार वयल्या पांवडयार पाविल्ली.

त्या भायर दालगादांनी "Florilegio de Proverbios Concanis" (कोंकणी म्हण्ण्यांचो झेलो), हो मोलादींक ग्रंथ तयार करून, १९२२ वर्सा पुर्तुगालच्या कोयींब्रा विद्यापीठाकडल्यान उजवाडावन घेतलो. तांतूंत २,१७७ कोंकणी म्हणण्यो आस्पावतात, तांचें विशयां प्रमाणें वर्गीकरण केलां, आनी तांची फोडणीशी दिवन, हेर भार-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

तीय, उदेंतीच्या आनी अस्तम्तेच्यां भासां लागीं तांची सर केल्या. पुण हें सगळें भाश्य पुर्तुगेजींतल्यान बरयल्ल्यान, ती भास नकळो आशिल्ल्यांक ताचो लाव मर्यादीत रीतीन मेळूं येता. हो तांचो दुसरो व्हडलो वावर, कोंकणीची गिरेस्तकाय लोकां मुखार हाडचे नदरेन.

आनीक अेक तांचो म्हत्वाचो वावर म्हळ्यार 'कोंकणी भाशेचें व्याकरण,' जें पुर्तुगेज भाशेंतल्यान हातबरपांत १९२२-आंत तयार जाल्लें आसून, नवलकरांच्या शास्त्रीक पद्धतीचेर आदारिल्लें आसा. हें अजून छापपाचें उरलां; तें पणजेच्या केंद्रीय ग्रंथालयांत दवरलां.

कोंकणी भाशेच्या व्याकरणी बांदावळी विशीं ताणी ध्वनीरूप, उतरां आनी वाक्यां-बांदावळ, हांचे नदरेन तपासणी करून आपले लेख पणजेच्या 'हेराल्द', ह्या पुर्तुगेज भाशेन उजवाडाक येतल्या वर्तमानपत्राचेर १९१७-आंतल्या फेबरेरांत सांखळेन उजवाडावन, कोंकणीचें स्वतंत्र स्थान सिद्ध करून दाखयल्लें. कोंकणी खेरीज तांचो हेर भोव म्हत्वाचो वावर आसा, जसो आशियायी भासांचेर जाल्लो पुर्तुगेजीचो प्रभाव (१९१३) आनी पुर्तुगेज-आशियायी कोश (१९२१), हे दोन गडगंज ग्रंथ, आनी दामांव, श्रिलंका, नागपट्टिनम, गोंय-च्यो खासा पुर्तुगेजी प्रभावान तयार जाल्ल्यो बोलयो, हांचेर अभ्यास. त्या भायर तांणी कांय संस्कृत साहित्य-कृती पुर्तुगेजींत अणकारून हाडल्यो आनी हेर संबंदीत वावर केलो, जेन्ना ते पुर्तुगालाच्या विद्यापीठांनी संस्कृत आनी कोंकणी शिकयताले.

तांच्या उपरांत लिज्बोआक कोंकणी शिकोवपाक पाद्री ग्रासीयानु मोरायश गेले. ताणीय कोंकणी व्याकरणाचेर अेक ४०० पानाचो वावर १९६१-आंत उजवाडायलो जो आदल्या कोंकणी साअित्याचे साबार नमुने दिता आनी अशें ताणी त्या साअित्याचें अस्तित्व आनीं मोल पयलें वयलें सगळ्यांचे नदरेक हाडिल्लें. तशेंच डॉ. मारीयान साल्दान्यांनी (जे लिज्बोआ विद्यापीठांत संस्कृत आनी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कोंकणीचे प्राध्यापक आसले) कांय मूळ कोंकणी ग्रंथ परत छापून हाडून सगळ्यांचे नदरेक हाडले, जशें ह्या आदीं सांगलां.

कोंकणी व्याकरणाचेर जानीन रांजेल, हाणीय बरो वावर केलो. तशेच पाद्री क्रेसेंस मोंतेयरू, हाणीं कोंकणी व्याकाराणाचेर आनी शब्दकोशाचेरूय वावर करून दवल्ला तो भोव मोलादीक. त्या भायर ताणी 'कोंकणीचें गुरू-पुस्तक' (१९६२) नांवाचें चार भासांनी कोंकणी शिकपाचें साधन तयार करून दवल्लां; त्यो भासो म्हळ्यार अिंग्लेज, पुर्तुगेज, कोंकणी आनी जर्मन. तेच भशेन प्रो. ज्योकीं आन्तोन्यु फेर्नांदिश, हाणी कोंकणी व्याकराणचेर खोला-येन वावर केलो आनी कोंकणी नादशास्त्राचेरूय १९७२-आंत अेक पुस्तक उजवाडायलें. अेदुआर्द ब्रून द सौजा, हेय कून्हा रिवारांच्या स्फुर्तीतल्यान फुडें सरिल्ले पयले वयले कोंकणी बरोवपी आसले, जाणीय कोंकणी व्याकारणाचे काम केलें.

ज्योकीं आन्तोन्यु फेर्नांदिसांचो म्हत्वाचो साअित्यीक वावर म्हळ्यार 'आमचो सोडवणदार', अेक उत्तम गद्य-कृती, नव्या करारांतले जेझुचे शिकोवणेचेर आदारून शूभ-वर्तमानां प्रमाणें बरयल्ली. तें जे. अेम. बोवर हांच्या मूळ अिंग्लेजींतल्या ग्रंथाचें ताणी केल्लें मूक्त भाशांतर, जें १९५२-आंत उजवाडाक आयलें. पाद्री आंतोन्यु पेरेयरा, हाणी संतांच्या जीवीतांचेर साबार पुस्तकां बरयल्यांत, जें बरोवप आयच्या आधुनीक प्रमाण शैली कडेन लागीं येता. तांचीं 'वोंवळां', हो संवसारा-वेल्या साबार विशयांचेर आदारिल्लो निबंदाचो घोंस उल्लेख करपा सारको आसा. पुण तांचो सगळ्यांत प्रभावी वावर म्हळ्यार 'वादळ आनी वारें', ही आपजीणेच्या सरूपाची कादंबरी. तांतूंत, पाद्रीच्या सन्याश्या सारकेल्या जीवितांत आडमेळीं आनी अडचणी येवन कितले कुशलतायेत तें तारूं ताणचें पडटा हें पडबिंबून दिसता. मों. दालगादांच्या जिविताचेर तांचें अेक पुस्तक आसा, जशीं अिनासियु द लोयोला आनी पाद्री आग्नेल आनी जुजे वाज, हांचेरूय आसात.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

फेलीसयु कारदोजांचो वावर चड-सो वर्तमानपत्रांनी जालो. तरीय तांचे लिखणेंतल्यान कांय सुन्दर कथा बरोवन जाल्यात ज्यो 'तुफान', ह्या घोंसांत उजवाडाक आयल्यात. खरें म्हळ्यार, स्वतंत्र-ताये उपरांतच्या कोंकणी बरोवपांत फेलीसयु हांचो व्हडलो प्रभाव पडला चड करून गोंयच्या शिकिल्ल्या सवलेल्ल्या क्रिस्तांव बरोवपी तरनाटयांचेर. आयज कितलेशेच शिकिल्ले भूरगे कोंकणी कडेन ओडून येतात आनी प्रमाण रीतीन कोंकणींत बरयतात ताचें जायतें स्रेय तांकां वेता म्हळ्यार अतिताय जांवची ना. पुण शणै गोंयबाबांच्या वरीश्ट वावरान व्हडली क्रांती घडोवन आयली, चड करून गोंयच्या हिन्दू मदीं. जेन्ना आमचो शिकिल्लो सवलेल्लो समाज परकी भासां आनी संस्कृतांयांच्या रसा तळा आपले न्हिदेंत सुखावतालो, तेन्ना शणैयांनी ताका चाबुक मारून उठायलो आनी आपलो स्वधर्म पटोवन दिलो. सगळ्या आंगांनी कोंकणीची उदरगत जावची म्हणून ताणी कडकडीत तपश्चर्या केली आनी कोंकणी सरस्पतीक लकलकीत अलंकार नेटोवन दिले. तांची अेक अेक म्हणणी कोंकणी लोकांच्या मनांत घणघणीत उजवाड घालता आनी कोंकणीचे सेवे खातीर तांच्यांत फुरफुरो निर्माण करता.

देखीक, हीं ताचीं उतरां नियाळूंया :

" आमगेलें भाशेचें कुळार वेदांच्या कुळवंत, गिरेस्त, नांवादीक आनी लौकिकवंत घराण्यांतलें आसा म्हणपाचें घणघणीत दिसता. त्या खातीर आमकां कोंकण्यांक आमगेले भाशेचो मोटो अभिमान दिसूंक फावो. आमी कोंकणें बाबत कुळां न्हंयत. आमकां परकी भासांच्या लोकिकार वांचपाची गरज ना. ह्यो भासो आमगेल्यो आवय-भासो न्हंयत. देखून आमी आमगेले भाग्यवंत आवयचे मांडयेर बसूंया आनी माथें वैर उबारून सगळ्या संवसारा कडेन पळोंवया ..."

'गोमन्तोपनिषत्' हांतल्यो तांच्यो कथा भोव ओडलायण्यो आनी सादे स.पे भाशेन बुदवंतकायेचें तत्वगिन्यान सांगतात. तांतलें

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

दुसरें खंड म्हळचार 'संवसार बुट्टी' ही अेक कल्पनीक कादंबरी, जांतूत बायबलांत सांगिल्ले बुट्टेचेर आदारून, अुपनिषद्, कुराण आनी हेर धर्मांच्या पवित्र बरोवपाचो पालव घेवन, खरेल्या संवसारांत जशी समाजाच्या वेगवेगळ्या थरांचेर चाल-चलणूक आसता ताचो लाव घेवन, हांचें सुंदर रीतीन विवेचन केलां. भाशेचे सोब्रितकायेन आनी विविधतायेन, कल्पनेंचे प्रतिमावळींत आनी वर्णनां करपांत हें कथन भोवूच आकर्षक जालां. भुरग्यांखातीर ताणी 'भुरग्यांलो अिश्ट' हें सुरबूस पुस्तक बरयलें. गोंयकारांचो आदलो अडेज हजार वर्सांचो अितिहास धवळून ताणी तांच्या संबंदीत ग्रंथांचो गडगंज आदार घेंवन 'गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक' हो अितिहास सोदपी ग्रंथ (पैलें खंड) (१९२८) बरयलो. कोंकणीच्या व्याकरणाची विस्तारान फोडणीशी करून 'कोंकणोची व्याकरणी बांदावळ' हो ग्रंथ तयार केलो, जांतूत मराठी आनी हेर भयण भासांकडेन सर करून, कोंकणीचें आगळें आनी स्वतंत्र स्थान सिद्ध करून दाखयलां. त्या भायर कोंकणी नादशास्त्र ह्या विशयाचेर तांचें अभ्यासपूर्ण बरोवप जालें. व्हड कोंकणी व्यक्तीं विशीं तांका भोव आदर, देखीक : 'आबे फारीय' (१९४१) आनी 'पुण्यात्मो राम कामती' ह्यः दोग गोंयच्या व्हड पुतांच्यो तांच्यो जीणो. तांच्या हेर वावराचो ह्या आदीं अुल्लेख आयला. 'आल्बुकेर्कान गोंय कशें जिखलें ?' (१९५५) हो तांचो सुपुल्लो पुण म्हत्त्वाचो अितिहासीक वावर. कोंकणी लोकांत आपल्या स्वत्त्वाचो आनी कर्तुत्वाचो अभिमान जागोंवचो ही तांची अेकमोखी पोटतिडक आसली आनी ते पासत ताणी आपली आत्मोकूड जळटी चूड केली.

तांच्याच जीवितांत दोगां जाणांनी तांचो पाटलाव केलो. अेक तर काशिनाथ श्रीधर नायक, जांचो छापखानो आशिल्लो देखून, शणै गोंयबाबांची बरोवपां अुजवाडाक येवूंक पावलीं. त्या भायर 'बयाभाव' ह्या बरोवपाच्या नांवाखाल का. श्रि. नायकानी कोंकणी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कवितेक नवें आपलेंशें आगळेंच रूप दिलें. तांच्यो कविता दोन घोंसांनी वाचप्यां मुखार आयल्यो. 'सडचावेलीं फुलां' आनी 'सुकृत फळां,' ह्या नांवांचे ते झेले. त्या भायर ताणी 'नवें गोंय,' हें म्हयन्याळें चलयलें, जांतूंत नवे बरोवपी आपल्यो रचणुको घेवन उजवाडाक येताले आनी भोव करून शणै गोयबाबांचीं पुस्तकां उजवाडावन दिलीं.

दुसरे नायक, रामचंद्र शंकर, पणजेचे शिक्षक प्रशिक्षण साळेंचे मुखेली आशिल्ले. कोंकणीच्यो गांवघरी साबार बोलयो आसात म्हणपाचे गजाली वेल्यान तिचीं फकाणां मारूंक भायर सरिल्ले हे बरोवपी, निमाणेकडेन कोंकणी आवयक शरण पावले. 'चवथीचो चंद्र,' हें तांचें पयलें वयलें नाटकुलें. ताच्या उपरांत ताणी साबार अेक-आंकी नाटकुलीं, जीं जर्मन, पुर्तुगेज, फ्रेंच, अिंग्लेज असल्या भासांतल्या नाटकुल्यांचेर आदारून तयार केल्लीं, तीं कोंकणींत बरोवन उजवाडाक हाडलीं. त्या भायर तांचें मुदलचें 'महाराज' नांवाचें अेक नाटक आसा. ताणी कोंकणीचो प्रमाण असो शब्दकोश तयार करपाचेंय काम हातांत घेतिल्लें पुण तो सोंपोवन हाडचे आदीं ते १९६०-आंत भायर पडले.

लक्ष्मणराव सरदेसाय कोंकणी कडेन निमाण्या वर्सांनी वळून आयले. ताणी 'खबरी,' हो प्रभावी निबंद संग्रह बरयलो. त्या भायर तांचीं हेर गद्य बरपां म्हळचार 'पापडां कवळचो' आनी चौग कोंकणी कथाकारांच्या बरोवपाचेर आदारून 'कथा-शील्प,' हें समीक्षेचें पुस्तक म्हळचार जाता. अश्योच तांच्यो कांय कथा कोंकणींत उजवाडाक आयल्यात.

पांडुरंग भांगी कोंकणी गद्यांत पयले वयले आयले ते कथा घेवन. संशोधनात्मक लेखूय तांचे लिखणेंतल्यान आयल्यात. पुण तांचें कोंकणीक मोटें योगदान म्हळचार कवितेच्या मळार, जाची सवि-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

स्तर खबर फुडल्या भागांत येतली. कोंकणी भाशेचो आनी संस्कृता-येचो तसोच संवसाराचो तांचो खोलायेन केल्लो सोद तांच्या 'शब्द-सागर' विश्वकोशांत येता, जो अेक आगळोच, असाधारण आनी अप्रूप वावर जावन आसतलो.

१६. कोंकणी भाशा मंडळ आनी हेर संस्था

ज्या वेळार मुंबयच्यान रावून शणै गोंयबाब आनी तांचे सांगाती कोंकणी समाजाचो अेकचार घडोवन हाडून अेके समान पातळीचेर कोंकणीचो साअित्यीक वावर करचे दिशेन कश्टवताले, त्या वेळार दक्षिणेच्या वाटारांत, कारवार शारांत, माधव मंजुनाथ शाणभाग (१८८७-१९५०), हे पोटतिडकेचे कोंकणी वावराडी भक्त आनी वकील कोंकणी प्रांत घडोवन हाडचो म्हणपाची केंद्र सरकाराकडेन नेटान मागणी करताले. ती मागणी तेन्नाच्या भारत सरकाराच्या राज्यां पुनर्रचने आयोगा मुखार ताणी मांडली तांकां तेंको दिवन ते व्हड गांधीवादी काकासाहेब कालेलकार, हाणीय कोंकण राज्य घडोवन हाडचें म्हणपाचें मागलें; पुण तांचे कल्पनें-तलें कोंकण म्हळ्यार अेक दर्यादिगेवेलो प्रांत आसलो, जांतूंत दमण-गंगा धरून कोचीन मेरेन वाठार येतलो आसलो, आनी तो भोव-भाशीक स्वरूपाचो जातलो आसलो. पुण कोंकणी भाशीक कोंकण राज्याची कल्पना संक्षिप्त बुद्धीक रूपान मांडली ती त्या व्हड गोंयकार अितिहासकारांनी, प्रोफेसर ज्योर्ज मार्क मोरायश (१९०५-) जाणी अितिहासीक आनी भाशीक मुद्द्यांचेर आदारून ती तयार केल्ली. तांकां फाटबळ बि. अे. सालेतोर (१९००-१९६३) ह्या विद्वानांनी दिल्लें. पुण गोंय हें कोंकणाचें मूळपीठ आनी केंद्र-स्थान पुर्तुगेजां खाल आशिल्ल्यान, ही मागणी फळाक आयली ना.

पुण, ह्या सगळ्यां भितर, मा. मं. शाणभाग हाणी फुडाकार

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

घेवन, कोंकणी चळवळ नेटान फुडें व्हरचे हेतान, अेक संस्था थापली, जिका 'कोंकणी भाशा मंडळ' हें नांव दिलें. कों. भा. मंडळाची पयली बसका कारवारांत १९३९ वर्सा भरली. ताणी रोयिल्लो सुपुल्लो रोंपुलो तेन्नाच्यान वाडत गेलो आनी ताचे फांटे हेर कोंकणी वाटारांनीं वयर सरले, जशे मुंबयत, गोंयांत, मंगळुरांत आनी शारां शारांनी. मुंबयत कोंकणी साअित्य समिती १९४४-आंत स्थापन जाली; त्याच शारांत कोंकण कलचरल ॲसोसिअशन १९६५-आंत घडोवन आयलें. त्या भायर केरळांतल्या कोचीन शारांत कोंकणी भाशा प्रचार सभा १९६६-आंत पुरूशोत्तम मल्ल्या, हाणी फुडें सरून घडयली. त्या भायर आंन्तोन्यु द पियेदाद मोरायश, हाणी कुंकळे 'कोंकणी अभ्यास केंद्र' घालें. मागीर कोंकणी परिशद म्हणून सुरू जाल्ली मोहीम उपरांत कोंकणी साहित्य परिशद, हे संस्थेंत रूपांतरीत जावन, कोंकणी भाशीकांचे मेळावे घडोवन हाडूंक लागली आनी अशी तांचे मदीं कोंकणी बद्दल जागृताय आनी आस्था निर्माण करता आनी ती सत्तत जीवंत दवरता.

अितले म्हणसर, रेडियो, हें उलयल्ले भाशेचें शक्तीवंत माध्यम कोंकणीचे उदरगती खातीर भोंव उपेगाचे थारलें. १९४५ वर्सा गोंयांत जेन्ना अशें वितरावणेचें केंद्र बसयलें, तेन्ना पयलेंच फावट कोंकणी उतर वाऱ्या वेल्यान मूर्त रूप घेवन लोकांच्या कानार घणघणीत सादलें आनी समाजाचें रूप आनी ह्यावेस पर्गटावपाक भौसाक अेक साधन फावो जालें. पुर्तुगेज सरकाराच्या प्रचारा खातीरूय ताचो आयतो फायदो जातालो, हें खरें. त्याच राजकी कारणांक लागून, आकाशवाणी (मुंबय) केंद्रा वेल्यान १९५२ वर्सा सावन कोंकणी कार्यावळी सुरू जाल्यो आनी कोंकणी साअित्य निर्मणेच्या वावराक घसघशीत वाव मेळ्ळो. त्या माध्यामा वरवीं कितलेशेच कोंकणी बरोवपी तयार जाले. ह्या उपरांत लिज्बोआच्या अेमिसोरा नास्योनाला-वेल्यान १९५५ वर्सा थावन केंद्रीय पुर्तुगेज सरकारान

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
कोंकणी कार्यावळी वितरावपाक घेतल्यो. हालीं कोचिनांत केरळ कोंकणी अकादमी, मणिपालांत कोंकणी अभ्यास संस्था आनी तोमस स्टीफन्स कोंकणी केंद्र, पणजे, कोंकणीच्या वावराक खांद मारचे खातीर फुडें आयल्यात.

१७. आयची कोंकणी चळवळ आनी वावर

तरी आसतना, पुर्तुगेज सरकार गोंयांत आसलो तो मेरेन, कोंकणीच्या मळार वावर जातलो आसलो तो जांवक पावलो ना, जरी ताच्या मनांत कोंकणी शिक्षणा खातीर कितें तरी करचें अशें निमाणेकडेन येवजतालें. ह्या आदीं, हे दिशेन ताणी केल्ले पुण आखरेक फळादीक जांवक नाशिल्ले प्रयत्न आमचे नदरेक आयल्यातूच. देखून तेन्ना गोंयांत तर व्हडलें-शें कांयच जालें ना म्हळचार जाता. पुण मुंबय आनी हेर कोंकणी शारांनी 'कोंकणी परिशद' घडोवन येताल्यो, जसो आदीं उल्लेख केला, जरी ह्या कामाक खंयच्याच सरकाराचो न्हय म्हळचार खाश्या कोंकणी सामान्य लोकाचो व्हडलो-सो तेंको नाशिल्लो. पुण ह्या वावराचो अेक म्हत्वाचो परिणाम तर निश्चित घडोवन आयिल्लो. कोंकणी बुद्धिवादी (गिन्यानी), हिन्दू तसो क्रिस्तांव, आपली लाचारी मानसीक दशा निमाणेकडेन वळखूंक पावलो, कि आपुण साअित्या खातीर, आपली खाशेली समर्थ भास सोडून, परकी भासांचो उपेग करता आनी देखून आपल्या स्वत्वाचे बुद्धीक खोला-येक आनी नीजाचे खरीक हात घालूंक पावना, आपल्या खाशेल्या समाजाचे हावेस, उत्फर्क फावो ते भाशेन उगतावंक शकना. अशें आसून, साअित्य निर्मितींतल्यान जी बरोवप्याक भावनीक खोशी भोगता ती पुराय मापान परकीं भाशेंतल्यान मेळपाक भोव कठीन जावन आसता. हें सूख फकत आपले आवय-भाशेंतल्यान फावो जांव येता, कित्याक तांतूंत अेका वंशाचे पुराय प्रतिभेचो खाशेलो सांटो जाल्लो आसता आनी ताचो लाव आनी पोसवण फावो जांव येता.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हे दिशेन कोंकणांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतले गिन्यानी फुडें येवून ताणी कोंकणींत अप्रूप अशीं सोबीत बरोवपां केलीं जीं 'वोंवळां', ह्या घोंसांत १९३२ आंत उजवाडाक आयिल्लीं. हीं बरोवपां, 'आवय', ह्या हाताळच्या नेमाळ्यांतल्यान वेंचून काडिल्लीं, जें नेमाळें मुंबयच्यान भायर सरतालें आनी ह्या गिन्यान्यांक आपलें कोंकणी बरोवप करपाखातीर अेक समान पातळीचें माध्यम फावो करतालें. हाचे भोंवतणी कांय नामनेचे कोंकणी गिन्यांनी जमून आयिल्ले, जाणी हेर भासांनी किर्त मेळयल्ली आसली आनी आतां आपले भाशे विशीं आपणालें ध्यान वळून घेतिल्लें. तांतले तांतूंत प्रो. आर्मांद मिनेजिश, अिंग्लेजींतले नांवादीक कवी; रे. हे. ओलिपयो माश्कारेन्यश, कोंकणी आनी हेर गजालींनी विद्वान; बाकीबाब बोरकार, मराठींतले नामनेचे कवी; लक्षमणराव सरदेसाय, मराठी कथाकार; मंजेश्वर गोविंद पै, कन्नडांतले राष्ट्रकवी; कन्नड कवी आनीं बरोवपी दिनकर देसाय, पु. ल. देशपांडे आनी मंगेश पाडगांवकर सारकेले मराठी गद्यकार आनी कवी; हिराबाय कर्नाड, मराठी कथाकार, आदी. असलोच साबार फुलां परमळांचो अेक पोड म्हळ्यार 'स्वाती', वेगवेगळ्या वाठारांतल्या, ते ते शैलींत बरयल्ल्या निबंदांनी गुंथून हाडिल्लो, जो १९६०-आंत उजवाडाक आयलो. ताचे संपादपी विष्णु नायक आशिल्ले.

त्या सुमाराक, 'गोमन्त भारती', ही संस्था मुंबयच्यान सुरू करून, रवींद्र केळेकार कोंकणी गद्यांत आपलें अर्थाळ बरोवप घेवन आयले. ते संस्थेच्या आसऱ्या खाल, ताणी कोंकणींत हाडिल्लें गांधीजीचें साअित्य 'अशे आशिल्ले गांधीजो', ह्या माथाळ्यान, पुस्तिके रूपान सांखळेन १९६०-च्यान उजवाडाक आयलें. हालिंच्या काळार केल्लया बरोवपांतल्यान तांच्यो चिंतन-मननांच्यो, 'दिसपट्ट्यो' हें कोंकणी सरस्पतींत नवें साअित्य-रूप भोव गाजलां. त्या आदीं र. वि. पंडितांच्या पुताची 'दिसपट्टी' उजवाडाक आयिल्ली खरी.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुण ती हाच्या परस वेगळचा रूपाची दिसता. केळेंकारांचो पिंड तत्वगिन्यानीक, जाचें दर्शन चड करून तांच्या दिसपट्ट्यांनी आनी 'वेळेवैल्यो घुलो' ह्या तांच्या सगळयांत उत्तम ग्रंथांत घडटा तशेंच तांच्या 'उजवाडाचे सूर' (१९७२) ह्या निबंद-घोंसांत पळेंवक मेळटा- तांचें भोंवडे-वर्णन 'हिमालयांत' (१९७१) आयलां. 'ब्रह्मांडाचें तांडव', हें तांचें खगोलशास्त्राचेर पुस्तक जाल्यार 'तुळशी', अेक, नवलीका. त्या भायर तांचें 'सांगाती' (१९७७), हेंवूय चिंतनांचेर आनी 'भजगोविन्दम' (१९७३) अेक मनन, हीं पुस्तकां आयल्यांत तशींच 'कथा आनी काणयो' (१९६१) 'नवी शाळा' (१९६२) आनी निमाणे अेक नाटकुलें, 'लाला आनी बाला'.

हो सगळो साअित्यीक वावर आतां देवनागरींत जावंक लागला आनी ती लिपी सगळयांनी कोंकणीची रासवळ लिपी म्हणून मानची म्हणपाचें अशें सामकें भोवमत जालां, जरी रोमींत आनी कन्नडांत चडांत चड अशें बरोवप चालू आसा आनी तें वाचपी आससर ह्या फुडेंय चलतलें. प्रभाकर तेंडुलकार, रमाकांत पौळेंकार, श्रीरंग नारवेंकार आनी ताच्या परस तरनाटे बरोवपी, जशे आग्नेल पीरिश, प्लांतोन फारीय, तोमाझीन्यु कारदोज आनी फा. फ्रेडी डी कोश्ता, हे रोमींनल्यान नेमान बरयतात. त्या भायर फा. मोरेनु द सौजा, अेवजेबियु फेर्रांव, मारतीन्यु नोरोन्या मोलादीक बरोवप करीत आसात. तांतले तांतूंत ओलिव्हीन्यु गोमिश, हाणी बरोवपाक सुरवात केल्ली अेका जीवित-कथेच्या पुस्तकान 'डॉ. फ्रां. लू. गोमिश' (१९६८); ती जीण अेका व्हड गोंयकाराची, खासदार, पत्रकार, बरोवपी आनी देसभक्त जे अेवरोप-भर गाजले; आनी फुडें 'शाकुंतला' हें कालिदासांच्या संस्कृत नाटकाचेर आदारून कोंकणी गद्यांत काणये रूपान तें १९८२-आंत उजवाडायल्लें. फा. आंतोन्यु द सौजा शास्त्रगिन्यानाच्या मळार विपूल बरोवप करीत आसात, जें ताणी कांय पुस्तकांनी उजवाडायलां. देखीक :

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

'चंद्रीम तारवां,' (१९८०) 'हिपासया प्रितुम तपासता', (१९८०) 'कुडीचें विजमित आनी भलायकेचें' (१९८२) आनी 'संवसार अजापांचें बिराड' (१९८०) असले तरेचें तंत्रीक आनी शास्त्रगिन्यानीक बरोवप जावपाचें आमच्या वाडट्या गरजांक चड म्हत्वाचें म्हणपाचें येवजून, तें आमच्या जाणकार-शास्त्रगिन्यान्यां कडल्यान फुडें सरतलें म्हणपाची आशा धरूं येता. 'जाती वर्णांचे समाजशास्त्र' हें पां. पु. शिरोडकरांची खाशेली पुस्तिका जशी रविंद्र केळेकारांची 'भौ-भाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र' म्हत्वाचें योगदान जावन आसा.

कांय संशोधनाच्या कार्यांत तर शणै गोंयबाबानी वाट दाखयल्ली आसा म्हणपाचो आदीं उल्लेख आयला. तांचो अितिहासाचेर केल्लो वावर वासुदेव कामत वाघ (१९१०-१९६५) हाणी फुडें चलयलो आनी तांतूंत सुहास द्लाल (१९४०) हाणीय आपली भर घाली. नंदकुमार कामतां सारकेले तरनाटे ह्या क्षेत्रांत 'आमच्या गोंयचो अितिहास' बरोवन आपले मन घालूंक लागल्यात म्हणपाचें येवजून कोंकणीतल्या अितिहासा सोद कार्याक बरे दिस येवचे आसात म्हणून आस्त बाळगूं येता. हालीं फा. आंतोन्यु पेरेयरांनूय आपल्या वांट्याचें हांतूंत सुपली-भर घालां, जेंन्ना तांचें 'साश्टीची तांबडी माती', हें पुस्तक १९८४-आंत प्रसिद्ध जालें. हांतूंत कुकळे गांवांत धर्मांतरांच्या वेळार रगतसाक्षी म्हणून मारून उडयल्ल्या पाद्री रोदोल्फु आकुआवीवा आनी तांच्या सांगात्यांची खबर आयल्या कर्नाटकांतले पाद्री रुडोल्फु डीसौजा- कार्मेलायटांचो 'तरुलेंतलो देंवचार' अेक मनशास्त्रीक अभ्यास आनी वि. अॅल. रेगोंचो 'योग अभ्यास' आ. शा. पात्रांव हाणी कोंकणींत हाडिल्लो, हालीच उजवाडाक आयल्यात.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१७ केरळांतली कोंकणी चळवळ

हालिंच्या काळार केरळांतले कोंकणी लोक, जे परकी भाशे समुदायाचे पांगेक आनी मुळ गोंयच्यान चड काळ पयस उरिल्ले, कोंकणी खातीर व्हडल्यान मागणी करून फुडें सरले. जरी कोंकणी पासत वावुरतल्यांचो थंय भोव सुपुल्लो आंकडो आसलो, तरी तांचो आवाज केंद्र सरकाराच्या आनी संस्थांच्या कानार व्हडल्या तोलान सादलो. तांच्या आनी सगळ्या कोंकणी लोकांच्या आनी खास करून बरोवप्यांच्या अेकजुट्टीचा बळग्याच्या आदारान राष्ट्रीय साहित्य अकादेमीक पटोवन दिलें कि कोंकणी, ही भोव जाणटी आनी गिरेस्त भास आनी तांतूंत सतत चारशीं तरी वर्सां सरस्पत जायत आयल्या. अकादेमीन ह्या प्रस्नाचो अभ्यास केल्या उपरांत १९७६-आत, भारताची अेक स्वतंत्र साहित्यीक भास म्हणून कोंकणीक आपली मान्यताय दिली. ह्या कामांत केरळांत पुरुशोत्तम मल्ल्या आनी तांचे सांगाती खूब वावुल्ले. राष्ट्रबांदावळींतले आठवे वळेरींत कोंकणीचो आस्पाव करचो, हे दिशेन केल्ली तांची चळवळ अजून फळाक येवपाची आसा. पुण तांच्या प्रयत्नांक लागून केरळांत सरकारी खर्चान कोंकणी साळो सुरू जाल्यो, कोंकणी लोक जंय कोचीन, अल्लेपी, क्वीलोन, ह्या शारांनी जमिल्लो मेळटा थंय आनी बेगिनूच घडये थंयच्या अेका विद्यापीठांत कोंकणी अध्यासन जातलें. पुरुशोत्तम मल्ल्यांनी थंय चलतल्या लोक काणयांचो आनी लोक-पदांचो संग्रह केल्लो आसा. ताणी कांय नाटकुलींय बरयल्यांत. हेर थंयचे कोंकणी नाटककार म्हळ्यार ना. न. पै. आनी वे. गु. प्रभू.

केरळाच्या कोंकणी लोकां मदीं काव्याचें उल्लेखनीय बरोवप जालां, चड-शें धर्मीक स्वरूपाचें आनी आमच्या आदल्यां म्हाकाव्यां-चेर आदारून केल्लें. चड-श्या कवींचीं नांवां आनी तांच्या वावराची नोंद, ह्या आदीं आयल्या. हालींच्या काळार, ल्हवू ल्हवू थंयचे बरो-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

वपी कोंकणी सरस्पतीच्या मदल्या-व्हांवत्या घोग्यांत भितर सरून सक्रीय वांटो घेवपाक लागल्यात. तांतले तांतूंत प्रा. अेन. अेन. आनंदन, हाणी 'आनंदालीं पदां' (१९८५) नांवाचो कवितां झेलो उजवाडायला आनी रविंद्रनाथ ठाकुरांची अेक कादंबरी, 'चोकर बाली', (१९-८८) साहित्य अकादेमीचे तर्फेन कोंकणींत अणकारून हाडल्या. प्रो. आर. के. राव, हाणी 'मल्याळम साअित्याचो अितिहास' कोंकणींत १९८८-आंत उतरायला. हालीं सरतचंद्र शणैनी 'मीरा : जीवन आनी कवन' आनी प्रा. प्र. भ. जनार्दनांनी लीलाशुकांचें 'श्रीकृष्ण कर्णामृत' (१९८७ भाशांतरायलां. पि. जि. कामथींची 'अेक अवतारिका भगवद गीतेक' (१९८७) हो स्वामी रंगनाथानंदांच्या भाशणांचो अणकारीत घोंस.

खरे म्हळचार, कोंकणी साहित्य परिशदेचीं तीन अधिवेशनां कोचीनांत जालीं, ह्याच लोकांचे उर्बेन. गोंयांत परते आत्मिक, भावनीक आनी संस्कृतीक पातळीचेर आपुण समरस जावचे, हो तांचो खतखतीत आंवडो. उगडास आसतलो कि तांचे पर्वज पयले वयले वेपारा खातीर गोंय सोडून मलबाराक बाराव्या-तेराव्या शेंकडयांत गेल्ले म्हणटात; पुण चड-शे पुर्तुगेज आयल्या उपरांत सोळाव्या शेंकडयाच्या सुरवातेच्या वर्सांनी गेल्ले.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१८. आयची कोंकणी कथा

कोंकणींतलो साहित्य-प्रकार जो हालिंच्या काळार भोवूच लौकीक जाला तो म्हळचार कथा. चंद्रकांत केणी, ह्या प्रकारांत अजून मोटया अधिकारान सगळचां मुखावेले बरोवपी जावन आसात. तांचो निमाणो कथां-घोंस 'व्होंकल पावणी' १९८५-आंत भायर सरलो. त्या आदीं, 'धर्तरी अजून जियेताली' तांच्यो १९६४-आंत उजवाडाक आयिल्ल्यो कथा; मागीर 'अळमीं' हो संग्रह १९७५-आंत आनी 'आशाढ पांवळी' ताचे आदीं १९७३-आंत भायर सरले. १९७३-वर्सा 'अेकलो अेकसुरो,' हांतूंत कादंबरीचें बोज आशिल्ली लांब कथा आनी हेर दोन कथा आस्पावताल्यो. ह्या कथांनी प्रादेशीक तशी विश्वात्मक कथावस्तू घेवन, बरोवपी मुल्यांचेर विश्लेशण करतात, सदांच नीतीचे नदरेन थपथपिल्लें वातावरण मांडटात.

ह्या प्रकारांत पांडुरंग भांगी, मनोहर सरदेसाय, बाकी बोरकार, सुमन्त केळेकार, गुरूनाथ केळेकार, उदय भेंबरो, हाणीं केन्ना केन्नाय बरयलां, जशें यशवंत पालेकार आनीं विष्णू नायक, हाणीय कथा बरयल्यात. अ. ना. म्हांबरो, हाणी 'अॅबसर्ड' कथा बरोवपांत आपलें खाशेलपण दाखयलां आनी हांचो विनोदी निबंदा वाटेन वळटलो नमुनो 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' (१९८४)-हांतूंत दिसता. तश्यो कांय तोलादीक कथा सुरेश काकोडकारां-कडल्यान बरोवन जाल्यात ज्यो नेमाळचांचेर उजवाडाक आयल्यात.

असल्या शिंपडिल्ल्या कथांचो घोंस 'प्रसादा-फूल' ह्या माथाळचा खाल (अ. ना. म्हांब्र्यांनी संपादिल्लो) तेरा कथाकारांचे बरोवप अेकटांय करून उजवाडाक आयिल्लो तो १९७१-आंत. तांतले दामोदर मावजो आनीक आपले-अशे दोन कथां-झेले काडूंक पावले. 'गांथन' आनी उपरांत 'जागरणां' (१९७५). प्रभाकर तेंडू-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

लकारांनी आपलो 'कथां-घोंस' १९८६-आंत काडलो, पुण म्हाब्ळेश्वर सैल, सुरेश काकोडकार, हांचें अजून पयलें पुस्तक येवचें आसा.

त्याय परस तरनाटचा कथाकारां मदीं, जाणीं आपलीं कथा-पुस्तकां उजवाडायलीं, हीं आसात : शीला नायक (कोलंबकार) - 'ओली सांज'; मीना गायतडे (काकोडकार) - 'दोंगर चंवल्ला;' पुंडलीक नायक - 'मुठय' (१९७७) जयमाला दणायत - 'कवासो;' अेन. शिवदास - 'गळसरी', ओलिव्हीन्यु गोमिश - 'मन वोडटा वोडना... (१९८१), गजानन जोग -'रूद्र' (१९८६), हीं भोव प्रभावी बरोवपी आनी गोंयच्या समाजाच्या वेगवेगळचा आंगांचेर लकलकीत उजवाड घालपी कुशल कथाकार जावन आसात.

तोमाझीन कारदोजांनी ह्या प्रकारांत हालीं आपलो प्रयोग केला आनी 'झेलो' (११८५) हो कथा-संग्रह उजवाडायला. विठ्ठल आवदियेंकारांचो 'प्रसंग', शशांक सितारामांचो 'नबत', पुंडलीक नायकांलो 'अर्धूक', जयंती नायकांलो 'गर्जन', हे हालीं उजवाडाक आयिल्ले कथासंग्रह. तरी ह्या प्रकारांत कोंकणी साअित्यांत सुमाराभायली पीक आयल्या ती कर्नाटकांत. फ्रांसीस सालदाना थंयचे मुखेल कथाकार आसून, तांचे चौदा कथां घोंस भायर सरल्यात. तांतूंत 'वाचया आनी हांसया' ह्या सारकेले विनोदी कथांचे संग्रह आस्पावतात. सिरिल सिक्वेरांनी तेच भशेन 'दुकां' (१९७८) नांवांचो कथा-संग्रह उजवाडाक हाडला. चा. फ्रां. डी कोस्टांचो कथा-सग्रह 'मेल्लें' (१९४९) आनी लियो डी सौजांचो 'लिमाचो भुरगो' तसोच सिलवेस्टर डी सौजाचो 'अपरिचित' (१९८१) उल्लेख करपा सारके कथां झेले जावन आसात. जे. बि. मोरायश हांचें कथांचें पुस्तक 'कोशेदान केल्ली खून' (१९८०), हेंवूय म्हत्वाची भर घालता. जु. सा. आलवारीसांचो 'कथां हार' खूब काळा उपरांत ह्या वर्सांत आयला. लोकांचें सूख-दूख हांतूंत पर्डबिबता.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२०. आयची कोंकणी नवल-काणी

कादंबरी वा नवल-काणी, ह्या कन्नड लिपयेंत बरयतल्या लेखकां मदीं भोवूच लोकां-मोगाळ जाल्ली आसा. चड करून ती वांटचां वांटचांनी नेमाळचांनी माळेन छापून येता आनी मागीर वाचप्यांक पुस्तक रूपान मेळटा. ह्या प्रकारांत खांपे बरोवपी म्हळचार वि. जे. पी. सालदाना, जांच्यो कादंबऱ्यो खूप गाजल्यात. तांतल्यो सगळचांत उत्तम म्हळचार तांच्यो अितिहासीक नवल-काणयो, चड करून टिपू सुलतानानी तांच्या पुर्वजांक श्रीरंगपटमांत बंदखणींत घालून वळवळायल्लें, त्या वेळच्या घडणुकांचेर आदारून बरयल्ल्यो तीन कादंबऱ्यो. तांची पयली-वयली कादंबरी 'तांबडी पितूळ' आसली. आपोलिनार लोबोंची 'तूं बरो जा' आनी हेर नवल-काणयो, तश्योच जो. सा. आलवारीसांच्यो नवल-कथा भौ लौकिक. तांच्यो ५० कादंबऱ्यो आसात. तांतली सगळचांत पयली 'आंजेल' (१९४९) आनी निमाणी अशी 'घरभरललो आजो' (१९८४); 'कवी आनीं रोजमारी', तांची सगळचांत उत्तम कादंबरी, तांच्या मत्तान. दोल्फी लोबोंच्यो 'वाटेवेलो कांटो' (१९७६) 'मळबावेली दिवटी' (१९७७), 'हांव जिवंत आसां'—दोन वांटे (१९७८), ह्यो अठरा कादंबऱ्यांतल्यो सर्वांत बऱ्यो उतरिल्ल्यो. लियो डी सौजांची 'पुता पाटीं ये'; जे. बि. सिक्वेरांची 'सलवणेंत जीख'; सिरील सिक्वेरां-ची 'खुन्येगाराचो खून' (१९७०), 'सिस्टर शोभा' (१९८२) 'पत्तेदाराचें साहस' (१९६७); स्टेन आगेरांचो 'बदलनातल्लो गांव' (१९८८),ह्यो नांव घेवपा सारक्यो. ह्या नवल-काणयांनी बांदावळ आनी कथन करपाची शैली धसमशीत आनी सुटसुटीत जाल्या. अेवलालया आलवारिस, ही अेक भौव लौकीक नवल-काणेकार, जिचीं साबार पुस्तकां आसात.

गोंयांत नवल-काणयो बरोवपाक व्हडलो-सो नेट नाशिल्लो.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पुंडलीक नायक थंय आपली 'बांबर' ही जोलाचे धरतीची नवलिका घेवन आयले. ताच्या उपरांत, 'अछेव', ही नवल-काणी तांचे लिखणेंतल्यान १९७७-आंत आयली. तांतूंत आमच्या काळावेलो जीवंत प्रस्न म्हळयार खणीच्या उद्देगाक लागून, शेतांचो जाल्लो अिबाड आनी मनश्यांच्या चाल-चलणुकेंत आयिल्लें परिवर्तन नियाळ्ळां. तुकाराम शेट, हांची 'पाखलो' ही नवल-काणी अिल्ली सदळ जाल्या पुण पुर्तुगेज गोंय सोडून वच्चे आदल्या निमाण्या-श्या दिसांनी जियेतल्या कांय लोकांचे जीणेचेर उजवाड घालपाचो येत्न करता. दामोदर मावजो, हांची 'कारमेलीन', ही गल्फांत वावुरतल्या आया बायलांच्या जीविताचेर शेरो मारतली नवल-काणी १९८२-आंत उजवाडाक आयली. रवींद्र केळेकारांची 'तुळशी' (११७१) आनी रमेश वेळुसकारांची 'मोनी व्यथा' (१९७५) ह्यो नवलीका उजवाडाक येवन मध्यम-वर्गीय नीतीच्या मनाक चिमटो लागलो, कित्याक त्यो कांय धांपिल्ल्यो गजाली उक्ताडा हाडटाल्यो. ह्याच प्रवाहांत जे. अेल. गीयश, हांची 'सोडवाट' (१९८६) ही नवलीका दिसता. अेन. शिवदासांची 'नखलामी' ही नवल-काणी हालींच १९८७-आंत भायर सरल्या. 'अंतरपाट' ही शांता खांडेपारकार, हिची वेगळे नदरेची नवलिका. कोंकणीं मळार आनीक जायत्यो नवल-काणयो दिश्टी पडटात जांकां साअित्याचे नदरेन वयलो पांवडो दिसना पुण तरी आसतना त्यो सामान्य भौसाची मानसीक आनी बुद्धीक तान-भूक बरे तरेन भागयतात. तांतले तांतूंत जेस फेर्नांदिश. आ. कार्वाल्यु, आंतोन गोमिश, रेजीनाल्द फेर्नांदिश, बोनाव्हेंतूर पियेत्रो, हे नेमान बरोवपी लौकिक नवल-काणयेकार जावन आतात.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२१. आयचें कोंकणी नाटक

हालिंच्या काळार कोंकणी नाटकाक नवो नेट आयिल्लो दिसता. पुंडलीक दांडो, हे कुशल नाटककार, आपलीं दोन उत्तम नाटकां घेवन कोंकणी माचयेर येतकूच गोंयच्या लोकां मदीं भोवूच उमेद निर्माण जाली. 'ताची करामत', हें तांचें पयलें आनी विनोदी नाटक बरेंच येशस्वी जालें. तेन्ना कांय लोकांनी खंय म्हळें कि कोंकणींत फकत हांसोवपाचीं नाटकां बरोंव येतात कित्याक ती ल्हव आकुळ-पिकुळ भास; तांतूंत ओजस्वी गंभीर नाटकां बरोवपाक कठीन. पुंडीबाबांनी तांचें आव्हान स्विकारलें आनी अेक गंभीर दुकां गळोंवक लावपी' निमित्ताक कारण', नांवाची दुखांतिका बरोवन माचयेर हाडली, आनी प्रेक्षकांक चकित करून उडयले.

किसन कामतीनी दोन विनोदी आनी **दोन** गंभीर, अश्यो चार अेकांकिका 'दोन आनी दोन', ह्या माथाळयान १९६० वर्सा उजवाडायल्यो आनी मुंबंयत माचयेर हाडल्यो. कृष्ण ल. मोयो, वसन्त कारो, रघुवीर नेवरेंकार, विश्वनाथ सझगिरी आनी अवदूत हेगडो देसाय, हाणींय कोंकणी नाटकांत आपले बरोवपाचे प्रयोग केल्यात.

पुंडलीक नायकांच्या अेक-आंकी आनीं मागीर पूर्ण नाटकांनी कोंकणी माचयर नवो जीव भल्लो. 'गांवधनी गांवकर', 'आळशांक वाग खातलो', 'आकाशमंच', 'छप्पन्न थिगळी येसवंत', 'चौरंग' ह्यो अेकांकी धरून, 'खण खण माती', 'राखण' 'सूर्य सांवट', 'पिंपळ पेटला', 'शबय शबय बहुजन समाज', 'श्री. विचित्राची जात्र', 'मुक्तताय' आनी 'देमांद' हीं तांचीं नाटकां भोव गाजल्यांत. अशोक कामत आनी दत्ता नायक हाणींय अेकांकी बरयल्यात, जशें फा. निकेलाव पेरयरा, हाणींय हांतूंत प्रयोग केल्यात.

हेर गोंयात बरोवपी नाटककार म्हळचार अेन्. शिवदास.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

तांची ' पिसांट ' आनी ' फॉरेन जांवय ' हीं नाटकां नदरेंत भल्यात. दिलीप बोरकांरांनी ' भरते-भार, ' ' वर्ग-शत्रू ' ही नाटकां बरोवन माचयेर हाडल्यांत. रामकृष्ण जुवारकारांचीं अितिहासीक नाटकां ' भागिरथी ' (१९७०) आमचें राज्य (१९७१) आनी अनवळखी (१९७५) भोव ओडलायणीं जाल्यांत. हेमा नायकांनी आपली ' भायली गोडी ',ही अेकांकिका बरोवन उजवाडायल्या.

तियात्र म्हणून वळखतल्या कोंकणी नाटकांतूय जायतें सुधारलां. तांतलो साअित्यीक न्हय जाल्यार भाशेचो पांवडो अुतरावळीची विपुलताय, नाटय गुणांची मुल्यां आतां घसघशित रीतीन अुंचावन येतात. हाचें कारण म्हळचार कांय अुर्बेवंत शिकिल्ले-सवलेल्ले आनो कोंकणीचो खरो मोग आसलेले तरनाटे जशे तोमाझीन्य कारदोंज, फा. फ्रेडी डी. कोस्ता, पॅट्रीक दौराद तियात्र बरोवंक लागल्यात. आदले गाजिल्ले तियात्रीस्त जशे अेम. बोयर ह्या कामाक आपलो हातभार लायतात. प्रेमानंद लोटलीकार, पी. सांगोडकार आनी हेर जायते बरोवपी ह्या मळार आपलें प्रयोग करतात. कारदोझांचीं देखदिणी नाटकां पुस्तक रूपान आयल्यांत जशी : ' कांटेच कांटे, ' (१९८१) ' झगझगता तितलेंय भांगर न्हय ' (१९८८). फ्रेडी डि कोस्टांची ' बाप्पा ' अेकांकिकेंची माळ आयल्या. तांतले तांतूत भरत नायक आपलीं चडशीं अेकांकी नाटकुलीं माचयेर हाडटात. जशीं, ' चपलांहार ' ही हास्यांतिका आनी ' बॉबो न्हीदता,' ' चामटचाक चिमटो ', ' भेरें भेरें टुणटुणे ' असल्यो हांसोवपी अेकांकी. रा. जुवारकारांचीं वयर सांगिल्ल्या अितिहासीक आनी भाशांतरीत नाटकां भायर हेर अेकांकी नाटकुलीं आसात. प्रकाश थळींनी अेक दोन ' सगोना महत्तो ' धरून भाशांतरीत नाटकां कोंकणींत हाडल्यांत तशेंच ' तीन खेतीं शाणीं सुरतीं ' माथाळचा खाल सात अेकांकिका १९८७-आंत उजवाडायल्यांत.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कर्नाटकांतूय कोंकणी नाटकाक बरो वाव मेळ्ळा. चा. फा. डी कोस्टांची 'तरणें तरणें मोर्णें' (१९७३) आनी 'सुणें मांजर हासता' (१९७७) हीं झुपाटीन भरिल्लीं सुक्षीम नाटकां. बि. जो. पी. सालदाना हाणीय ५३ अितलीं नाटकां बरयल्यांत म्हणपाचो अदमास केला. तांतलें पयलें म्हळ्यार 'बावनात्तल्लो गुलाब' (१९४३). अुपरांतल्या नाटकांतलीं मुखेल आनी बऱ्यांतलीं म्हळ्यार 'निमर्णें, 'रगताची झडटी,' 'खालती मान,' आनी तें घट अुगडासांत दवरपा सारकें अितिहासीक नाटक 'सरदारांची सिग्नल' (१९६७), जांतून १२४ पात्रां आसात. त्या भायर ताणी तें 'जियोबियात' नांवाचें बायबलांतले अेके घडणुकेचेर आदारून बरयल्लें, संगीत नाटक १९७८-आंत बरोवन पालकार हाडलें, तशेंच 'निश्कलंक/अिमाकुलाद काळीज' नांवाचें संगित नाटक; आनीक अेक धर्मीक विशयाचेर आदारिल्लो तांचो वावर जावन आसा. फा. लुईस पौल बोतेल्युंची 'बाळ आलेस' आनी 'देख दैवीक' हीं सोबीत नाटकां जाल्यांत. दोल्फी लोबो कास्स्यांचीं सात पूर्ण नाटकां आसात, जांतलें अेकूच, गीत-नाटक, 'पातकी स्त्री' १९७८-आंत उजवाडाक आयलां. दुसरें तांचें उल्लेखनीय नाटक म्हळ्यार 'दी म्हाका भोगसणे'. सिरिल सिकवेरांनीं बारा नाटकां बरयल्यांत, देखीक 'चार दिसांचो संवसार', 'पितूळ', 'भाड्याची बायल', 'मरी मागदालेन' तांतलीं मुखेल. जे. अेस. आल्वारिसांनीं णव नाटकां बरयलीं.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar.

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२२. आयचें कोंकणीं कवीत

आयच्या पुनर्जल्माच्या काळांत, सगळचांत रसरशीत आनी फुलतो भार आयला तो कोंकणी कवितेंत. 'आयज रे धोलार पडली बडी', ही काव्य-संगीतिका घेवन डॉ. मनोहर सरदेसाय कोंकणी सरस्पतीच्या देवळांत १९६१-आंत भितर सरिल्ले. ताच्या उपरांत, पारिजाक आसतना रचिल्ल्यो कविता 'गोंयां तुज्या मोगा खातीर', ह्या झेल्यांत गुंथून १९६१-आंत उजवाडाक आयल्यो आनी गोंयांत कोंकणीची क्रांती घडोवन हाडपांत जायती मदत जाली. मागीर, गोंय स्वतंत्र जाल्ल्यान नवे उर्बेच्यो तांच्यो कविता 'जायात जागे', ह्या घोंसांत १९६४-आंत उजवाडाक आयल्यो. मागीर 'जायो जुयो', ह्यो सुपुल्ल्यो सोबीत कवीता १९७०-आंत वाचप्यां मुखार आयल्यो आनी सगळचाक तांचो परमळ फांकलो, अिल्ल्या अिल्ल्या घोंटांनी फात्र केल्लो. १९७८-आंत, ताचे फुडलो कवितां-झेलो, 'पिसोळीं' भायर सल्लो. त्या भायर, तांच्यो काणये-रूपान सांगिल्ल्यो कविता आसात, जश्यो 'भांगराची कुराड', 'खुर्साची काणी', बेब्यांचें काजार', 'हुंदरांची सभा'. निमाणे कवितेंत स्वतंत्र गोंयचे पयले विधान-सभेंत चलिल्ल्या कारभाराचेर हांसून हांसून झुपाटीच्यो बडयो माल्ल्यात.

तांचे आदीं तर कृष्ण भट बांदकारांची कविता पयली-वयली गोंयांत चंवरेंवक लागिल्ली. काशिनाथ श्रीधर नायक उर्फ बयाभाव, हांचे दोन काव्य-संग्रह 'सडचावेलीं फुलां' आनी 'सुकृत फळां', तांच्या उपरांत आयिल्ले म्हणपाचो ह्या आदीं उल्लेख आयला', जांतूंत सैंव्र, मनश्यां मनश्यां मदीं वसतले सबंद आनी कोंकणाचो मोग लसलसून पर्गटायल्लो दिसता, प्रतिमां आनी प्रतीकांनी आनी सादचा सोंप्या उतरांनी गुंथिल्ली चित्रभास फुलता. मागीर बाकी बोरकारांचीं संगीतमय 'पांयजणां' आयलीं, जाणी कोंकणी कवितेंत

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

नवें यूग सुरू केलें. उपरांत तांची 'सासाय' हो संग्रह १९८०-आंत उजवाडाक आयलो.

१९६३-वर्सांतलो सव्वीस जानेर म्हळचार कोंकणी कवितेक व्हड दीस जावन गेलो. त्या दिसा, र. वि. पंडित अेकाच धपक्याक पांच कोंकणी कवितेचीं मोलादीक पुस्तकां घेवन आयले आनी ताणी सगळयांक भारावन उडयले : 'म्हजें उतर गावड्याचें', 'उरतलें तें रूप धरतले', 'धर्तरेचें कवन', 'चंद्रावळ' आनी 'आयलें तशें गायलें'. ताच्या उपरांत, 'मोगाचे आंवडे', (१९७५), 'रेंवेंतलीं पावलां' (१९६९) आनी 'दर्या गाजोता' (१९७७), 'चारां,' हे कविता-झेले उजवाडाक आयले. हांतूंत गोंयचें सैंत्र, जीण, सुखां दुखां उठून दिसतात आनी सामान्य मनशाचे आटे-विटे वाचा फोडून ते कवितेंतल्यान रगता-मासाचें आंग घेतात. कोंकणी लोकवेदांतलीं माणकां मोतयां तांचे कवितेंतल्यान तत्वगिन्या-नीक रूप घेवन लिकलिकतात आनी विश्वात्मक मुल्यांचेर उल-यतात. तांची कोंकणी कविता अिंग्लेजींत आनी साबार भारतीय आनी अेवरोपी भासांनी अणकारीत जाल्या आनी अशो कोंकणीक संवसाराच्या माजार कीर्तीचेर पावयल्या. तांकां साबार पुरस्कार फाव जाल्यात, भारतांत तशे भायल्या देसांनी; तांतलो अेक म्हळचार अेकवटीत राष्ट्रांचो.

वामन सरदेसाय, जे 'अभिजीत,' ह्या नांवा खाल बरयताले, हाणी खूब थोडें बरयलां पुण तेंच शक्तीन आनी गोडयेन थपथपितलें जावन आसा. हालिच्या काळार तर ताणी बरोवपाचें सामकें सोडलें शें दिसता आनी राजकारणांत आनी राजकारभारांत आनी थोडें भोव पत्रकारितेंत रीग घेतल्या.

पांडुरंग भांगींची कविता कारागीरान कांतयल्ली सोबीत बावली कशी; ते शक्तीवंत भाव कवितेंत फुलयतात जशे ते मन-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

शाचे परिस्थितीचेर नियाळ करतात, आप-परिक्षणाक अेकाग्रतायेन वेळ दितात आनी गुढार्थ अशे दिशेन केन्ना केन्नाय ओडटना दिसतात, निर्शेणोचेर नियाळ करून आनीं तिचेर जैत व्हरून. तांच्यो कोंकणी कविता ‘ दिस्टावो, ’ ह्या झेल्यांत अेकटायल्यात आनी मागीरच्यो ‘ अदृस्टाचे कळे ’ (१९८२) हांतूंत पुंजायल्यात.

विजयाबाय सरमळकार, हिणें आपलो अस्त्रीयेचो हातभार आपणाल्या ‘ गोठलां, ’ ह्या १९७३-आंत उजवाडाक आयिल्ल्या झेल्याक लायला. नागेश करमलींनी ‘ जोरगत ’ आनी ‘ सांवार, ’ हे दोन कवितां झेले १९७९-आंत उजवाडाक हाडले, तांच्या घडा-मोडींच्या जीवितांतल्या दुखींतल्यान फुरफुऱ्यान उसळटली ही कविता. ह्या वर्सा तांचें ‘ वंशकुळाचें देणें ’ आयलें. ‘ बनवड ’ आनी ‘ सुंवारी ’ हे गजनान रायकार, हांचे कवितां झेले; ते कोंकणी आड कांय काळा आसून उपरांत गांवघरा परते आयिल्ले त्या वेळची ह्या ‘ वेचीक पुताची ’ ही कविता, गांवच्या जीवीताक जीवंत हारसो धरता. उदय भेंबरो, हाणीय कांय सोबीत कविता केल्ल्यो ज्यो हेर हालिंच्या आनी आदल्या पदां वांगडा ‘ चान्न्याचे राती ’ (१९८६),ह्या माथाळचा खाल पुस्तक रूपान उजवाडाक आयल्यात. ‘ अप्रूप, ’ हो हेमा नायकांनी संपादिल्लो बायलांचो प्रतिनिधीक काव्य-संग्रह. ‘ गोंय म्हजें हांसता, ’ हो दियोग मार्कुस फेर्नांदिसांलो कवितां-झेलो १९६९-आंत उजवाडायल्लो.

शंकर भांडारी तशेच हरदत्त खांडेपारकार, हाणींय बऱ्यो कविता बरयल्यात, ज्यो अजून पुस्तक रूपान येवपाच्यो आसात. सुहास दलाल, हाणी कोंकणींत ‘ उमाळो ’ उजवाडायला आनी धर्मीक काव्य रचलां, चड करून ‘ स्तोत्रां, ’ जशें रामकृष्ण जुवार-कारानूय केलां, आपल्या ग्राम देवतेच्या आनी हेर अीश्ट देवतेच्या

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

मानांक. जुवारकारांची दोन कवितेचीं पुस्तकां भायर सरल्यांत जांतूत तांची भक्ती आनी फुलांचेर मोग मुक्त ताळ्यान पर्गटून येता.

पुंडलीक नायकांचो ' गा आमी राखणे ', हो कविता-संग्रह सकयल्या मानिल्ल्या आनी चेपणा खाला घुस्मट्टल्या लोकांचो नवे उर्बेचो सुस्कारो घेवन फुडें सरतालो आनी नव्या गोंयच्या समाजांत आपली हक्काची सुवात सोदतालो. ओलिव्हीन्यु गोमिश ' पुंजायिल्ल्यो पाकळचो ' (१९७४) हो कवितां-झेलो घेवन फुडें आयले, जांतूंत भाव कविता, साबार रूपांनी घडयल्ली, आनी सैंबीक सोबीतायेचेर आनी समाजीक जीवनांचेर चुटकुल्यो फाव केल्ल्यो कविता अश्यो आसल्यो. ताच्या उपरांत हालीं ताणी ' सुस्कारे ' हो कविता-संग्रह १९८४-आंत उजवाडायला, जांतूंत हेर कवितां वांगडां चड करून आमच्या भोंवतणेंच्या सैंबीक संतूलनाचेर जाल्ल्या हल्ल्यां विशीं संताप पर्गटावन, गोंयच्या सैंबीक शक्तींक आपलेच भाशेन आपलें दूख उलोंवन सांगूंक लायलां. सुरेश बोरकारांचीं ' वज्रथिकां ' (१९८५) चिंतनां-मननांचो अर्क फावो करतात.

प्रकाश पाडगांवकार, हाणी वास्को-द-गामा, ह्या मुरगांव धक्या फाटल्या शारांत जाल्ले दूशीत स्थितींचें वर्णन, मनन करून, ' वास्कोयन ', ह्या संग्रहांत कविता बरयल्यो. ताच्या उपरांत ' उजवाडाचीं पावलां ' हो तांचो संग्रह आयलो आनी मागीर ' हांव मनीस अश्वत्थामो ' १९८५ वर्सा उजवाडाक आयलो. रमेश वेळुस्कार, हांचीं ' मोरपाखां ' हें भाव-कवितांचें पुस्तक भायर सरलां आनी हालीं ताणी ' आंगणी नाचता मोर मोरया ' आनी ' सावुळगोरी ' हे घोंस उजवाडायल्यात. पंढरीनाथ लोटलीकार, हाणी देशभक्ती गीतां आनी भाव गीतां आशिल्लो अेक संग्रह 'आमची भूंय' १९६५-आंत काडला. युसूफ अ. शैख, हांचो ' गांठी ' नांवाचो काव्य संग्रह १९८४-आंत भायर सल्लो, जंय तांच्या मनांतली व्यथा गुढार्थ

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

रीतीन उगताडा येता. माधव बोरकारांनी 'वोतांतल्यो सांवळचो', 'उजवाडाचो रूख' आनी 'पर्जळाचें दार' उजवाडायल्यात, जांतूंत तांची भावुकताय सोबीत वळींनी पाझरता.

हेरां तरण्या कवीं कवियत्री मदीं हीं आसात : संजीव वेरेंकार, जाणी 'भावझुंबर' नांवांचो कविता- संग्रह उजवाडायला; आलेक्ष गोयश, जाणी 'काजुले', हो संग्रह काडला; जोन आगयार, जाणी 'जीण' नांवाचे कवितेचें पुस्तक काडलां; नयना सुर्लेकार, माधवी सरदेसाय, सोयरू वर्दे, आदी. तरण्यां वांगडा जाण्टे बरोवपीय आतां कविता करूंक लागल्यात आनी ताणीय अेक अेक कविते पुस्तक उजवाडायलां, देखीक तोमाझीन कारदोजांनी 'पाकळचो' आनी प्रभाकर तेंडुलकारांनी 'जैत' हे झेले १९८६-आंत उजवाडाक व्हाडले, जांतूंत तांचो गोंयच्या सैंबाचो मोग उग्तायला आनी समाजांत चलतल्या गैर गजालींचेर खर टीका केल्या. आनीक अेका कवीनी आपलो कवितां-झेलो काडला. फा. लीनु द सा व्हाणी भावकवितांचो घोंस 'आडांबे' ह्या माथाळचा खाल १९८६-आंत उजवाडायलो. नवी उर्बा आनी भावोभिव्यक्ती घेवन नीला तेलंगांची 'काळजाची भरती', आर. रामनाथांचीं 'मळबरंगमाची' हीं पुस्तकां आयल्यांत. अशी, काव्यांत थोडो काळ आयिल्लीं सुकती परती भरतेचेर पावल्या.

कर्नाटकांतले कोंकणी कवितेक तितलो भार येवूंक ना जसो गद्याक आयला, जाची खबर ह्या आदीं केल्या. थंय कविता पुस्तकां फाव तितलीं लौकीक जाल्लीं दिसनांत. तरी चा. फ्रा. डी कोस्टांची सुन्दर आनी कल्पनांभरीत कविता आतां पुस्तक रूपान 'सोंश्याचे कान' ह्या माथाळचान उजवाडाक आयल्या. जे. बि. मारायेसांनी 'नवी व्होंकल' (१९७७) ह्यो म्होंवाळ भाव-कविता आनी उपरांत 'भितरलें तुफान' हो झेलो १९८४-आंत उजवाडाक व्हाडले. ते अजून कविता नेटान बरयतात; हालींच तांचीं कांय काव्य-नाट-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कुलीं बरोवन जाल्यांत जीं बेगिनूच उजवाडाक येतलीं. तांचे परस तरनाटे कवी, सिरील सिकवेरा सोबीत भाव कविता बरयतना, विनोद आनी दूखेस्त कल्पना मिश्रीत करून, आयच्या समाजीक देखाव्याचेर आपलें मिस्किल मत पर्गटायतात. तांकां लागून कोंकणी कवितेंत नवी गती आयल्या जी आदीं त्या प्रमाणान नासली. त्या आदीं, फा. बोतेल्युंचे कवितां झेले भोवूच लोकां मोगाळ जाल्ले. सिलवेस्टर डी सौजां आनी रोन लुयीस, हांचे कवितेंत दुखाची कळ झळकता. प्रताप नायकांची कविता, मोगाच्या विशयांत केन्नाय रोंबता केन्नाय धडो शिकोवपाचेर पावता जाल्यार केन्नाय समाज-जीणेचेर थोमणे मारता; तांच्यो कविता ' जीवितांतलीं घडितां ' (१९८०) आनी ' काजुले ' (१९८३) ह्या झेल्यांनी आस्पावतात. जे. बि. सिक्वेरांचो ' काळजाचे उमाळे (१९८७) मोगान आनी देश भक्तीन थपथपतात आनीं समाजांतले हेर गजालींचेर आपलें मत पर्गटायतात, जशें ' अेक सपन अधुरें ' (१९८८) निर्शेणीन भल्लां.

अेडवर्ड नाझरेथ, जेरेल्ड पिंटो, फ्रांसीस सालडान्या, आंब्रोज डी सौजा आनी सिंतिया क्वाद्रूस, हे कवी, कवियत्री कोंकणी साअित्यीक चळवळींत सक्रीय वांटो घेतात आनी गोंयच्यान चलतल्या वावरांत सामील जातात. येशवंत पालेकारूय कोंकणी कविता अजून बरयतात, जशें ताणी आपल्या ' कोंकण भारती ' नेमाळ्यांत सतत केलां आनी जांतूंत गद्याचें बरोवप ते विपूलतायेन करीत आसात. स्वामी सुप्रियांचें ' काळीज मुरर्मुरें ' (१९८४), हो धर्मीक कवितां-झेलो अप्रूप काव्यशक्तींचो नमुनो जावन आसा; तसोच ' आन्या आकय ' (१९८०) काळजाक हात घालता.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२३. विनोदी बरोवप

विनोदी बरोवप कोंकणी भाशेंत सहजतायेन येता, अशें म्हणटात. देखून गोंयांत आनी कर्नाटकांत कोंकणी विनोदी बरोवपाक फाव तसो वाव मेळळा. अ. ना. म्हांबरो, हाणी 'गोंयची अस्मिताय' आनी 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या,' ह्या पुस्तकांनी गोंयचे समाज-जीणेचेर आपल्यो बडयो मारून बरयलां. दत्ताराम सुखठणकारांनी आपली 'मान्नी पुनव,' ह्या लेख-संग्रहांत, गोंयचे विविधतायेचेर मिस्किल नदर भोंवडायल्या. रामकृष्ण जुवारकारांनी 'आमच्यो खबरो' ह्या माथाळचा खाल तीन पस्तकां उजवाडायल्यांत. निमाणें १९८२-आत जातूंत आमच्या काळावेल्या प्रस्नांचेर सामान्य लोक कसो भासाभास करता तें मजेचे रीतीन दाखयलां आनी राजकरण्याक उजरायल्यात. काशिनाथ लोलयेंकार, हाणी 'काशी म्हणटा' हें विनोदी गजालींनी भरिल्लें पुस्तक बरयलां. दिनकर देसायांचीं 'दिनकरालीं कवनां' अशीच फकाणांनी थपथपिल्ली कविता. सिरिल सिकबेरांनी आपलीं असलीं बरोवपां 'फुगेटचो' (१९७९) 'गृहचार' (१९८०), 'फोकाणां' (१९८१), 'सुरसुऱ्यो' (१९८२), 'कुचिल्यो' (१९८५), 'मस्किऱ्यो' (१९८७) माथाळयांनी छापल्यांत आनी फ्रांसीस सालडान्यांनी 'वाचया आनी हांसया' ह्या पुस्तकांत उक्ताडा हाडल्यांत.

मनोहर सरदेसायांनी आपल्या 'हुंदरांची सभा' 'लोकशाय' आनी 'आयलो पोल', ह्या कवितांनी गोंयचे पयले विधानसभेचेर, गोंयांत आयिल्ले लोकशायेचेर आनी गोंयांत जाल्ल्या Opinion Poll वा मतां-थारावणेचेर आपलें मत हांसून हांसोवन पर्गटायलां. जे. अेल. गोयश, हाणी आपल्या बरोवपांतल्यान विनोद येशस्वी रीतीन उपकारायला, कथेच्या आनी नाटकाच्या रुपान, जसो भिकाजी घाणेकारांनी आपल्या भुरग्यांक केल्ल्या बरोवपांत आनी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

कवितेंत ताचो उपेग केला. रामचंद्र नायकांनी तसो आपल्या नाटकुल्यांनी आनी मधुसुदन बोरकारांनी 'हांसोळ' अेकांकिकेंत विनोद शिंवरायला .अरुण सुखठणकार आनी पुरुशोत्तम शिंगबाळ, हे दोगूय कोंकणींतले बरे विनोदी बरोवपी, जांचें बरोवप नेमाळ्यां-चेर आनी रेडियोचेर येता, पुण तें पुस्तक रुपान अजून येवचें आसा.

२४ धर्मिक स्वरुपाचें बरोवप

कोंकणी समाज आपल्या लांबदीक पुण विस्कळीत जाल्ल्या अितिहास-काळांत आकांताचे कश्ट-दगदग सोंशीत आयला आनी तेन्ना धर्माचो आसरो घेवन ते कश्ट पेलून व्हरपाचो धीर करीत रावला. अध्यात्मिक विशयाचेर जायतें बरोवप जालां, जरी सगळें आतां हाताक मेळना. क्रिस्तांव धर्मिक साअित्य तर वाडून वाडत जायतें जालां. निमाणें ह्या साहित्यांत जें तयार जालां तें मोलाचें, बायबलांतल्या नव्या कराराचें आधुनिक भाशांतर, जें अेकरुपी सात कोंकणी उलोवपी क्रिस्तांव धर्म-प्रांतां खातीर केल्ल्यान, कोंकणीच्या प्रमाणीकरणाचे दिशेन अेक म्हत्वाचें पावल जालां. ते सात धर्म-प्रांत अशे आसात : मुंबय, गोंय, पुणें, कारवार, बेळगांव, मंगळूर आनी चिकमंगळूर. ते भारतांतल्या तीन राज्यांनी पातळल्यात. तसोच 'मिसाल' आनी 'वाचपां' जीं मीसाच्या वेळार अुपकारा-यतात तीं कोंकणींत करून हाडल्यांत. फा. मोरेनु द सौजांनी भक्ती-भावाच्या अुमाळ्यान स्फुरिल्लीं 'धर्मीक गीतां' (१९७८) आनी 'क्रिस्ताचें यातना गीत' (१९८१) बरोवन अुजवाडायल्यांत आनी फा. पेद्रु लोबो हाणीं 'स्तोत्रां', (१९८०) हीं भावपुर्णायेन भाशां-तरावन काडल्यांत. 'नियाळकीर्तनां' (१९८१) आनी 'मोगान या होग्रयान' (१९८२), 'कीर्तनांचे रूप लक्षण', 'भागी जल्म मनश्या-चो', 'बायबलाचो भक्तिमार्ग' हीं स्वामी सुप्रियांची कांय म्हत्वाचीं पुस्तकां. फा. आल्वारू रेनात मेंदिश हाणीं जायतीं धर्मीक स्वरूपाचीं

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

आनी देखदिणी पुस्तकां बरयल्यांत जी भोव लोकां-मोगाळ जाल्लीं आसात. फा. आंतोन पेरेयरींनी साबार सांतांचीं चरित्रां बरयल्यांत. तांतून अिनासियु द लोयोला, फ्रांसीश्क शावयेर, जुझे वाज आदी आनी हेर धर्मीक विशयांचेर विपूल बरोवप केलां, जाचो अुल्लेख ह्या पयलीं आयला. फा. मार्तीन्यु नोरोन्या आनी अेवझेबयु फेर्रांव हांणीं नेमाळ्यांचेर बरें वैल्या पांवड्याचें बरोवप केलां आनी फुडें करपाची आस्त दाखयल्या, जशें लाक्तांसयु आल्मेयदींनी केल्लें. स्वामी आनंद आगयारांनी धर्मीक कवितेंत जशें 'चांफी' आनी हेर झेल्यांनी रसभरीत कुशलताय दाखयल्या:

आर. सि. शर्मानी 'भाशागणमंजरी' (१९३०) ह्या धर्मीक गीतांनी आपली प्रतिभा पर्गटायल्या. वेदवती अम्मलाचें 'भजन मालिका' (१९४८) हें श्री तीरूपती वेंकटचलपतीचेर कीर्तन जावन आसा. जी. कमलाम्मलीचें 'पात्रपरितम' (१९६२) सुर्य देवान द्रौपदीक दिल्ल्या अक्षयपात्राची काणी सांगता. अिंद्रकांत शर्मांनी संपादिल्लें 'सारस्वत कीर्तन माला' (१९५०) होय अेक धर्मीक गीतांचो संग्रह, जशें पद्नाभ शेणयांचें 'श्री कृष्ण भक्ती' (१९५२) जांतूंत भजन-गीतां आसात. वि. सोमलथाचें 'भक्ती गानमाला, हांतूंतूय भजन गीता आस्पावतात. 'भजगोविंदम्' (१९७८) हें शंकराचार्यांच्या वावराचें बि. वि. बाळ्ळो हाणी केल्लें कोंकणी भाशांतर. 'म्हातारी आजी' (१९८०) हो वि. शेट बलराज हांचो भजन-गीतांचो संग्रह जावन आसा.

कोंकणी अध्यात्मीक गद्यांत मोलादीक भर घाल्ल्या पांडुरंगाश्रम आनी आनंदाश्रम, ह्या चित्रापूर मठाच्या स्वामींची हे आदीं खबर केल्या. ते अजून आपल्या अनुयायांक उद्देशून उलोवपां भाशणां कोंकणींतल्यान करतात. ह्या धर्मीक स्वरूपाचें साअित्य घडोवपांत हालिंच्या काळार नागेश सोंदे, हाणीय आपलो हातभार लायला.

CC-0. Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

संत पुरंदरादास, आनी हेरांचीं चरित्रां बरोवन, हिन्दू तत्वगिन्याना-चेर ताणी साबार पुस्तकां बरयल्यांत आनी आपणें चलयल्ल्या 'कौंडिण्य' हे ती-म्हयनाळचांत ते आपलें बरोवप उजवाडायताले. बंटवाळ बाळिगांनी 'गीता संचय,' हो भजनांचो संग्रह आनी 'संत तुकाराम' आनी 'पादुका पट्टाभिशेक' हीं नाटकां बरोवन काडलीं. ह्या क्षेत्रांत बाकीबाब बोरकारांचें 'गीताय,' हें समश्लोकी काव्यांत बरयल्लें कोंकणो भाशांतर तर नोंद घेवपा सारकें. रामकृष्ण जुवारकारांचीं भजन-कीर्तन गीतां हालींच्या काळार 'रोजां' 'शेंवती-आबोलीं' अशीं जायतीं फुलून आयल्यात. कांय संत काव्यांतले मराठींतले 'अभंग' विठ्ठलदास प्रभूं वरवी कोंकणींत आयल्यात. मंगळुरांतल्या क्रिस्ती धर्मीक साअित्यांत सिलवेस्टर मिनेझिस, रैमंद मास्कारेन्हस, ग्रेगोरि कुवेल, मिंगेल कुलास, बेझिल रूजार आनी लिगोर वाज, हाणीं विपूल भर घाली.

२५ अणकार आनीं रूपांतरां

अणकार आनी रूपांतरां कोंकणींत आदीं मिशनरी आनी ताच्या आदल्या काळा-वेल्यान पसून येवपाक लागल्यांत. हालिच मेळिल्लें कोंकणी रामायांण आनी महाभारत, हांतल्यो काणयो म्हळचार सगळचांत पयले-वयलें कोंकणी रूपांतर म्हणू येता. महा-भारत तर भाशांतर वा अनुसर्जन करून हालीं रवींद्र केळेकारानी १९८७-आंत उजवाडायलें. आयच्या काळांत अशें अणकार करपाचें काम कोंकणींत जायतें जांवक लागलां. बाकी बोरकारांनी विनोबा भावेंच्या 'गीता प्रवचना-'चें कोंकणी भाशांतर केल्लें, तशेंच खलील जीब्रानच्या 'The Prophet' चें 'पैगंबर' ह्या माथाळचा खाल उजवाडायल्लें. संस्कृतांतलें ताणी 'वासवदत्ता' कोंकणींत हाडलें;

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

तशेंच मूळ अेवरोपी भाशेंतल्यान देवलांनी मराठींत केल्ल्या भाशांता-राचेर आदारून कोंकणींत ' संशयकल्लोळ ' हें नाटक बरयलें आनी १९७५-आंत उजवाडायलें. लुयीज द कामोंयश-च्या ' Os Lusiadas ' हांतलो कांय भाग म्हळचार पयलो सर्ग कोंकणींत हाडला तश्यो पुर्तुगेजींतल्यो कांय कथा लक्षमणराव सरदेसाय, पांडुरंग भांगी आनी ओलिव्हीन्यु गोमिश, हाणीं कोंकणींत हाडल्यात आनी त्यो साबार नेमाळयांनी उजवाडाक आयल्यात.

ओलिव्हीन्यु गोमिशांनी ज्योर्ज ऑर्वेल-ची ' Animal Farm ' ही कादंबरी आनी खलील जीब्रान-चें ' The Broken Wings ' हें पुस्तक, ' मोनजाती घरभाट ' (१९८५) आनी ' तोडिल्लीं पाखां ' (१९८६), ह्या नांवांनी कोंकणींत करून उजवाडायल्यांत. त्या भायर ताणी कालिदासांच्यो संस्कृत साअित्यकृती कोंकणीत हाड-पाचो येत्न केला, तांतलें ' शकुंतलम ' काणये रूपान सांगलां (१९८२) आनी ' मेघदूत ' काव्यांत केलां (१९७५). श्रीपाद देसाय, हाणी ' रघुवंश ' आनी ' यक्ष-प्रस्न ' संस्कृतांतल्यान १९७९-आंत कोंकणींत हाडलीं. फा. लुदोवीक पेरेयरा आनी फा. पोलीज हाणीं ' Imitatio Christi ' हो ग्रंथ कोंकणींत हाडलो.

रामकृष्ण जुवारकार-हाणी फ्रेंच आनी अिंग्लेज नाटकां कोंक-णींत रूपांतरावपाचो येत्न केला आनी अॅलेक्षांडर पुश्किन, ह्या रूसी बरोवप्याची अेक नवलीका ' दुब्रोस्की ' कोंकणींत मांडल्या. शेक्स्पी-यरांचें अेक नाटक ' Richard III ' ' राजा चंद्रहास, ' ह्या नांवा खाल ताणी कोंकणींत १९६६-आंत केलें. तेच भशेन फ्रेंच नाटककार मोलियेर-चीं कांय नाटकां कोंकणींत रूपांतरायलीं, जशीं ' भुतेबाब ' (१९६५), ' राखण ' (१९६६), ' व्हडवीक ' (१९६७), ' ओखद ' (१९६८), ' वांकडेपण ' (१९६८), ' अेक देवाचो मनीस ' (१९७०). तांचीं हेर नाटकां मूळ कोंकणींत जाल्यांत, जरी ' शाकुंतल ' , हें संस्कृतांतलें.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

पांडुरंग भांगींनी ' O Marinheiro ' नांवाचें पुर्तुगेज बरोवपी फेर्नांदु पेसोआ-चें स्तद्व, हालनाशिल्लें गुढार्थ रूपाचें नाटक कोंकणींत हाडलां, जशें ताणी ओस्कर व्हायल्डांचें ' सालोमे, ' हें नाटक आर्मिद रूद्रिगिसांनी पुर्तुगेजींत केल्लें त्या अणकाराचेर आदारून, कोंकणींत बरयलां. आबे फारीय, ह्या व्हड अंतरराष्ट्रीक कीर्तीच्या गोंयकारांची जीण फामाद पुर्तुगेज बरोवपी अेगश मोनीज, हाणी पुर्तुगेजींत बरयल्ल्या पुस्तकाचेर आदारून, पांडुरंग वर्दे, हाणी अणकारून ती जीण १९८२-आंत उजवाडा आयली. चंद्रकांत केणींचो ' काशीनाथ ' हो अणकार आसा. सिरिल सिक्वेरांनी गोल्डस्मिथांचें विकर ऑफ वेकफील्ड, त्याच नांवान १९७१-आंत कोंकणींत हाडलें; तेच भशेन स्पॅनिश भाशेंतलें सेरवांटिसांचें ' दोन किश्योत ' कोंकणींत बरोवन १९७२-आंत उजवाडायलें. कन्नड भाशेंतल्यो दोन कादंबऱ्यो : यशवंत चित्तालांची ' आबोलीना ' १९७८-आंत आनी त्रिवेनींची कादंबरी ' जीवन तुफान ' नांवान १९७३-आंत ताणी भाशांतरावन उजवाडाक हाडल्यो. तशींच ' संत थोमस, अिंडयेचो आपोस्त्ल, ' ह्या माथाळचा खाल जीवित-कथा ताणी येवरोपी भाशेंतली १९७१ कोंकणींत काडली.

प्रकाश थळींनी ' सगीना महत्तो ' धरून अेक दोन नाटकां भाशांतर करून कोंकणींत हाडल्यांत. ग. दि. माडगूळकारांचें ' गीत रामायण ' बी. वी. बाळिगांनी कोंकणींत अनुवादीत केलां आनी तें १९८६-आंत उजवाडायलां. ' महाभारत ', हें महाकाव्य सरळ, सुटसुटीत गद्यान, दोन खंडानी, रविंद्र केळेकारांनी बरोवन १९८७-आंत उजवाडायलां तें कोंकणी गद्याक अप्रूप योगदान.

साहित्य अकादेमी तर्फेन भाशांतरायल्लीं कोंकणी पुस्तकां अशीं आसात : भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी, हे माळेंतलीं ' प्रेमचंद ' (१९८४) हें ओलिव्हीन्य गोमिसांनी केल्लें; ' काजी नजरूल इस्लाम (१९८५) आनी ' नानालाल ' (१९८७),

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

हीं पुंडलीक नायकांनी केल्लीं, 'गालिब' नारायण वादोळकारांनी केल्लें. रबिंद्रनाथ ठाकुरांची 'चोखेर बाली' ही कादंबरी प्रा अेन. अेन. आनंदन हाणी कोंकणींत हाडल्या. तशीच 'मरळी मण्णिगे', ही शीवराम कारंथांची नवलकथा यशवंत पालेकारांनी कोंकणींत भाशांतरायल्या. 'मल्याळम साहित्याचो अितिहास' प्रा. आर. के. राव हाणी आनी 'कन्नड साहित्याचो अितिहास', जे. बि. मोरायेसांनी कोंकणींत हाडल्यात. वोल्तेरांची फ्रेंच कादंबरी 'कांदीद' (१९८४) मनोहर सरदेसायांनी अणकाल्ल्या, तशेंच धर्मानंद कोसंबीचें 'भगवान बुद्ध' (१९७९) मूळ मराठी चरित्र बाकीबाबानी कोंकणींत हाडलां. 'आनी तांका मनशांत हाडले', हें मूळचे गुजरातीतलें झवेरचंद मेघानींचें 'मानसायना दिवा' ह्या पुस्तकाचें रविंद्र केळेकारांनी केल्लें कोंकणी भाशांतर जाल्यार गुरुनाथ केळेकारांनो केल्लें 'कवी कथा', ही लीला मजुमदारांले पुस्तिकेचो अणकार. बाकी बोरकारांनी महात्मा गांधींच्या 'India of my dreams'- चो अणकार 'भारताचो दिश्टावो' म्हणून १९५७ -आंत उजवाडाक आयिल्लो.

२६. भुरग्यां साहित्य

ह्या पुनर्जल्माच्या काळांत भुरग्यांच्या साअित्यांत भर घालपाची जबाबदारी कोंकणी बरोवपी वाडटे संख्येन मानून घेतात. ताका लागून कोंकणींतलें भुरग्यांचें साअित्य सुमाराभायर वाडूंक लागलां. उगडास आसतलो कि पयलें वयलें भुरग्यांक शिकोवपाचें मुळावें कोंकणी पुस्तक, बारांव द कुंभारजुआ, तोमाज मौरांव, हाणी तयार केल्लें. ताचेर आदारून शणै गोंयबाबांनी आपलें आदर्श कोंकणी पयलें पुस्तक तयार केलें. तशेंच भुरग्यां खातीर ताणी अेक सोबीत पुस्तक बरयलें जाका 'भुरग्यांलो अिश्ट', अशें नांव दिल्लें.

श्रीमती गोदुबाय केळेकार, हाणीं 'फुलत्यो कळयो', हें भुर-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

ग्यांचे काणयांचें पुस्तक १९५७-आंत उजवाडाक हाडलें. अ. ना. म्हांबऱ्यांचें 'घुमचे कटार घुम', हें पोट-भर हांसोवपाचें चित्रां आशिल्लें पुस्तक १९६४-आंत भायर सरलें. शणै गोंयबाबांनी केल्लें अेके येत्ररोपी काणयेचें भाशांतर 'जादुचो जुंवो' म्हणून अेक पुस्तक १९६८ आंत उजवाडाक आयलें. बयाभावानी तर १९५० वर्सा आपलें 'देखदिण्यो काणयो' उजवाडायल्लें.

हालींच्या तेंपार तर भुरग्यां खातीर बरयल्ल्या पूस्तकांचो भार जाला. चंद्रकांत केणी, हांचें 'फुलांचो हात'; ओलीव्हीन्यु गोमिसांचीं : 'सुपुल्लो काणयां पांटुलो' १९७५); 'भारत आमचो देस', म्हायतीभरीत भुरग्यां खातीर पुस्तक (१९८२) आनी 'डॉ. फ्रां. लूं. गोमिश', हांची जीण (१९८५); पुंडलीक नायकांचें 'रान-सुंदरी', अेक कवन काणी (१९७४); रमेश वेळुस्कराचें 'भुंक भुंक भिशू', 'चानी मामा' 'फुलपाकुलें' 'कवना' (१९०८). त्या आदीं र. वि. पंडितानी आपल्यो 'गोड गोड काणयो', दोन वांटयांनी १९६५-आंत आनी 'रामायण म्हाभारतांतल्यो कथा' १९६६-आंत उजवाडायल्ल्यो. तश्यो 'बाल्यो काणयो', हो श्रीमती कमलादेवी राव देशपांडें-चो काणयां-घोंस १९६८-आंत उजवाडाक आयिल्लो. ताच्या उपरांत तांचो 'चिरमुल्यो', हो गीतां-झेलो १९८३-आंत भायर सल्लो आनी मागीर 'गिजबिजलें (१९८५). सुरेश काकोडकारांनी केल्लो अिंग्लेज काणयेची अणकार 'अेलीस आनी ताचो अप्रूप संवसार' चित्रांनी सजयल्लो, १९७०-आंत भायर सल्लो. दामोदर मावज्यांनी 'खोमसाची काणी' बरयली.

शांताराम हेदो, हाणी 'बापू' माथाळचा खाल म्हात्मा गांधींची जीण भुरग्यां खातीर बरयल्या. ताणी 'मदलो पूत', हें भास कविच्या 'मध्यमव्यायोग', ह्या कथानका वयल्यान रचिल्लें नाटकुलें, १९७९ वर्सा उजवाडायलें. लक्ष्मणराव सरदेसाय, हाणी 'रामग्याली वागा भोंवडी', ही साहस-काणी, बरोवन त्याच

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१९७९ - आंत उजवाडायली. असल्यो काणयो 'अशी काणी राजा राणी', ह्या नांवान महाबळेश्वर बोरकारांनी १९७५ - आंत आनी मागीर 'सांतानाची पिल्लूक' उजवाडाक हाडिल्ल्यो. कांय ल्हान ल्हान पुस्तकांची सांखळ प्रभाकर भिडेंच्या राजहंस वितरणान काडपाक सुरवात केल्या, तांतले तांतूंत 'सुरश्री केसरबाय केरकार, (सुशान्त नेसरिकार), 'बिरबल' (पुरुषोत्तम सिंगबाळ), 'आर्यभट' (डॉ. अरुण हेबळेकर), 'भाटकाराचो कान' (डॉ. विजय थळी), ह्यो आनी हेर पुस्तिका भायर सरत आसात. तशेंच कुमुदिनी आनी गुरुनाथ केळेकार, हाणीं टॉलस्टॉय, महाभारत, पंचतंत्र, अेनिड ब्लैटन, अरेबियन नायट्स, हांचेर आदारून, आनी कांय आपल्यो अश्यो कोंकणींत भुरग्यां खातीर काणयो बरोवन ल्हान ल्हान पुस्तिकांनी उजवाडाक हाडल्यात. तांतले तांतूंत 'न्हेरू चाचा' विशीं काणयो संजिवनी केळेकार, हिणें संकलीत करून अेके पुस्तिकेंत काडल्यात आनी डॉ. विनायक मयेंकारानी बरयल्लें 'आफ्रिकेंतलो शींव', (१९८६) हें सुपुल्लें शींवांच्या काणयांचें पुस्तक आसा.

भिकाजी घाणेकारांनी 'पिकनीक', 'हावेस' आनी हेर ल्हान ल्हान कविता आशिल्यो भुरग्यां खातीर पुस्तिका काडल्यात. तशींच माळेन बरयल्लीं अभयकुमार वेंलिगकार, हाणी भुरग्यां पासत सुपुल्लीं काणयां पुस्तकां काडल्यांत; कांय पुस्तकांनी कविताय घाल्यात. वेंलिगकारांनी आनी विजयाबाय सरमळकार हाणीय लोकवेदाचेर आदारून भुरग्यांक काणयो बरयल्यात, ज्यो नेमाळ्यांनी उजवाडाक आयल्यात. तानाजी हळर्णकारांनूय आपलें ह्या साहित्यांत नाव जोडलां ल्हान-शीं नाटकुलीं बरोवन. स्वामी सुप्रियांनी स काणयांचीं पुस्तकां आनी 'माणकुलीं पदां' उजवाडायल्यांत. ह्या साअित्यात दिशीं-माशीं खूब वाड जातली म्हणपाची आस्त आसा.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२७ साहित्यीक समीक्षण आनी हेर बरप

हालिंच्या काळार, साअित्य निर्मिता ताची तोखणाय करपाचें जें ल्हार आयिल्लें तें व्हांवून गेल्यान, आतां गंभीरतायेन, तयार जाल्ल्या साअित्याचो कस लावपाचें काम समीक्षकांनी ल्हवू ल्हवू हातांत घेतलां. पुर्वग्रह तर थोडे भोव आसाच, पुण तरी साअित्य पारखून घेवपाचे प्रयत्न जाल्ले दिसतात. गोंयचे कोलेजींनी शिको-वप्यांनी ह्या क्षेत्रांत भितर सरपाक सुरवात केल्या, जशे तेनसिंग रुद्रिगिश, हरिश्चंद्र नागवेंकार, श्याम वेरेंकार, आदी. प्रकाश थळी हाणी हे दिशेन थोडो वावर केला. लक्ष्मणराव सरदेसाय, हाणी तर 'कथा-शिल्प' (१९७७), ह्या पुस्तकांत चौग कोंकणी कथा-कारांच्या वावरा विशीं समीक्षेचे नदरेन आपलें जाणकाराचें मत मांडिल्लें.

वामन नायक, सु. म. तडकोड, गोल्डा मारीया रूद्रिगिश, फ्रेडी द कोश्ता, हींय समीक्षेचें बरोवप करूंक लागल्यांत. स्वामी सुप्रिया हे दिशेन आपलो समीक्षेचो वावर, जशें 'दर्या गाजोता'चें रसग्रहण, उजवाडायत आसात. आदल्या कोंकणी साअित्याची अज-मावणी प्रो. लुरदीन रूद्रिगिश करीत आसात आनी तांचे लेख नेमा-ळयांनी येतात. ताणी आदल्या कोंकणी-पुर्तुगेज शब्दकोशांचेर, व्याक-रण आनी साअित्याचेर खोलायेन अभ्यास आनी सोद चलयला आनी ताचें फळस्वरूप कांय वांटयान उजवाडाक आयलां, जशी तेन्नाची अस्कलीत उतरावळ आनी म्हणण्यो, वाक्यां आनी महाभार-तांतलें 'आदी पर्व' जें पयले-वयले कोंकणींत सोळाव्या शेंकडयाचे सुरवातेक बरोवन जाल्लें, पुर्तुगेजां आदलें निजाचें मुलकी कोंकणी साअित्याचें दायज.

१९८७-आंत हरिश्चंद्र नागवेंकारांचें 'आस्वादन,' हें कांय

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

थारावींक कोंकणी कवी आनी बरोवप्यांचेर समीक्षेचे नदरेन केल्लें मोलादीक बरोवप, जें असोच वावर फुडें व्हरपाक प्रेरणा दितलें म्हणपाची आस्त धरूं येता. येशवंत पालेकार असलें टीकेचें बरोवप आपल्या 'कोंकण भारती'त करतात, जशे ओलिव्हीन्यु गोमिसूय राष्ट्रीक पातळीचेर कोंकणी आनी अिंगलेज नेमाळयांनी आनी रेडियोचेर करतात. फा. डॉ. निकोलाव पेरेयरा आनी फा. मार्तीन्यु नोरोन्या, हे आयच्या कोंकणी साअित्याचेर परिक्षकाचे नदरेन पळेवन केन्ना केन्नाय नेमाळयांनी बरयतात. फा. अीवु द कोंसेयसांव सौजा, आंतोन्यु पेरेयरा साअित्यीक परिक्षणांत केन्नाय हात-भार लायतात. रवींद्र केळेकार, मनोहर सरदेसाय, र. वि. पंडित, हाणींय पुस्तकांक प्रस्तावना बरोवन अशी आजमावणी केल्या, जें पुस्तकांनी शिंपडून गेल्लें बरोवप अेकटांय हाडून अेका पुस्तकांत उजवाडायल्लें जाल्यार बरें जातलें आसलें. ह्या बरोवपांत बे. अे. मेंदिश-हांचो 'कोंकणी साअित्तीक निबंद' (१९८५), हें म्हत्वाचें पुस्तक.

फां. आंतोन्यु द सौजा विज्ञानीक विशयांचेर बरयतात तें ह्या आदीं सांगलां, जशें रवींद्र केळेकारांनी 'ब्रह्मांडाचो तांडव' बरयलां, हेंय सांगलां. श्याम वेरेंकार कोंकणी लोकवेदाचेर सोद करतात आनी अेक 'धालो,' हें लोक-गीतांचेर तांचें पुस्तक आयलां. स्वामी सुप्रियांनी अेक गडगंज मानवशास्त्रीक अभ्यास 'आमच्यो हुमिणयों नांवान करून उजवाडायला. तांचीं संस्कृती, लोकवेद, अध्यात्म, साहित्य, ह्या विशयांचेर २३ पुस्तकां आसात, जशीं : 'आकांतांतलो आसरो', 'सुख आनी सुसेग' 'उतराक झक्तें चमकण.' 'शणै गोंयबाबांचें जीवित आनी वावर' हे विशीं रा. ना. नायकांनी १९८०-आंत बरोवन तें साहित्य अकादेमीन उजवाडायलें. 'आमचो गांव' (१९७२) नांवांचें अितिहासीक म्हत्वाच्यो टिपो दिवन केल्लें डॉ. लुयीस फेर्नादिसालें पुस्तक जावन आसा. जो. सा. आल्वारिसांचीं 'म्हज्या जिवितांतलीं चरित्रां' (१९८६), ही आप-जीण. कोंकणी

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
भाशा मंडळ (गोंय), हे संस्थेचें मुखपत्र 'कोंकणी', हाचो जो वर्सावळीचो आंक उजवाडाक येता, ताचेर येतलें विविध प्रकाराचें साअित्य कोंकणीच्या मळार आयज कसलो आनी कितलो नेटान वावर चल्ला, हाची झळक फाव करता.

ह्या आयच्या काळार जाल्ल्या विपूल साअित्याची झळक वा कांय नमुने दितलो म्हळचार खूब सुवात आडांवची पडटली. हें साअित्य चड-शें सोंपेपणीं हाताक सांपडटा देखून ताचे लांब-रुंद उतारे दिवची म्हाका चड-शी गरज दिसना. वाचप्यांनी तें मुद्दम वाचून घेंवचें.

२८ निमाणीशीं उतरां

फाटीं गेल्लीं पाना कोंकणी सरस्पतींत कितें कात घडलें ताची झळक फाव करतात. हांचे वेल्यान कळून येतलें कि कोंकणी भास आनी सरस्पत लांबदीक थांबनाशिल्ली वाट चलत आयल्या आनी ही फळादीक परंपरा ती अशीच नेटान फुडें चलयतली, जरी तिच्या वांटचांक आकांताचे धुमाळे आनी कश्ट-दगदग आयल्यात आनी तिच्याच कांय खाश्या लोकांनी तिका जायते फावट फाट केली. मारेकार पिडापिडेंतल्यान वाट काडिल्ली ही भास चिकाटेन आतां आपल्या बळग्यार परती नेटान वयर सरल्या आनी खंयच्याच सरकार-शासनाचो गरजेचो आदार आलाशिरो नासतना, ती परत, ह्या आदीं केन्नाच जांवक नासली, अितले उर्बेन सगळचां आंगांनी रसरसून फुलूंक फळूंक लागल्या.

तिच्या साबार वाठारांतले बरोवपी आनी बरें मागते आतां अभिमानान फुडें सरून अेकामेकाक मेळून-मिसळून लागीं येवपाक लाग-

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri
ल्यात. ह्या तांच्या सांगातान अेकामेकाची वळख घेवून केल्ल्या वावरा उदेशीं कोंकणी साअित्यीक चळवळींत अेकसुत्रीपण अशें दिसूंक लागलां. हे वरवीं आयज चार राज्यांनी वांटून गेल्ले आमगेले कोंकणी प्रजेक नव्यान अेकजुट्टचा प्रयत्नांनी भावनीक आनी समाजीक अेकवटाच्या बांदपासान आमी बांदून हाडटले म्हणपाचीं चिन्नां दिसतात. असो आतां धर्माच्या आनी भुगोलाच्या कारणांक लागून फांटून गेल्लो आमचो समाज अेकटांय येवून संघटीत आनी अेकवटीत जातलो, हांतूंत दुबाव ना.

हो अेकचार बेगीन घडोवन हाडपाचे दिशेन आनी कोंकणी भाशेक आनी सरस्पतीक मानाच्या पाटार बसोपाचे नदरेन, शिक्षणाच्या मळार कोंकणीन घसघशीत पावलां मारूंक जाय. आयज कोंकणी मुळाव्या साळांनी शिकयतात, कांय गोंयच्या आनी केरळांतल्या साळांनी माध्यम म्हणून. मुळाव्या पातळींचेर सगळचा कोंकणी भुरग्यांक माध्यमूच म्हणून ही भास वेवस्तीत शिकोवपाक जाय, खासा तांच्या पांवडया खातीर बरोवप करून घेवून. तशीच ती भास माध्यमीक आनी उच्चमाध्यमीक आनी म्हाविद्यालयांनी विशय म्हणून शिकयतात. पोरूं वर्सा सावन कोंकणी पदवी-उप्रांतचे पातळीचेर, ती गोंय विद्यापीठांत शिकोवपाक लागले आनी संशोधना खातीर ती उपकारावपांत येता. बेगिनूच मंगळूर विद्यापीठ अशेंच पावल उखलतलें म्हणपाची आस्त आसा आनी घडये केरळांतलें अेक तरी विद्यापीठ कोंकणी खातीर अध्यासन तरी सुरू करतलें म्हणून थंयचो लोक आशेन रावता.

कोंकणीचो अभ्यास आनी संशोधन करचे खातीर कर्नाटकांतल्या मणिपाल शारांत, टी. अेम्. अे. पै प्रतिष्ठानाच्या शिक्षणोक

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

आवारांत कोंकणी अभ्यास संस्था थापल्या. गोंयांत जेझुयीत संघाच्या पाद्रींनी पणजेंत तोमस स्टीफन्स कोंकणी केंद्र बसयलां. गोंयच्या सरकारान निमाणे कडेन गोंय कोंकणी अकादेमी स्थापन केल्या, जी कोंकणी साअित्यीक चळवळीक विधायक आनी फळादीक रुप दितली म्हणपाचे खतखतीत आंवडे सगळो लोक बाळगून आसात. आपले भाशेक सरकारी भास म्हणून वावरिल्ली आनी आपल्या साअित्याक राजस्त्रेय मेळिल्लें पळेंवक आमचो लोक आयज कितलीं वर्सां जालीं चळवळ करीत आसा. अेके लोकशायेंत मेळटले सगळे उपाय उपकारावन आमचो लोक आपले खाशेले आवयभाशेक हो आपल्याच घरा धनीपणाचो भोवमान मेळोवपाक वावरत आसा.

दुसरी अेक कोंकणी लोकांची कितलीशींच वर्सां जालीं करीत आयिल्ली मागणी म्हळचार कोंकणीक राष्ट्रबांदावळीचें आठवे वळेरींत आस्पावपाची. खरें म्हळचार साहित्य अकादेमीन जेन्ना कोंकणीक भारताची अेक स्वतंत्र साअित्यीक भास म्हणून मान्यताय दिली, तेन्ना वा रोखडेंच ताच्या उपरांत कोंकणी भाशेक ते वळेरींत घेवपाची. पुण तशें अजून जालें ना, कांय राजकी कारणांक लागून घडये जांवये. दुसरी अेक मागणी कि कोंकणी गोंय राज्याची अेकली अेकूच राजभास जांवची म्हणपाची मान्य जाल्या पुण समाधान जावपाचे रीतीन न्हय. ही थारावणी लेगीत अजून खरेपणांत हाडिल्ली दिसना.

कोंकणीक आपली हक्काची सुवात मेळूंक जाय, जर ती पुराय रीतीन आनी मेकळीकेन फुलतली आनी फळटली जाल्यार. ते खातीर तिका केंद्र आनी राज्य सरकारांचें पूर्ण फाटबळ आनी नेताळ तेंको मेळपाची चड गरज आसा. तो तेंको मेळटलो म्हणपाचीं

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

आमी आशा धरूं येता आनी तें पास्वत आमकां पेंकट बादून गंभीर-तायेन वावुरचें पडटलें. अशें जाल्यार आयज कोंकणी सरस्पतींत जें पुनरूत्थानाचें नेंटाचें ल्हार आयलां ताचेर बसून तीं वैभवाक पावतली. तशें जांव आनी ताचेवरवीं आमच्या लोकाची घसघशीत. उदरगत घडोवन येवूं म्हणपाची खतखतीत आस्त बाळगूंया.

Forwarded free of cost and with the compliments of the Deptt. of Education, Govt. of India, New Delhi.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

आदारावळ (Bibliography)

१) बोरकार, बाकीबाब - कोंकणीची उतरावळ - तिची जोडणूक आनी घडणूक, कों. भा. मंडळ, मडगांव.

२) ______________ (संपादीत) कोंकणी काव्य संग्रह, साहित्य अकादेमी, नवी दिल्ली.

३) **Bloch, Jules** - ' Formation de la langue Marathe ' Paris - 1920 –

४) **Cunha, J. Gerson da** – Konkani Language and Literature Bombay, 1881.-

५) **Cunha-Rivara, J. H. da** - ' Ensaio Historico da Lingua Concani', Imprensa Nacional, Goa-1884.-

६) ______________ (Ed). ' Archivo Portugues Oriental ' (1857-76), Goa.

७) **Da Costa, Anthony** - The Christianisation of the Goa Islands, (1510-67) - published by author Bombay – 1965.–

८) **De Souza, Leo** – Mongllurichem Konknnik iogdan (hat-borop), 1969,–

९) **Dalgado, Mons. S.R.** – 'Florilegio de Proverbios Concanis', Imprensa da Universidade, Coimbra 1922,-

१०) घुमे, अनंत रा. शः. ' गोमंतकाच्या वसाहातीची रूप-रेशा' • गोमंतकाची प्रतिमा–श्री सरस्वती मंदिर, पणजी- गोंय-१९७३ –

११) **Gomes, Olivinho J. F.** – VILLAGE GOA (A study of Goan social structure and change), S. Chand & Co., New Delhi, 1987.-

१२) ______________ - Konkani Language and Literature–an overview – in ' Boletim do Instituto Menezes Braganza,' Panjim, offprint of issues nos. 150–152 of 1986-87.-

१३) **Katre, S. M.** - The Formation of Konkani - Deccan Post – Graduate Research Institute. Pune, 2nd edition–1986.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

१४) खंरे, विश्वनाथ – द्रविड महाराष्ट्र,-साधना प्रकाशन, पुणे, १९७७.–

१५) केणी, चंद्रकांत – (संपादीत) कोंकणी कथा-संग्रह, साहित्य अकादेमी, दिल्ली.

१६) **Kelekar, Ravindra & F. J. Martyres, A. A. Saldanha** (Ed.) A Bibliography of Konkani Literature, Gomant Bharati Publications. Goa, 1963.

१७) **Kosambe, D. D.** -Myth and Reality (Studies in the formatien of Indian Culture), Popular Prakashan, Bombay, 1962:

१८) नायक, प्रताप - (संपादीत) कातडी माती, कोंकणी कवी, मार्ग प्रकाशन, पुणे १९८५ -

१९) **Pandit, R. V.** – (Ed.) - Goan Poetry, Books I & II, Bhagwati Prakashan, Panjim, Goa, 1976.

२०) **Pereira, Antonio** – The Makers of Konkani Literature - pub. by author, Baga, Calangute (Goa), 1982.

२१) **Pereira, Gerald** – An outline of the Pre-Portuguese history of Goa – published by author, Vasco da Gama (Goa) , 1973. –

२२) **Pereira, Jose** – Literary Konkani, a brief history – Konkani Sahitya Prakashan, Dharwar, 1973.-

२३) ______ Konkani : A Language (a history of the Konkani-Marathi controversy), Karnatak University, Dharwar, 1971. –

२४) ______ The Development of Konkani as a literary language - extensive article serialised in ‘ A Vida ’ Daily, Margao (Goa) , from October, 1964 to 1965.–

२५) **Rodrigues, Lourdino A.** – Glimpses of Konkani Language at the turn of the sixteenth century–Off-prints of ‘Boletim do Instituto Menezes Braganza, Panjim (Goa), 1978 onwards.

२६) ______ (Ed.) ‘Adi Parva’ – Mahabharat - 1988.

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

२७) **Rodrigues, Santana** - The Origin of Konkani Language, Coimbra, 1929.

२८) **Saldanha, Gabriel M. J.** – 'Historia de Goa', 2 vols., Nova Goa, 2nd ed. 1925–26. -

२९) **Saldanha, Mariano,** (Ed.) 'Doutrina Christa', Lisboa, 1950,

३०) **Seabra, Manuel de & Vimala Devi** – (Ed.) 'Literatura Indo-Portuguesa', Vols. I & II -Junta das Investigacoes do Ultramar, Lisboa. 1971. -

३१) **Shanbhag, D. N.** (Ed.) - Essays on Konkani Language and Literature – Konkani Sahitya Prakashan, Dharwar, 1975. -

३२) **सोंदे, नागेश** – कोंकणा भाशेचो अितिहास, वासंती प्रकाशन, मुंबय, १९८२

३३) **शणै गोंयबाब** – येवकार-अध्यक्षांलें उलोवप - III बसका - १९८२ - गोमंतक छापखानो, मुंबय, १९४५

३४) __________ कोंकणी भाशेचें झंत-गोमंतक छापखानो. मुंबय १९३२

३५) __________ वलिपत्तनाचो सोद – ,, ,, ,,

३६) गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक, पयलें खंड – ,, १९२८

३७) कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ, गोमंन्तक छापखानो, मुंबय

पुस्तकालय गुरुकुल कांगड़ी हरिद्वार

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

चुकावळ

पान	वळ	चूक	सारकें
मांडावळ	माथाळो - १५	पुनरुस्थान	पुनरुत्थान
७	निमणें वाक्य	तारीक पडूंक ना	१५ - १
२२	तेरा	कोंकणीचें	कोंकणीच्या
२३	अठरा	कर्रूक	करूंक
२३	निमणी वळ	जेन्ना गोंयच्या जेन्ना	जेन्ना गोंयच्या पुर्तुगेज
२५	चार	सैंब	सेंब
३६	स	साध्या सोंप्या	साध्या सोंप्या रीतीन
३७	पांच	हट्टच-त्नगडी	हट्टचानगडी
३८	चार	विवेक रानाकर	विवेक रत्नाकर
३८	बारा	पांडुरंगात्नमस्वामी	पांडुरंगाश्रमस्वामी
३८	सतरा	पलेयात	पळेयात
४१	चार	१५२०	१५१० तले
४२	णव	जांच्यो अुल्ल्या जाल्यार	जांच्यो प्रती अुल्ल्या जाल्यार
४७	अेकवीस	कणपपा	कणप्पा
५५	सकल्यान दुसरी	अदुआर्द	अेदुआर्द
५५	निमणी	सहकार्याच्या	सहकार्यांच्या
५७	अठरा	म्हन्याळीं	म्हयन्याळीं
५८	तेरा	सुगुग्र्याची	सुगुव्र्याची
६९	पांच	आगुलल्याचें	आगुल्ल्याचे
६९	सकल्यान तिसरी	लक्षमनराव	लक्ष्मणराव
७३	‘ कविता ’	फुलांगिले	फुलांगळे
८४	सकल्यान चवथी	प्रसाण	प्रमाण
९७	वीस	अछेव	अच्छेव
११३	चार	कोलंबकार	कोळंबकार
११३	पांच	गायतडे	गायतोंडे
१२५	चौदा	सिकबेरा	सिक्वेरा
१२८	सतरा	रामायांण	रामायण
१४०	अेकवीस	वसाहातीची	वसाहतीची
१४२		कोंकणा	कोंकणी
१४२		झैंत	जेंत

6985

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

GURUKUL KANGRI LIBRARY
Acc
Class
Cat
Tag etc.
Checked
Any Other

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar

Digitized by Arya Samaj Foundation Chennai and eGangotri

डॉ. ओलिव्हींन्य गोमिश्

जल्म जुव्यां (सांतईश्तेव्हां), गोंय, १९४३. मुळावें आनी उंचलें लिसेवाचें शिकप पुर्तुगेजिंतल्यान; अिंग्लेजिंतल्यान पणजे डोन बोस्को आनी पुणे, कर्नाटक आनी शिवाजी विद्यापीठांतल्यान– साहित्य, समाजशास्त्र, मनशास्त्र. गोंयच्या समाजीक बांदावळी आनी बदला विशीं प्रबंध दिवून समाजशास्त्रांत डॉक्टोरेट Ph. D. फाव जाल्या. गोंयच्या सरकारी सचिवालयांत भाशांतर–करपी म्हणून वावुल्ले. आकाशवाणीवेल्यान उलोवपां, रूपकां, कथा, कविता वितरायल्यांत. गोंयच्या आनी गोंया-भायल्या खबरेपत्रां आनी नेमाळचांनी बरौवपां उजवाडाक आयल्यांत. U. S. Library of Congress, Washington D. C. अिचे वळेरींत तांचीं पुस्तकां आस्पावतात. १९६९ वर्सांतले आय. ए. एस. (I. A. S.) परिक्षेंत वेंचून आयिल्ल्यान सोलापूर, रत्नागिरी, दिल्ली सचिवालयांत, गोंयांत, नाशिक आनी औरंगाबादेंत केंद्र सरकाराच्या उंचल्या कारभारांत वावुरले. कोंकणी पास्वत, हे प्रतिश्टीत नोकरेचो त्याग करून, गोंय विद्यापीठांत पयले कोंकणीचे पूर्ण प्रोफेसर आनी विभाग प्रमूख म्हणून जून १९८७ आंत पसून काम करतात. नवे दिल्लीचे साहित्य अकादेमीचे वावुरपी समितिचे मानादीक वांगडी आनी त्या नात्यान तिच्या कोंकणी बुद्धदिवपी मंडळाचे येजमान म्हणून तांकां १९८८-९२ काळा खातीर वेंचून काडल्यात. १९८६-आंत गोंय राज्य साहित्य पुरस्कार फाव जाला.

तांचीं हेर पुस्तकां :

- Dr. Francisco Luis Gomes - जीवितकथा (रोमींत) (सोंपलें)
- **पुंजायिल्ल्यो पाकळचो** – कवितां झेलो (सोंपलें) (कला अकादमी पुरस्कार)
- **मेघदूत** - कालिदासाचें कोंकणीं काव्य रूपांतर (सोंपलें)
- **सुपुल्लो काणयां पांटुलो** – भुरग्यां काणयो (सोंपलें)
- **मन वोडटा वोडना** – कथां घोंस (कों. भा. मं. पुरस्कार) (सोंपलें)
- **शाकुंतल** – (रोमींत) काणये रूपांतर (सोंपलें) (कों. केंद्र पुरस्कार)
- **भारत आमचो देस** – (भुरग्यांक) कला अकादमी पुरस्कार (सोंपता)
- **प्रेमचंद** – भाशांतर–(साहित्य अकादमी उजवाडावप)
- **सुस्कारे** - कवितां झेलो (कों. केंद्र पुरस्कार) (सोंपलें)
- **डॉ. फ्रा. लू. गोमिश** – भुरग्यांक जिवीतकथा (कों. ग. मंडळ पुरस्कार)
- **मोनजाती घरभाट** – George Orwell – चें 'Animal Farm' चो अणकार
- **तोडिल्लीं पाखां**–Kahlil Gibran – चें 'The Broken Wings' चो अणकार

CC-0. In Public Domain. Gurukul Kangri Collection, Haridwar